# हातीम तई

माया अनिल खरंगटे



# हातीम तई

माया अनिल खरंगटे

ॐ श्री दत्त पद्मजा प्रकाशन

| | |
|---|---|
| हातीम तई (अणकारीत काणी) | Haatim Taee (Translated Story) |
| - माया अनिल खरंगटे | - Maya Anil Kharangate |
| प्रकाशन क्र. ५९ | Publication No. 59 |
| © लेखिका | © Writer |
| पयली उजवाडावणी : | First Publication : |
| १ फेब्रुवारी २००८ | 1 February 2008 |
| उजवाडावपी : | Publisher: |
| श्री. मिलींद कमलाकर म्हाळशी | Shri. Milind Kamlakar Mhalshi |
| ॐ श्री दत्त, | Om Shri Datt, |
| श्रीस्थळ, काणकोण, गोंय. | Shristhal Canacona, Goa. |
| छापपी : | Printer: |
| सौ. माधुरी मिलींद तिंबले | Mrs. Madhuri M. Timble |
| नवादित्य पॅकेजिंग्स, | Navaditya Packagings |
| माशेल, गोंय | Marcel, Goa. |
| अक्षरजुळणी : | Type Setting: |
| कु. आशा ग. पवार | Ms. Asha G. Pawar |
| कु. ज्ञानेश्वरी सु. धुरी | Ms. Dnyaneshwari S. Dhuri |
| मुखचित्र : | Cover: |
| श्री. अमोल पागी | Shri. Amol Pagi |
| मोल : ७५/- रुपया | Price : Rs. 75/- |

पुस्तक उजवाडणेची सुवात : अखील भारतीय कोंकणी परिशदेचें २६वें अधिवेशन, नेहरू मेमोरियल टाऊन हॉल, एर्नाकुलमु, केरळ

विद्याभुवन कोंकणी शाळेंतल्या म्हज्या विद्यार्थ्यांक,
जांणी म्हज्यांतल्या लेखकाक सदांच जागो दवरलो.

**- मायाताई -**

# १. राजकुंवर हातीम

खूब वर्सां पयलीं रयेमेन राज्यांचेर तई नांवाचो बादशाहा राज्य करतालो. ताणें आपल्या बापोलयाच्या चलयेकडेन लग्न केल्लें. दोगांय सुखान राज्य करतालीं. प्रजेक तीं आपल्या भुरग्यावरी मानतालीं. येमेनची प्रजा लेगीत राजा- राणयेचेर खूब मोग करतालीं. पूण एक व्यथा तांकां दिसरात पोखरताली. तांकां भुरगें नासलें. राज्याक वारस नासलो.

भुरग्याक लागून ताणीं खूब देवदेवस्पण केलें. साधू फकिरांक दान- धर्म केलो. आनी एक दीस सगळ्यांच्या आशिर्वादान राणयेक दीस गेले. ही खबर आयकून राजाक खूब खोस जाली. राणयेक आतां खंय दवरूं आनी खंय नाका अशें राजाक जालें. हां हां म्हणटना ही खबर येमेन राज्यांत पातळ्ळी. सगळे प्रजेक खोस जाली. राणी बरेभशेन बाळांत जावन राज्याक वारस मेळचो म्हूण प्रजा लेगीत राजावांगडा देवाक होरावंक लागली.

दीस भरतकच राणी बाळांत जाली. राणयेन एका सोबीत चल्याक जल्म दिलो. राज्याक वारस जालो. ही खबर आयकून राजाच्या खोशयेक शीमेमेर उल्ली ना. ताणे शिपायकांक धाडून आख्या राज्यांत मूठ – मूठ साकर वांटूंक लायली. राजाच्या खोशयेंत प्रजाय सामील जाली. राजघराण्याच्या परंपरे प्रमाण बादशाहान पंडितांक आपोवणें धाड्लें दर एकलो पंडीत आपलें पंचांग घेवन दरबारांत आयलो. राजान तांकां सांगले, हें पळयात, तुमी तुमचीं पंचांगां पळोवन म्हज्या राजकुंवराची जल्म- पत्रिका तयार करात, आनी ताचो फुडार कसो कितें आसा तो सांगात.

सगळ्या पंडितानी एकठांय बसून राजकुंवराची पत्रिका तयार केली. ती बरेतरेन पारखून जातकच एका पंडितान म्हळें, म्हाराज! ही पत्रिका सांगता त्या प्रमाण आमचो राजकुंवर भाग्यवान आसा. तो एक व्हड बादशाहा तर जातलोच पूण त्या भायर तो आपलें जिवीत दुसऱ्यांचेर उपकार करपांतच खर्चितलो. खासा देव-देवतांचें काम तो करतलो. अशे तरेन ताजी कीर्त हे धर्तरेचेर चंद्र सूर्य आसा मेरेन चकचकत रावतली.

पंडितानी सांगिल्ले भविश्य आयकून बादशाहाक खोस जाली. ताणे पंडिताक हिरे-माणकां आनी पोवनां दिवन निरोप दिलो.

मोठ्या थाटान राजकुंवराक पाळण्यात घालून ताका हातीम नांव दवरले उपरांत राजान आपल्या सरदारांक हुकूम केलो, तुमी आमच्या

सगळ्या राज्यांत दवंडी दियात, राजकुंवर हातीम ज्या दिसा जल्मला, त्या दिसा ज्यांच्या ज्यांच्या घरांत चलो जल्माक आयला तो आयच्यान म्हज्या हातिमाचो दास. ताच्या आवय– बापायन ताका राजवाड्यांत हाडून पावोवपाचो. त्या बाळकाक सांबाळपाची जबाबदारी आमची आसतली.

राजाचो हुकून आयकून जांच्या कोणाच्या घरांत चले जाल्ले तांणी ताका हाडून राजवाड्यांत पावयले. त्या दिसा राज्यांत स हजार चले जल्मल्ले.

त्या सगळ्या बाळकांक सांबाळूंक हजारांनी दाई आनी नोकर–चाकर दवरले. त्या सगळ्या भुरग्यांमदीं हातीम वाड्टालो. सगळ्यांक म्हूण नोकर–चाकर दाई दवरिल्ल्यो खऱ्यो पूण तांचे चड लक्ष आसतालें तें हातिमाचेर तीं ताका तळटावेल्या फोडावरी जपतातीं. इतलो सांबाळून लेगीत एक दीस हातीम दोळे उगडना जालो, दुदय घेना जालो. सगळ्या नोकरा–चाकरांक अजाप जालें. ते थर्त भियेले. आमचेकडेन कितेंय चूक जाली काय? ह्या भंयान तांकां कडकडो भल्लो.

ही खबर बादशाहाच्या कानार पडली. ताणे रोखडेंच पंडितांक अपोवणें धाडलें. पंडितांनी येवन हातिमाक पळयलो, आनी थंयची परिस्थिती पळयली. तांकां कारण कळ्ळें, तांणी म्हळें, सगळ्या भुरग्याचें दूद पियेवन जातकच हातीम दूद पितलो. पयलीं सगळ्या भुरग्यांक दूद पिवयात., नोकरांनी रोखडेंच स हजारय भुरग्यांक दूद पिवयलें. तेन्ना हातीमानय दूद घेतलें. मागीर सदांच त्या स हजार बाळकांवांगडाच हातिमाचें खावप–पिवप जावपाक लागलें. तांच्या सांगातान हातीम वाडूंक लागलो.

## २. न्यायप्रिय हातीम

हातीम मात्सो व्हड जातकच एका घोड्यार बसून एकटोच राज्यांत भोंवडेक वतालो. वाटेर कोणाचीय झगडीं झुजां चलतात जाल्यार तो थांबयतालो. कोणय गरीब–दुबळ्यांचेर अन्याय करतात जाल्यार तो तांकां न्याय मेळोवन दितालो. गरीब लोकांची ताका सदां काकुट दिसतालीं. तांकां तो पयलीं आदार करतालो.

ताणें आपल्या वयाच्या चौदाव्या वर्सा बापायची धन–दौलत गरीब दुबळ्यांक वांटून दिली. तो जसो जसो वयान वाडटालो तशी ताची बुददय तेज जायत गेल्ली. न्याय–अन्याय पारखुपाची ताची शक्तय वाडिल्ली. भर दरबारांत बादशाहा कडल्यान कोणाचेरय अन्याय जाता आसत जाल्यार तो सडसडीत उबो रावन दाखोवन दितालो. असल्या वेळार तो कोणाचीच भीड मुर्वत थरिनासलो. ताच्या ह्या सभावाक लागून बाद्शाहाक आनी दरबारांतल्या सगळ्या मानेस्तांक ताची तोखणाय दिसताली. केन्ना केन्नाय बादशाहा ताकाच न्याय दिवंक सांगतलो. ताणें केल्लो निवडो सगळ्यांकच मानवतालो. तो देवाक खूब मानतलो. तो म्हणी, ही सृश्ट देवान निर्मिल्या. ताचेर विश्वास दवरून आमी कार्य करीत रावपाचें. येस खात्रीन मेळटा., तो राज्यांत भोंवडेक वतना आपले हेच विचार लोकांक सांगी. तो म्हणी, हया सैमाची सोबितकाय आमी जाता तितली वाडोवंक जाय.
ती इबाडून उडोवंक जायना. दुसऱ्यांचेर अन्याय करूंन, तांचे पांय ओडून आमी मुखार सरूंक जायना, तर खासा आपल्या कर्तुबान, हुशारकायेन मुखार सरचें.

दिसान दीस वाडपी हातिमाची कीर्त, आनी ताच्या सोबीत गोमट्या रूपाची तोखणाय सगळेकडेन पातळिल्ली. सगळेच ताका पळोवंक, मेळूंक सोदताले. ताच्या हातीम हया नांवा परस राजकुंवर येमेन म्हणूनच ताका लोक चड वळखताले. हातिमाक राजवाड्यांत रावन सुखां भोगूंक आवड्नासलीं. तो सगळ्या राज्यांत उपदेस करीत, लोकांक उजू मार्ग दाखयत भोंवत आसतालो. ताका संपत्तीची लेगीत आस नासली. असोच एक दीस भोंवतां भोंवतां हातीम रानांत पावलो. पयसूल्यान एक शींव ताचेर गुरगुरत येता तो ताका दिसलो. ताचेकडेन हत्यारां आशिल्लीं. तीं बरेतरेन चलोवंकूय ताका येतालीं. पूण ताणे मनात विचार केलो, हाचेर खंजीर मारल्यार हो जखमी

जातलो; सोडून दिल्यार म्हाका खातलो. म्हजो जीव वाटावंक गेल्यार ताचो आत्मो कसो शांत जातलो? ताचो आत्मो शांत करप म्हजे पयलें काम., अशे येवजून तो शिंवा मुखार वचून उबो रावलो. आनी ताणें म्हळें, वनराजा! हो हांव आनी म्हजो घोडो तुजे मुखार आसात. तुका जाय ताका खा आनी तुजी भूख भागय. हें पळोवन शींव लजलो. तकली सकल घालून तो हातिमाच्या पांयां म्हऱ्यांत बसलो आनी ताचे पांय चाटूंक लागलो. तेन्ना हातिमान् ताका परत विनयलो, म्हाका खायना जाल्यार म्हज्या घोड्याक तरी खा. तेन्ना शींव तकली सकल घालून रानांत गेलो.

अशे तरेन हातीम सगळ्यांक उपकारा पडटालो. दुसऱ्यांचे बरें करपा पासत वावुरतालो.

हातीम आतां एक बरो सोबीत तरनाटो जाल्लो. ताचे हुशारकायेचें तेज ताच्या चेऱ्याक चडच सोबाय हाड्टालें. आतां ताचें लग्न करचें अशें ताच्या आवय-बापायन थारायलें. एकदां थारायलें म्हणटकीर राणयेन वेळ केलो ना. देशा देशांतल्या राजकुंवरींचीं चित्रां तिणें हाडून घेतलीं. हातिमान तांतलें एक्कय चीत्र पळयनासतना आवयक सांगले, हें पळय अम्मी! लग्न करप, सुखान राज्य करप हें सध्या तरी म्हजें काम न्हय अशें हांव मानतां. म्हाका जग भोंवडी करूं जाय. जगांतल्यो बऱ्यो वायट गाजाली पळोवंक जाय, तांचो अणभव घेवंक जाय. तेन्ना सध्या कसल्याच बंधनांत म्हाका बांदुनाकात. फाल्यांच्यान हांव एकटोच भोंवडेक भायर सरतलों.

आवय-बापायक अशें सांगून तो खऱ्यांनीच आपल्या आवडीच्या घोड्यार बसून भोंवडेक भायर सरलो. अशेच भोंवडे वेळार ताका मेळिल्ल्या हुस्नबानू नांवाचे युवतीच्या सात प्रस्नांच्यो जापो सोदपाक ताणें कशे कशे त्रास काडले. ते आमी ह्या फुडल्या वांट्यांनी वाचुंया.

# ३. हुस्नबानू

खूब खूब वर्सांपयलीं खुरसन नांवाच्या एका राज्यांत कर्दनशहा नांवाचो एक नामनेचो बादशाहा राज्य करतालो. ताच्या दरबारांत आठ प्रधान आसले. ते हुशार तशेंच कर्तबगार आसले. त्या राज्यांतले सगळे नोकर-चाकरय हुशार आसले, तांचो बादशाहा कर्दनशहा लेगीत न्यायप्रीय राजा आसलो. न्याय दितना तो आपलो- पेलो असो भेद करिनासतना न्याय दितालो.

त्याच राज्यांत रावपी बरझाक नांवाचो एक गिरेस्त सौदागर ताचो जिवाचो इश्ट आसलो. बरझाकाक एक अपुरबायेची धूव आसली. तिचें नांव हुस्नबानू.

कांय तेंपान बरझाक सौदागर म्हातारो जातकच ताका आपले धुवेची चिंता जाली. हुस्नबानू अजून ल्हान आसली. तिका सांभाळपी अशी तिची एक दाई सोड्ल्यार आनीक कोण नात्यांची मनशां नासलीं. तेन्ना ताका आपल्या इश्टाची बादशाची याद जाली. ताणें राजाक आपोवन आपली सगळी धन-दौलत आनी मोगाची धूव ताच्या हातांत दिली.

राजान बानूक आपले धुवेवरी वाड्यली, ती व्हड जातकच इश्टाचे धन-संपत्तीची मातय आस धरिनासतना राजान बानूचे सुवादीन केली. हुस्नबानू आपली दाई आनी नोकरांच्या सांगातान बापायच्या वाड्यांत रावंक गेली.

बानूची आवय ती ल्हान आसतनाच मेल्ली. म्हूण ती आपले दाईकच आई म्हणटाली. एक दीस तिणें दाईक सांगलें, आई! ह्या संवसाराक कांयच अर्थ ना. सगळी धन-दौलत गरीब दुबळ्यांक वांटून उडोवन, अल्लाचें नांव जपत जिविताचें सार्थक करचें, अशें म्हाका दिसता. तुका कितें दिसता?

तिचें उलोवणें आयकून दाईन तिका मायेन म्हळें, - पळे बाय, तूं अशीं पिशेंपणां करूंनाका, एका साधूम्हाराजाचे कृपेन म्हाका सात प्रस्न खबर आसात. ते सगळे प्रस्न तूं भायल्या दाराचेर बरोवन दवर. जो कोण ताच्यो दिस्त जापो दितलो ताचेकडेन तूं लग्न कर. म्हणटकीच तुजें जिवीत सुखी आनी समाधानी जातलें. ते प्रस्न अशे-

१) एक खेप पळयल्यां परत पळोवचेल्ली इच्छा आसा.

२) बरें कर आनी उदकांत उडय.

३) कोणाकच फटयनाका. फटयल्यार ताचीं फळां भोगतल्यो.

४) सत उलोवपी सदां सुखी आसता.

५) कोहनिदा   असो आवाज करपी पर्वताची खबर हाड.

६) पाणकोंबयेच्या तांतया येदें एक मोतीं म्हजेकडेन आसा. ताचे जोड्येचो दुसरो घेवन यो.

७) हमाबाद गिर्दाची खबर हाड.

दाईन सांगिल्ले सातय प्रस्न आयकून हुस्नबानून म्हळें –ह्या प्रस्नांच्यो जापो दिवपी बुध्दिमान दादलो मनीस मेळप मोटें कठीण काम. तसो कोणय मेळ्ळोय म्हूण ताचेकडेन लग्न जावन हांव सुखी जायतच म्हणून आसा?

तिचो निराशेन भरिल्लो सूर आयकून दाईन तिका तो साधू कितलो श्रेष्ठ तें सांगलें. ताणें सांगिल्लेंवरी वागल्यार तिका खात्रीन सुख मेळटलें, अशे म्हणून धीर दिलो.

# ४. ढोंगी साधू

दाईन सांगिल्लेवरी हुस्नबानू जियेताली. एक दीस जनेलांत रावन ती रस्तावेली येरादारी पळेताली. इतल्यांत एक जाण्टोसो साधू म्हाराज आपल्या शिश्यां सांगातान रस्त्यावेल्यान वता तो तिणें पळयलो.

ताचे शिश्य ताच्या मार्गार भांगराच्यो आनी रुप्याच्यो विटो दवरताले. जमनीक पांय तेंकयनासतना तो साधू तांचेवेल्यान चलतालो. तें पळोवन तिका अजाप जालें. तिणें दाईकडेन ताचें कारण विचारलें तिणें सांगलें – बाय, हो साधूम्हाराज राजाचो गुरू. तो ताका मेळूंक वता. केन्ना केन्नाय राजा लेगीत ताका मेळूंक ताचे खोंपीत वता .

दाईन सांगिल्ली गजाल आयकून बानूक दिसलें आपणेंय ताची भेट घेवची. तिणे दाईक विचारलें– आई! तूं म्हणटा जाल्यार हया साधू म्हाराजांक आमच्या घरांत आपोवन हांव तांचें दर्शन घेवं?

दाईन हय म्हणटकच तिणें आपल्या नोकरांकडल्यान साधूक आपोवणें धाडलें– तुमचे पांय आमच्या घराक लावन आमकां धन्य करचें.
साधून तिचें आपोवणें मानून घेतलें आनी दुसऱ्या दिसा येवपाचें उतर दिलें. हुस्नबानू खोशी जाली. तिणें आपलो सगळो म्हाल नट्यलो. दिवाणखान्यांत भरजरी बैठकी घाल्यो. दारांत गुड्यो – तोरणां लायलीं. तरेकवार जिनस तयार करून घेतले. आपुणूय नटून– थटून रावली. सगल्या नोकरां – चाकरांक नवे कपडे घालून साधूक येवकार दिवंक तयार रावंक सांगले. मोठे श्रध्देन बानू साधूच्या येवकाराक तयार जावन रावली.

फांतोडेर तिणे चाकरांक त्या साधूक हाडूंक धाडले. खरें म्हळ्यार तो साधू ढोंगी आसलो. तो भायल्यान जितलो सांत दिसतालो तितलोच पातकी आनी नीच आसलो. कसलींय वायट कामां करूंक तो मातय अनमन नासलो. ताचे शिश्यय ताचेवरीच आसले. लोकांक त्रास दिवप, फटोवप असलीं वायट कामां करूंक तांकां आवडटालीं. पूण मजा म्हळ्यार कोणाकच तांचें हें दुसरें रूप खबर नासलें. राजाक लेगीत. म्हणूनच तर राजा ताका देवमनीस समजून ताचो भौमान करतालो. बानूचे चाकर साधूक आनी ताच्या शिश्यांक घेवन आयले. हुस्नबानून सजयिल्ल्या आसनार ताका बसयलो. श्रध्देन ताची पूजा केली. मोल करूंनज अशा हिऱ्या माणकांनी भरिल्लीं ताटां तिणें साधू मुखार दवरून हात जोडून ती उबी

गवली. तीं ताटां पळोवन साधून नमळायेन सांगलें, हें धन घेवन हांव किते करूं? म्हाका ताजो कांयच उपेग ना. व्हर हें सगळें. साधूची ही विगर्गी वागणूक पळोवन बानूक ताचेविशीं चड्च आदर दिसलो.

मागीर तिणें साधूक दुसऱ्या सालांत व्हरून भरजरी कपडे दिले. पूण साधून तेय घेतले नात. उपरांत ती तांकां तिसऱ्या सालांत घेवन गेली. हें साल चडच सोबीत दिसतालें. जनेल्यांक मोतयांचे पडदे लायिल्ले. सोबीत हांड्यो झुंबरांनी साल नटयल्लें. भांगराच्या आनी रुप्याच्या ताटांनीं सुरबूस रूचीक पदार्थ घालून दवरिल्ले. बानून नमळायेन हात जोडून तांका म्हळें- म्हराज! धन, दौलत, भरजरी पोशाक कितेंच तुमी घेतले ना. पूण उपकार करून हांतलें कितेंय खालें जाल्यार म्हाका धन्य दिसतलें . तिच्या आग्र्याक लागून खातां अशें भासोवन साधू खावंक बसलो. पूण मनांतल्यान मात तीं सगळीं पक्वानां पळोवन ताचे जिबेक उदक सुटिल्लें. ताचेर केन्ना तात्र मारतलों अशें ताका जाल्लें.

तिची सगळीं संपत्ती पळोवन साधूक अजाप जाल्लें. गजाल्यांतय चड आशिल्ली तिची संपत्ती कशी लुटची हे चिंतेंत तो आशिल्लो. जेवन जातकच हुस्नबानूक तोंड भरून आशिर्वाद दिवन साधू आपले खोपींत गेले.

त्या दिसा सकाळच्यान साधूच्या येवकाराची तयारी करपांत हुस्नबानूचे नोकर चाकर घोळटाले. साधू येतकच तर तांकां सात लेगीत विसव घेवंक मेळूंक नासलो. सगल्यांकच खूब पुरो जाल्लें. ते रेग्वडेंच गाड न्हिदले. साधूक दिवंक दवरिल्लीं हिऱ्या - माणकांनी भरिल्लीं ताटां, हेर किमती वस्तू सगळें सगळें तशेंच दवरून ते न्हिदिल्ले.

तो डाकू साधू बरे मध्यानेर आपल्या चाळीस शिश्यांक घेवन बानूगेर आयलो. सगळो किमती माल तांकां भायरच मेळ्ळो. तांणी तो सडसडीत साकांत भरलो. इतल्यांत थोड्या नोकरांक जाग आयली. ते चोरांकडेन झगडूंक लागले. साधूचे शिश्यय तयारेनूच आयिल्ले. तांणी थोड्या नोकरांक जिवे मारून उडयले. कांय जाणांक जायबंदी केले. आनी सगळी धनसंपती लूटून व्हेली. ह्या बोवाळान हुस्नबानू जागी जाली. तिणें खासा आपणें सकाळीं ऊठबस केली त्या साधूचें हें पातकी रूप पळोवन बानूक भयंकर राग आयलो. ताका ख्यास्त भोगयतलीच असो निश्चेव करून ती जखमी जाल्ल्या नोकरांक घेवन राजवाड्यांत आयली. प्रधानानं तिची खबर आयकून घेतली आनी राजाक सांगलें- म्हाराज! तुमच्या इश्टाची धूव बानू खासा

आपूण्च तुमकां कितें सांगूंक सोदता. राजान तिका भितर आपयली. सगळी घडिल्ली खबर तिणें राजाक सांगून निमणें म्हळें– म्हाराज! जाका तुमी आपलो गुरू मानतात आनी जो आपल्याक कसलीच आस ना अशें दाखयता त्या ढोंगी साधूनच हें सगळें नीच काम केलां. आतां कितें तो न्याय तुमीच करात.

तिची खबर आयकून राजा रागान तांबडो जालो. ताणें तापून हुकूम सोडलो म्हज्या गुरूची टिंगल करपी हे अस्तुरेची गोमटी आतांचे आतां कापून उड्यात.

प्रधानाक तिची काकूट आयली. ताणें हात जोडून राजाक विनयलें– खुदावंत! तुमी आपली खास धूव जाल्लेवरी तिका आजवेर सांबाळिल्लीं. तेन्ना अशी भयांकृत खास्त तिका दिंव नाकात.

राजान म्हळें – बरें आसा. तूं म्हणटा जाल्यार ही ख्यास्त दिवंनाकात. तिका राज्याचे शिमेभायर धांवडावन घालात आनी तिची सगळी संपत्ती जप्त करात.

राजाक खरी खबर सांगूनय राजान उरफाटो न्याय दिलो तें पळोवन हुस्नबानूक खूब वायट दिसलें. जड मनान आपले दाईक सांगाता घेवन आसा त्या कपड्यांचेरच ती रानांत वचूंक गेली.

## ५. तेजस्वी साधूचो साक्षात्कार

राजाची खाम्न आयकून हुस्नबानू दाई वागद्या रानान गेलीं. चलतां चलतां तांकां पुरो जालें. तीं दोगांय एका झाडा मुळांत विसव घेवंक बसलीं. थंय बशिल्लेकडेन बानून दाईक विचारलें, - आई, देवाचो हांव असलो कसलो गुन्यांव केल्लो गे? म्हणून ही खाम्न ताणें म्हाका भोगयल्या? दाईन तिका समजायली, बाय! मनशाचें दैव फिरतकर देवाक दोशी थारावन उपयोग ना.

इतलो वेळ चलून पुरो जाल्ल्यान, आनी तानेन भुकेन कासावीस जाल्ल्यान तांकां थंयच न्हीद लागली. बानूच्या स्वप्नांत एक दिव्य साधू आयलो. ताणें सांगले, - बाय! तूं अशें दुख्खी जावंनाका. हा रुखापोंदा धन-संपत्तीन भरिल्ल्यो सात कुडी आस्सात. त्यो तुका हांव इनाम म्हणून दितां तूं हांगाच एक शार तयार करून सुखान रav.

साधू ना जालो तर्शी बानूक कच्च करून जाग आयली. रोखडेंच तिणें दाईक उठोवन आपलें सपन सांगलें.
दुसऱ्या दिसा दाईन बानूच्या सपनाचें खरेंपण पळोवंक सांगिल्ल्या जाग्यार खणून पळेलें. थंय खरेंच धन आसलें. देवाचे उपकार आठयत बानून तातलें थोडें धन दाईकडेन दिलें आनी बाजारांत वचून थोडयो गरजेच्यो वस्तू हाडूंक सांगलें. त्या भयांकृत रानांत बानूक एकटी दवरून वचूंक दाई तयार नासली.

तेन्ना एक फकीर थंयच्यान वता तो दाईन पळचे. तो बानूचो बापोलभाव आसलो. दाईन वळखून ताका म्हऱ्यांत आपयलो. ताका सगळी गजाल सांगून सामान हाडूंक बाजारांत धाडलो.
ताणें गरजेचें धान्य, कपडे लत्ते सगळें हाडलें. घर बांदूंक जाय तें सामान आनीं कारागिरांकाय आपोवन हाडले. त्या साधूचे सांगणे प्रमाण थंय कशें शार वसोवचें तें हुस्नबानू चिंतूंक लागली.

हुस्नबानू आशिल्लें तें रान राजा कर्दनशहाचे शिमेंतच येतालें. म्हणटकच शार वसोंवक त्या राजाची मान्यताय हाडप गरजेचें आसलें. तिणें राजकुंवराचो भेस केलो आनी दरबारांत गेली. राजकुंवराच्या भेसांतय बानू खूब सोबीत आनी तेजिश्ट दिसताली.

बादशहाक भेट म्हणून दिवंक हाडिल्लो नजराणो तिणें ताचेमुखार

दवरलो आनी बादशहाक प्रणाम केलो. राजकुंवराचें तेजिश्ट रूप पळोवन राजाक अजाप जालें. ताका पळयतकूच राजाक ताचेविशीं माया दिसूंक लागली.

राजकुंवरान बादशाहाक सांगलें- म्हाराज! हांव एका वेपाऱ्यालो चलो. म्हज्या भुरगेपणांत म्हजो बापूय दर्याचेर भोंवडेक गेल्लेकडेन वादळांत सांपडून मेलो. हांव व्हड जातकच हया राज्यांतच एक शार वसोवंन रावचें अशी ताची इत्सा आसली. म्हण तुमचे शिमेवेल्या रानांत एक शार वसोवंक हांव तुमची मान्यताय घेवंक आयलां.

राजकुंवराचें हें नमळायेचें उलोवणें आयकून राजाक ताचेविशीं चडच ओड दिसूंक लागली. राजान म्हळें,- तुका पळ्यतकच म्हाका चलो मेळिल्ल्याची खोस जाल्या. म्हाकाय पूत ना. म्हजें राज्य लेगीत हांव तुकाच दीन. आतां तूं आनी खंयच वचुं नाका. म्हजोच पूत जावन राव. हांव तुजें नांव याहारूशा दवरतां.

बानून मोटे हुशारकयेन सांगलें, म्हाराज जर तुमी म्हाका आपलो पूत मानतात जाल्यार तुमच्या पुताचो हट्ट तुमीच पुर्ण करूंक जाय न्हय? राजा कर्दनशाहाक बानूच्या प्रस्नाची जाप दिवंक आयली ना. ताणें मर्दी-मर्दी म्हाका मेळपाक यो अशें सांगून शार वसोवपाक मान्यताय दिली. बानून रानांत येवन आपल्या कारागिरांक काम करूंक सांगलें. दोन वर्सां खूब कश्ट करून तांणी एक सोबीत शार तयार केलें. बानून ताचें नांव शहाबाद अशें दवरलें.

## ६. पातक्यान मेळटा ख्यास्त

बानू आतां राजकुंवराच्या भेसानच वावुरताली. चड करून राजाक मेळूंक वतना. एक दीस ती अशीच राजाक मेळूंक गेल्ली. थंय तिणें त्या नकली साधूक पळेल्लो. तिच्या मनांत एक विचार आयलो. तिणें नमस्कारेन पांयां पडून त्या साधूक म्हळें– म्हाराज! तुमच्या सारकिल्ल्या विरागी म्हात्म्यान म्हज्या घरांत पांय दवरल्यार हांव म्हजें व्हड भाग्य समजतां.

साधून तिची विनवणी मान्य केली. साधू वतकच बानून राजाक सांगलें, म्हाराज! तुमी उपकार करून ह्या शारांतलें बरझाक वेपाऱ्याचें बंद आशिल्लें घर एका दिसा पुरतें म्हाका दिलें जाल्यार हांव साधूची सेवा बरेतरेन करूंक शकतां.

राजाची मान्यताय मेळटकच थोड्या दिसांनी खूब सामान, धन–दौलत घेवन ती बरझाक वेपाऱ्याच्या घरांत, म्हणचे आपल्या बापायच्या घरांत रावंक आयली. साधूक तिणें मानान आपोवणें धाडलें. सगळो वाडो तिंणे शिरंगारलो. साधूक बसूंक हिरे– माणकां जडयल्लें भांगराचें आसन दवरलें. ताच्या शिश्यांखातीर रुप्याचे पाट दवरले.

साधू येतकच बानून थाटान ताची पुजा केली. मोल करूंनज अशा हिऱ्या माणकांनी भरिल्लीं ताटां तिणें भेट म्हणून ताचे मुखार दवरलीं. साधून सदचेवरी आपल्याक कांयच नाका म्हणून सांगलें. उपरांत तरेकवार मिठाय, पक्वान्नां तिणें ताचे मुखार दवरलीं. तांतले दोन–चार घास खावन ताणें म्हळें, साधूक इतलें अन्न खूब जालें, व्हर हें जेवण–खाण. तरी बानू ताका आग्रो करीत रावली. तेन्ना ताणें म्हळें, साधूक ईश्वराची सेवा हेंच व्हड व्रत. इतलें म्हणून तो ढोंगी साधू उठून गेलो.

बानूक सगळें खबर आशिल्ल्यान तिणें कोतवालाक पयलींच वचून सांगिल्लें, कांय दरोडेखोर आयज आमगेर दरोडो घालूंक येवचे आसात. आयची रात तुमी आमकां संरक्षण दियात.

उपरांत तिणें आपल्या नोकरां–चाकरांक सावध रावपाक सांगून सगळी संपत्ती उगड्यारूच दवरून ती न्हिदपाक गेली. मध्यानरात जातकच साधू आपल्या शिश्यांक घेवन दरोडो घालपाक आयलो. ताचेर पाळत दवरून आशिल्ल्या कोतवालान आनी शिपायांनी तांकां अटक करून व्हेले. दुसऱ्या दिसा कोतवालान सगळ्या दरोडेखोरांक दरबारांत हाजीर केले. ताचें

मर्दीं त्या साधूक पळोवन राजाक ताचो संताप आयलो. ताचे खोंपीत वचून सोदतकच कितलीशीच धन–दौलत लिपोवन दवरिल्ली मेळ्ळी. तातूंत बानूचीय पयलीं व्हेल्ली ती दौलत आशिल्ली.

ती पळयतकच राजाक, आपणें बानूक शिमेभायर धांवडावन घाल्ल्याचें दुख्ख जाले. तिच्या बापायक बानूक बरेतरेन सांबाळटलों म्हूण उतर दिल्लें. तरीय हांवे बानूचेर केदो अन्याय केलो हो! म्हणून राजा तकलेर हात धरून बसलो.

तेन्नाच बानू माथ्याचो मुकूट काडून राजा मुखार उबी जाली. तिणें म्हळे म्हाराज! ओगीच चुख्खी जावंनाकात ही पळयात बानू तुमचे मुखार उबी आसा.

राजाक व्हड अजाप जालें. खोशेन ताणें तिका वेंगेंत घेतली. त्या ढोंगी साधूक राजान खर ख्यास्त फर्मायली. राजा आतां बानूक कसोच वचूंक दिना जालो. बानून राजाकच आपल्या नव्या म्हालांत रावंक आपयलो. तिचें आपोवणें मानून राजा तीन दिस मेरेन आपल्या सांगात्यां सकट शहाबादाक बानूगेर वचून रावलो.

राजाक येवकार दिवंक सगळें शार बानून शिरंगारिल्लें. तिचें वैभव पळोवन राजाक अजाप जालें. तीन दीस मेरेन तिणें मेजवान्यो दिल्यो. नाच– पदां, कव्वाल्यो अशो तरेकवार कार्यावळी दवरिल्ल्यो राजा परत वता तेन्ना त्या दिव्य साधूच्या सात्तात्कारान मेळिल्ली सगळी दौलत तिणें राजाक नजराणो म्हूण घेवचेली विनवणी केली. तिचो आग्रो पळोवन राजान ती घेतली. पूण राजाचे नोकर जेन्ना तें धन काडपाक म्हूण थंय गेले, तेन्ना थंय सगळ्याक सोरोप आनी विंचू दिसूंक लागले.

ही बातमी कळटकूच राजान म्हळें बानू, देवान ही दौलत फक्त तुजेखातीर दिल्या. ती आमकां उपकारा पडपाची न्ही. तूं खोशेन ती भोग. अशें सांगून राजा गेलो.

ती दौलत खर्चून बानून व्हडल्यो धर्मशाळा बांदल्यो. थंय प्रवासी येतकच प्रत्येक वेळार ती हाजीर रावन तांची वेवस्था पळेताली. तिच्या हया उदारपणाची कीर्त आनी बऱ्या सभावाची नामना सगळे धर्तरेर पातळिल्ली.

## ७.राजकुंवर मुनीर आनी हातिमाची भेट

हुस्नबानुची नामना खार्रमीझ शारांत रूपवन्त आनी विद्वान राजकुंवर मुनीरशहाक कळ्ळी. तिका पळोवपाची आस ताका लागली. ताणें एका चित्रकाराक बानूकडेन वचून तिचें हुबेहूब चित्र काडून हाडपाक सांगलें. ते प्रमाण चित्रकार भोंवत भोंवत शहाबाद शारांत आयलो, आनी एके धर्मशाळेंत रावलो.

थंयच्या नोकरांनी ताका बरे तरेन येवकार दिलो. ताचे इत्सेप्रमाण तांणी ताका हुस्नबानू म्हल्यांत व्हेलो. बुरख्या आडसान ताचेकडेन उलयतना तिणें ताचे भेटेचें कारण विचारलें, ताणें सांगलें, हांव एक चित्रकार, तुमचे सेवेक हाजीर जालां. बानून ताका दवरून घेतलो.

कांय दिसा उपरांत बानूक आपलें एक चींत्र काडून घेवचें दिसलें तिणें चित्रकाराक म्हालांत आपयलो. तो एक खांपो चित्रकार आसलो. ताणें बानूक एके उंचायेचेर उबी केली. सकयल उदकाचें आयदन दवरलें. तातूंत तिचें प्रतिबिंब पळोवन, आपलें सगळें कसब पणाक लावन तिचें हुबेहूब चित्र काडलें. उपरांत ताणें आपले कुडींत येवन त्या चित्राची आनीक एक प्रत काडली. एक प्रत बानूक दिवन दुसरी ताणें आपलेकडेन दवरली.

कांय दिसांनी चित्रकारान बानूकडेन घरा वचपाची परवानगी मागली. बानून ताका इनाम म्हणून भरपूर संपत्ती दिवन निरोप दिलो. तो चित्रकार सरळ उठून खारामीझ शारांत आयलो. ताणें बानूचे चित्र राजकुंवरा मुखार दवरलें. थंय घडिल्ली सगळी गजाल ताणें राजकुंवराक सांगली. बानूचें मनभुलोवणें चित्र पळोवन राजकुंवर पिसो कसो जालो. तिका खासा वचून पळोवची अशें ताका दिसलें.

शिकारेक वतां अशें सांगून तो खारमीझ शारांतल्यान भायर सरलो. भोंवत भोंवत तो शहाबाद शारांत पावलो. थंयचे धर्मशाळेंत तो रावलो. धर्मशाळेचे रिती प्रमाण सगळे नोकर चाकर ताचे सेवेक लागले. पूण राजकुंवर मुनिरान तें नाकारलें. ही गजाल बानूक कळटकच तिणें चवकशी केली.

राजकुंवर मुनिरान म्हळें, तुजे सारके गुणी, उदार आनी सोबीत अस्तुरेकडेन लग्न जावचें हया हावेसान हांव तुका मेळूंक आयलां .

बानून दुखेस्त सुरान म्हळें, ना ही गजाल शक्य ना. हांवें विचारिल्या सातय प्रस्नांच्यो जापो जो कोण खऱ्यो खऱ्यो दितलो ताचे लागींच लग्न जावपाची हांवें प्रतिज्ञा केल्या .

जावपाची हांवें प्रतिज्ञा केल्या . मुनिरशहान ते प्रस्न कसले ते तिका विचारलें. बानून सांगलें, एकवेळ पळयलां परत पळोवंचेली इत्सा आसा अशें म्हणपी मनशाची खबर हाडप हो म्हजो पयलो प्रस्न्स हाची जाप हाडटकच हांव तुका दुसरो प्रस्न सांगतलीं. अशे तरेन सातय प्रस्नाच्यो जापो दिल्यार हांव तुजेकडेन लग्न जावंक शकतां .

राजकुंवरान बानुचें चित्र बरोबर घेतलें एका वर्साभितर जाप घेवन येतां अशें सांगून तो गेलो.

ताणें एका फकिराचो भेस केलो. तो मोटे उमेदीन जाप सोदूंक भायर सरिल्लो. ताका भोंवून भोंवून पुरो जाल्लें. तरीकय जाप मेळूं नासली. तो मात्सो निर्शेल्लो. इमाम शाराच्या लागसार पावतकच तो मात्सो विसव घेवंक एका रूखा मुळांत बसलो. बानूविशीं विचार मनांत येतकच ताका रडूंक येवंलागलें.

येमेन देशाचो राजा हातीम त्याच वेळार भोंवता भोंवता शिकारेच्या निमतान थंय आयिल्लो. ताणें एका मनशाचो रडपाचो आवाज आयकलो. आपल्या सेवकाक ताणें चवकशी करूंक धाडले.

सेवकांनी सांगलें, म्हाराज! एक फकीर रूखा मुळांत बसून रडटा. कारण विचारल्यार सांगना.

हातीम खासा आपूण उठून त्या फकिरा म्हऱ्यांत गेलो. ताणें म्हळें, तरनाट्या! तुका पळयल्यार तूं व्हड घराब्यांतलो सो दिसता. हया फकिराच्या भेसांत तूं रानां-वनांत कित्याक हेडटा?

हातिमाक पळोवन मुनिराक दिसलें, हो कोणय तरी व्हड मनीस आसूंक जाय. ताणें नमळायेन म्हळें, हांव अन्न वस्त्राच्या उणावाक लागून दुखी ना. काळजाचे पिडेन म्हजी अशी दशा केल्या. हातिमान ताका धीर दिलो, तुजें दुख म्हाका कळळें जाल्यार हांव म्हजे परीन तें ना करपाचो यत्न करीन .

मुनीरान हुस्नबानूचें चित्र हातिमाक दाखोवन सगळी गजाल सांगली. हातिमान मात्सो विचार करून म्हळें, आरे, तूं मातय चिंता करूंनाका, हांव तिच्या सातय प्रस्नांच्यो जापो सोदून हाडटां आनी तुका बानू मेळोवन दितां .

उपरांत ते दोगय शहाबादेंत वचून बानूक मेळळें. बानून तांकां

येवकार दिलो. तेन्ना हातिमान म्हळें, “अस्तुरे, तुज्या आपलेवयीं [illegible] हो पिसो जाला. पूण तुज्या प्रस्नांच्यो जापो दितल्याकडेन तूं लग्न जातलीं म्हणटकीच हाची इत्सा पुराय जावची ना. हाचे वतीन हावें तुज्या प्रस्नांच्यो जापो दिल्यो जाल्यार तूं हाचेकडेन लग्न जावशीत?”

बानून नमळयेन सांगलें, “देव मनशा! तुमचें उलोवणें आयकल्यार दिसता तुमी येमेन देशाचे राजकुंवर हातीमच आसूंक जाय. तुमचें सांगणें भायर हांव ना.”

तेन्ना हातिमान दोन गवाय हाडून तांचे मुखार बानूकडेन जाल्लें उलोवणें बरोवन घेतलें. आपूण परत येसर मुनिरशहाक थंयच दवरून घेवपाक ताणें तिका सांगलें. बानू खोशेन तयार जाली, आनी पयलो प्रस्न तिणें हातिमाक सांगलो.

सगल्यांचो निरोप घेवन हातीम पयल्या प्रस्नांची जाप सोदूंक भायर सरलो.

# ८. पयलो प्रश्न

देवाचेर भावार्त दवरून हातीम पयल्या प्रश्नाची जाप सोदूंक भायर सरलो. तो एका भयांकर रानांतल्यान वतना ताणें पळयलें, एक लांडगो एका हरणाक धरूंक धांवतालो. तें पळोवन हातिमान आडडून म्हळें, आरे आरे लांडग्या! त्या बाबड्या हरणाक मारून खायनाका. पाडसा तेल्या मायेन तिच्या पान्यांनल्यान दूद गळटा पळे. तें आयकून लांडग्यान म्हळें, हे म्हान दादल्या! तुका हरणाचो इतलो पुळको आयला ताचेवेल्यान तूं हातिमच आसूंक जाय!

लांडग्याचें उलोवणें आयकून अजापान हातिमान म्हळें, आरे व्वा! तुका कशें कळ्ळें? लांड्ग्यान म्हळें, सगळ्या सजीव प्राण्यांचेर दया करपी हातिम शिवाय आनी कोणच ना, अशें आमचे जातींत फामाद आसा ताचे वेल्यान हांवे हो अदमास केलो. म्हाका आता खूब भूक लगल्या म्हाका खावपा दिवपाची तुजी जबाबदारी.

तुका कितें खावपाक जाय तें माग. हातिमान म्हळें

मासा शिवाय हांव आनी कांयच खायना. लांडग्यान सांगलें. हातिमान रोखडीच आपली मांडी चिरून लांडग्याक मासाचो एक कुडको काडून दिलो. खोशी जावन लांडग्यान ताका खंय वता तें विचारलें. हातिमान ताका सगळी खबर सांगली.

लांडग्यान म्हळें, त्या मनशाक हांवे अजून पळोवंक ना. पूण तो बांयो आशिल्ल्या रानांत रावता अशें हांवे आयकलां. हांगच्यान बरें चलून ततकच मुखार दोन रस्ते मेळटात. तांतल्या दाव्या हाताच्या रस्त्यान ततकच तें रान मेळटा. इतलें सांगून लांडगो गेलो.

मांडयेचें मास कापून दिल्ल्यान हातिमाक खूब त्रास जातालो. सणसणपी मांडी घेवन ताच्यान चलूंक लेगीत जायनासलें. घुंवळ येवन तो थंयच झाडामुळांत पडुन रावलो.

सांजवेळा कोल्याचें एक जोडपें आपलें भक्ष्य घेवन थंय आयलें. कोलयेन थंय हातीम न्हिदला तो पळेलो आनी उबगून म्हळें, जालें, आतां हांगाय मनशां येवंक लागलीं. आमी आतां होय जागो बदलचो पडलो. कोल्यान म्हळें, हो मनीस तूं समजता तसलो न्हय. सगळ्या पाणी मात्रांचेर दया करपा पासत खास इश्वरान ताका निर्मिला.

कोलयेन अजापन म्हळें, तुका कशें कळ्ळें?

कोल्यान तिका हातिमाची सगळी खबर सांगली. ... काडून दिवन तो आता वळवळून हांगा न्हिदला.

कितंय उपाय करून ताका बरो कर, कोलयेन काकुळटेन कोल्याक सांगलें.

कोल्यान म्हळें, ताका हे कश्टांतल्यान सोडोवपाक उपाय हांव जाणां. आतां हांव माझनद्राना सांबाच्या रानांत वचून पारो पक्ष्याच्या सुकण्याचो मेंदू घेवन सात दिसां भितर येता. ते वोखद तूं ताका लावचें. इतलें सांगून कोलो गेलो.

हातीम सगळें आयकतालो पूण ताच्या आंगांत हालपाचें लेगीत त्राण नासले. तो तसोच आंगणां पडून रावलो.

कोलो भोंवत भोंवत माझनद्राना रानांत पावलो. थंय एका झाडा मुळांत पारो सुकणें न्हिदिल्लें. ताका मारून ताची तकली दोंतान धरून घेवन कोलो, हातीम आशिल्लो थंय आयलो. पारेचो मेंदू हातिमाक लावचाक, वगभरांत ताची मांडी पयलीं बरी जाली. सावध आसून लेगीत तुजी म्हजेर उपकार केलो. पूण ते पासत पारो पक्षाचो जीव घेतलो हें बरें जालें ना हातिमान म्हळें.

कोल्यान नमळायेन सांगलें, ते पासत हांव देवा लागीं माफी मागतलों.

हातीमान कोल्याक कितें जाय तें मागूंक सांगलें. कोलयेन दुखेस्त सुरान सांगलें, एक वागूट सदां आमचीं पिलां खाता. ताका तांचें ... घाल. आनीक आमकां कायंच नाका.

कोलयेचें उलोवणें आयकून हातीम वागटाच्या विळा म्हऱ्यांत आयलो. ... वागटाक बरेतरेन समजावपाचो यत्न केलो. पूण तें आयकूंक तयार नासलें. निमाणे हातीमान रागान ताचो वोंचकुलो दांत कापलो. वागटान रडून ताका विचारलें, आता हांव म्हजें भक्ष्य कशें मेळोवं? थंयच आशिल्ल्या कोल्यान सांगलें, हांव आसा मेरेन वागटाक सांबाळटलों तूं चिंता करूंनाका.

हातीम थंयच्यान वचूंक भायर सरलो. कोल्यानय ताचे वांगडा येवपाची इत्सा प्रगटायली. हातिमान ताका व्हेलो ना. तेन्ना कोल्यान सांगलें, ह्या वाटेर आशिल्ल्या रानांत वचूंक दोन वाटो आसात. तांतल्या लागींच्या रस्त्यान वचपाक भंय आसा. तूं पयसुल्ल्या रस्त्यान चल.

हातीमान हांसून सांगलें, देवाची कृपा आसल्यार कसलो भंय? हांव लागींच्या

रस्त्यान वतलों. ताचें धिटायेचें उलोवप कोल्याक आवडलें. हया मुखावेल्या रस्त्यान गेल्यार तुका चार रस्ते मेळटले. तातल्या उजव्या हाताच्या रस्त्यान गेल्यारच तूं बांयो आशिल्ल्या रानांत पावतलो. अशें सांगून कोलो कोलयेक घेवन गेलो.

एक म्हयनो सुमार प्रवास करतकच ताका चार रस्ते मेळ्ळे. देवाचें नांव घेवन हातीम उजव्या हाताच्या रस्त्यान चलूंक लागलो. मान्सो मुखार वतकच ताका एकेकडेन खूब वास्वेलां दिश्टी पडलीं. तांच्या राजान भासाभास करगा पासत तांकां थंय आपयल्लीं.

इतल्यांत कांय वास्वेलांनी हातीमाक पळेलो. ताका धरून तांणी राजामुखार उबो केलो. राजान ताचें राजबिडें रूप आनी वैभव पळोवन ताका भौमनान शारांत व्हरूंक सांगले. रानांतली सभा सोंपवन वास्वेलांचो राजा आपल्या म्हालांत आयलो. रोखडोच सेवकांनी हातीमाक ताचे मुखार उबो केलो.

राजान ताका विचारलें, येमेन देशाच्या राजकुंवरा, आपलें राज्य सोडून तूं राना-वनांत कित्याक हेडटा?

हातीमान ताका आपले भोंवडेचें कारण सांगलें. तें आयकून राजान म्हळें , तुजें हांगा येवप म्हळ्यार म्हाका व्हड फायदो. म्हजे वाडिल्ले चलयेक एक सुंदर थळ चलून आयलां. हातीम थोडो वेळ ओग्गी रावलो. मागीर ताणें सांगलें, तुमचो आनी म्हजो संबंध कसो जुळटलो?

राजान म्हळें, म्हजी धूव तुजेच जातींतली. इतलें सांगून राजान सेवकां वांगडा हातीमाक राजकुंवरीक मेळूंक भितर धाडलो. राजकुंवरी एकादे अप्सरेतरी दिसताली. पूण हातीमाक इतले बेगीत लग्न जावपाचें नासलें. ताणें राजाक नमळायेन सांगलें, म्हाराज! तुमी सार्वभौम राजे, हांव एक सादो मनीस. म्हणून तुजे धूवेकडेन हांवें लग्न जावप योग्य न्हय. राजा हातीमाक कसोच सोडूंक तयार नासलो. राजाचो चड्च आग्रो पळोवन हातीम येवजणेंत पडलो. लग्न जाल्यार आपलें काम पूर्ण जावचें ना हें तो जाणा आसलो. तो ओगी राविल्लो पळोवन राजान म्हळें. तुवें म्हजी सांगणी आयकली ना जाल्यर हांव तुका बंदखणींत घालतलों. तरीय हातीम ओग्गो उबो रावलो. तें पळोवन राजान ताका बंदखाणींत उडयलो. दोन सप्तकां अन्न उदका शिवाय ताका बंदखणींत दवरतकच , एक दीस ताका दरबारांत

हाडलो सेवकांनी ताका उदक आनी बरें बरें खावप हाडून दिलें. हातीमान रोखडोंच पोटभर खावन घेतलें उदक पियेलो. [illegible] ताका त्याविशीं विचारलें. हातीम परतून आपणाच गावलो. गजान ताका परत बंदखणींत घालो.

बंदखणींत ताका एक दीस सपन पडलें. एका फकिरान येवन ताका सांगलें, हातीम! बांदवल कन्येकडेन रोखडोंच लग्न जा. आनी गजेडेक वचपाची मान्यताय घे. ना जाल्यार हो बांधवल्याला तुका बंदखणींतच दवरतलो. मागीर तुजें काम कशें जातलें? इतलें उलोवन तो फकीर नाच जालो.

हातीमान सपनाचेर बरो विचार केलो, आनी लग्नाक मान्यताय दिली. गजान व्हडा दबाज्यान ताचें लग्न केलें. ताका रावपाक एक सोबीत वाडो दिलो.

थंय हातीमाक गोड, रसाळ तरेकवार फळां मेळटालीं. पूण रुचीक जेवण मेळनासलें. ताणें सेवकांकडल्यान जेवणाचें सगळें सामान हाडून घेतलें. तो स्वता गंदतालो आनी बायलेसकट जेवतालो. असो कांय म्हयने तो थंय रावलो.

एक दीस हातीमान बायलेक आपल्या कामाची सगळी खबर सांगली. तें जातकच रोखडोंच परत येतलों असें उतर ताणें बायलेक दिलें. बायलेचो हातीमाचेर विश्वास आशिल्लो. तिणें बापायची मान्यताय घेवन ताका निरोप दिलो.

थंयच्यान कांय दीस चलून वतकच तो निर्जन अशा वाळवंटांत पावलो. त्या रेंवटांतल्यान वतना ताका एका आकांताच्या हारान धरलो. तो हार म्हळ्यार रेंवेची एक दोंगुल्लीच समजून हातीम ताच्या म्हयांतल्यान वतनाच हारान ताका गिळिल्लो. आपूण अजगराच्या पोटांत पावला हें कळटकच ताणें देवाक गाराणें घालपाक सुरू केलें.

हातीमाचे बायलेन तो वतना ताच्या फेट्यांत एक जादूचो मोती दवरिल्लो. तो मोती ज्याचेकडेन आसता ताका कसल्याच विखाची, उज्याची बादा जायना. हारान हातीमाक गिळटकीर तो भितर तसोच उरलो. हाराक ताचे त्रास जावंक लागले. ताणें ताका आशिल्लो तसो भायर उडयलो. तीन दिसां उपरांत हातीम बरे भाशेन भायर आयलो.

देवाचे उपकार आठोवन हातीम मुखार चलूंक लागलो. वाळवंट सोंपतकच एक न्हंय लागली. हाराचे लाळेत भरिल्ले कपडे तो थंय धुवूंक लागलो. इतल्यांत अर्दें आंग मनशाचें आनी अर्दें आंग नुस्त्याचें आशिल्ली, एक मत्सकन्या येवन हातीमाक घेवन उदकांत गेली.

उदकांत पावतकच हातीम बेशुद्ध जालो. तो सावचीत जातकच ताणें पळेलें तो एका सोबीत म्हालांत आसलो. वोदोळची ती मत्सकन्या ताचें मन रिझयताली. हातीम साबुद्वीर आयिल्लो पळोवन ती आपले कडेन लग्न जा म्हूण ताचे फाटीक लागली. पयलो अणभव गांठीक आशिल्ल्यान हातीमान हांसून तिका आपले भोंवडेचें कारण सांगलें. काम पूर्ण जातकच आपूण तुजी इत्सा पूर्ण करतां अशें तिका उतर दिलें. निराश मनात ते मत्सकन्येन ताका हाडून न्हंयचे देगेर पावयलो.

थंयच्यान चलत चलत तो एका पर्वताकडेन पावलो. थंय व्हड व्हड रूखाचें दाट रान आसलें. थंयचे थंड शितल सावळेंतल्यान तो खोशेन चलूंक लागलो. थंय गोड आनी थंड उदकाचे झरे आसले. विसव घेवंक वचत थंय बांक आशिल्ले. हातीमाक खूब पुरो जाल्लें. एका बांकार बसतनाच ताका गाढ न्हीद लागली.

थोड्या वेळान त्या जाग्याचो धनी येवन हातीमा म्हऱ्यांत बसलो. कांय वेळान हातीम जागो जालो. ताणें थंय बशिल्ल्या धनयाक नमस्कार केलो. धनयान हातीमाची चवकशी केली. हातीमान आपली सगळी खबर सांगली. ताका बांयो आशिल्ल्या रानांत वचूंक जाय हें आयकतकच धनयान म्हळें, खरेंच तुका पिशें लागलां आसूंक जाय म्हूण तूं थंय वचूंक सोदता. आजवेर जितले लोक थंय गेल्ले, तांतलो एकलोय परत येवंक ना. तरीय तुका थंय वचूंकच जाय जाल्यार हांव सांगता तशें कर.

थंय भयांकत इंद्रजाल आसा. एक फावट तूं तातूंत घुस्पलो जाल्यार तुजी केन्नाच सुटका जावची ना. हें लक्षांत दवर. त्या रानांत खूब रूपेस्त बायलो आसात. तूं थंय वेतकच त्यो तुजे भोंवतणी जमतल्यो. कोंग्या केसाची एक सोबीत अस्तुरी पळोवन तुजें मन चळूंक लागतलें. पूण मनाचेर ताबो दवरल्यार तूं रोखडोच बांयो आशिल्ल्या रानांत पावतलो.

ते उलयता आसतनाच. सेवकांनी जेवणाचीं ताटां हाडून तांचेमुखार दवरलीं. दोगय जेवले. थोडो वेळ खबरो करतकच धनयान ताका आपल्या

वाड्यांत रूमून न्हिटपाचें कुडींत पावयलो. दुसऱ्या दिसा त्या धनगाचो निरोप घेवन हातीम प्रवासाक भायर सरलो. कांय दीस चलतकच ताका एक निवळ उदकान भरिल्लें सोबीत तळें लागलें. तो थंय थांबतकच एक आवाज उदकांतल्यान आयलो आनी ताका हाताक धरून उदकांत घेवन गेलें. पाय जमनीक लागतकच हातीमान दोळे उगडले. आपूण एके सोबीत गांवांत आसां अशें ताका दिसलें.

हातीम हांगाचो, थंयचो गोंदाय नळांत वचूं लागलो. इतल्यान हजारांनी आप्सराग ताचे भोंवतणी जमल्यो. तातल्यो दर एक आप्सर ताका मोवचंवपाचो यत्न करतालीं. पूण हें सगळें इंद्रजाल हें खबर आशिल्ल्यान हातीम ताचें पर्वा करिनासताना मुखार वेतालो.

इतल्यांत एके तरणाटेन ताचो हात धरलो आनी एका रत्नजडीत म्हालांत घेवन गेलो. थंय एक रत्नजडीत आसन आशिल्लें. ताचेर चडूंक हातीमान पांय दवरकच कडकड्यान आवाज जालो पूण थंय मनीस लक्ष दिनासताना हातीम थिरान त्या शिंवासनार बसलो. थोड्या वेळान एक खूबच सोबीत अशी अस्तुरी हातीमा शेजार येवन बसली. तिणे तोंडार बुरखो काडून तिचें रूप तोरखेवचें अशे हातीमाक खूब व्हावटी दिसलें. पूण हातीमान आपल्याचेर ताबो दवरलो.

हातीम त्या शिंवासनार बसत पसून नाच गायन चलूच आसलें. रात जातकच तें म्हाल सूर्य उदेल्ले वरी उजवाडान भरलें. पूण दिवे रान खंयच दिसनासले. ते इंद्रजालाचे दिवे आसले.

थंयच्या अस्तुऱ्यांनी ताका खावंक पियेंक दिलें पूण त्या पदार्थांनी हातीमाचें पोट भरलें ना. थंयचीं अजापां पळयत तो तीन दीस थंयच बसून रावलो.

चवथ्या दिसा नकळत हातीमान थंयचे एके अस्तुरेचो हात धरलो. इतल्यांत शिंवासनांतल्यान एक बायल आयली. तिणें हातीमाचेर एक मूठ मारली. हातीम शुध्द वचून जमनीर पडलो. थोड्या वेळान दोळे उगडून तो हेवटेन तेवटेन पळोवंक लागलो. आपूण एका वसाड रानांत उबो आसां अशें ताका दिसलें. तेंच बांयो आशिल्लें रान जातलें असो ताणें अदमास केलो. इतल्यांत एक खेप पळयली, परत पळोवचेली इल्ला आस असो आवाज ताणें आयकलो. रोखडोच तो त्या आवाजाचे दिशेन चलपाक

लागलो.

तो सात आठ दीस चलत रावलो. निमणे णवव्या दिसा ताका एक जाण्टो मनीस जमनीर जाम जावन पडिल्लो दिश्टी पडलो. हातीमान ताचे म्हऱ्यांत वचून ताची सगळी चवकशी केली. ताणेंय हातीमाची खबर घेतली. हातीमाची खबर आयकून ताणें म्हळें, तूं इतले दीस जाच्या सोदांत वणवण करून हेडटा तो हांवच. तूं हांगा बस, तुका सगळें सांगतां. हातीम त्या जाण्टेल्या मुखार बसलो. इतल्यांत तांचे मुखार जेवणाचीं ताटां आनी उदक तयार जाल्लें. दोगय पोटभर जेवले.

उपरांत त्या जाण्टेल्यान आपली खबर सांगली. हांव एक फावट एका सोबीत तळ्याचे देगेर उबो आसलों. इतल्यांत एके सुंदरेन येवन म्हाका तळ्यांत व्हेलो. थंय एक सोबीत बाग आसली. बागेंतल्लीं अजापां पळयतासतना हजारांनी सुंदरी आयल्यो. तांणी म्हाका एका रत्नजडीत शिंवासनार व्हरून बसयलो. तेन्ना बुरखो घेतिल्ली एक बायल म्हजे मुखार येवन उबी रावली. तिका पळोवन हांव भुल्लुसलों आनी तिच्या तोंडावेलो बुरखो हांवे पेल्यान काडलो. ती खुब म्हळ्यार खुबच सुंदर आसली. ती हांसली. हांवें तिच्या हाताक धरून तिका म्हजे म्हऱ्यांत बसोवचो यत्न केलो. तेन्नाच शिंवासनांतल्यान एक बायल येवन तिणें म्हजेर खोंट मारली. ते बरोबर हांव ह्या रानांत येवन पडलों.

ते सुंदरीचेर म्हजें मन जडलां म्हूण हांव रात दीस ह्या रानांत भोंवन तिका सोदतां. हें सांगतां सांगतां तो रडूंक लागलो आनी म्हणूंक लागलो, जे हांवें एक फावट पळेलां, तें परत पळोवचेली इत्सा आसा.

ताची सगळी खबर आयकून हातीम ताका घेवन त्या तळ्या म्हऱ्यांत गेलो. ताणें ताका सांगलें, आतां एक बायल येवन तुका तळ्यांत घेवन वेतली. थंयच्यो अप्सरांवरी बायलो तुका व्हरून शिंवासनार बसयतल्यो. थंय तुजे म्हऱ्यांत बुरखो घेतिल्ली रूपवती येतली. तवें तिचो बुरखो काडलोना जाल्यार तूं जें पळोवंक सोदतां तें तुका दिसतलें. पूण तिचो हात धरल्यार मात परत पयलीं तरी दुखी जावन हांगा येवन पडटलो.

जाण्टेल्याक इतलें सांगून हातीम पयल्या प्रस्नाची जाप मेळिल्ल्याचे खोशेंत परत त्याच पर्वतार आयलो. थंयच्या धनयाक सगळी घडिल्ली घडणूक सांगून आपल्या मातोड्या गेलो. थंय एक म्हयनोभर रावन तो

हुस्नबानु म्हन्यांत गेल्लों. तिका ताणें इंद्रजालाची सगळी खबर सांगली. खबर आयकून बानून सांगलें, तुजी गजाल खरेंच जावपून करता. आतां तो आवाज येना.

उपरांत हातीमान तिका दुसरो प्रश्न विचारलो. काम पुरें जाले बगर आपूण विसव घेवचोना अशें ताणें निश्चय केल्लो. बानून ताका दुसरो प्रश्न सांगलो. बरें कर आनी उदकांत उडय अशी अक्षरां ज्या मनशाच्या दारार आसात, ताणें कसलें सत्कृत्य (बरें काम) केल्लां तें म्हाका सांग.

ह्या प्रश्नाविशींची हेर माहिती घेवन हातीमान बानू आनी मुनिरजादीचो निरोप घेवन प्रवासाक भायर सरलो.

# ९. दुसरो प्रश्न

हुस्नबानून पयल्या प्रस्नाची जाप मेळटकच दुसरो प्रस्न हातिमाक सांगलो. हातिमान तिका विचारलें, बरें कर आनी उदकांत उडय हीं अक्षरां जाच्या दारार बरयल्यांत तो मनीस रावता खंय? बानून सांगलें, उत्तर दिकेक आशिल्ल्या मार्दम नांवाच्या शारांत तो मनीस रावता.

बानूची जाप आयकून हातीम उत्तर दिकेचे भोंवडेक भायर सरलो. वतां वतां तो एका अटंग्य रानांत पावलो. थंय एक मनीस बसून रडटा तें पळोवन ताका ताची काकूट आयली. हातिम ताचे म्हऱ्यांत वचून ताची वासपूस करूं लागलो. त्या मनशान म्हळें, म्हाराज! म्हजें दुख कोणूच ना करूंक शकनात. बेठेंच तुमकां सांगून आनी कितें उपेग?

हातिमान नमळायेन ताका परत विचारलें. तेन्ना ताणें म्हळें, हांव एक वेपारी. हांगाच्यान दोन कोसांचेर आशिल्ल्या शारांत हांव गेल्लों. थंय हारिथ नांवाच्या एका वेपाऱ्याची सोबीत चली हांवें पळयली. तिचेर म्हजें मन जडलां. हांवें तिका मागणी घालतकच तिच्या बापायन सांगलें, म्हजी धूव, तिणे विचारिल्ल्या तीन प्रस्नांच्यो जापो जो सांगता, ताचेच कडेन लग्न जातली., तसो तिणें निश्चेव केला. तेन्ना तूंच वचून तिचेकडेन उलय.

वेपाऱ्यान अशें सांगताकच हांव ते सुंदरीक मेळळों आनी म्हजो हेत सांगलो. तेन्ना तिणें म्हळें, म्हज्या प्रस्नाच्यो जापो सांगल्यो जाल्यार हांव तुजेकडेन लग्न जातलींच. पूण, तूं जापो दिवंक शकलो ना जाल्यार तुजी सगळी संपत्ती म्हजी जातली. हांवें तिची अट मानली. तिणें म्हाका तिचे तिनय प्रस्न सांगलें. पयलो प्रस्न असो, हया शारा लागसार एक घोल आसा. थंय कितें कात आसा ताचो सोद घेवप. दुसरो प्रस्न असो, आज म्हाका उपकारा पडटा अशें हांवें कांयच करूं ना हें म्हणपी मनशाचो सोद लावप आनी तिसरो प्रस्न म्हळ्यार, महापरी गंधर्व कन्येकडेन आशिल्लो शहामोरा नांवाचो हिरो हाडून वेपाऱ्याचे धुवेक दिवप.

तिचे हे तिनय प्रस्न आयकून हांव निरास जालों. म्हाका कांयच सुचना जालें. हांच्यो जापो म्हज्यान दिवंक जावच्यो ना म्हणून हांवें म्हजी सगळी धन संपत तिका दिवन, हांव हया रानांत येवन रडत बसलां.

हातिमाक ताची काकूट दिसली. ताणें म्हळें, म्हाका ते वेपाऱ्याले धुवे म्हऱ्यांत व्हर हांव तुजी इत्सा पूर्ण करतां.

उपरांत तो दोंगर आणि शागत गेलो. त्या मनशान हातिमाक हातीयाचें [illegible] म्हऱ्यांत केल्लो. सगळो खबर विचारून जाल्या [illegible] विरड प्रस्न सांगलें. हातिमान म्हळें, तुज्या प्रस्नाच्यो जाप [illegible] तूं सांगना त्या मनशावांगडा लग्न आवंक तयार आसा. [illegible] बरोबर दी बापायक विचारून तिणें नसो करार केल्लो. [illegible] समज तुवें म्हज्या प्रस्नाची जाप हाडल्यो नात, [illegible] ख्यास्त करूं? हातिमान मट करून सांगलें, [illegible] अपेस आयलें, जाल्यार तूं म्हजे कुडीचे तुकडे [illegible]

उपरांत हातिम आपल्या दुबळ्या इश्टाक मेळ्ळो [illegible] गझाल सांगून धीर दिलो. वेपाऱ्याचें चल्यन तो घोल [illegible] मनीस हातिमा वांगडा धाडलो. ताणी घोल दाखयलो [illegible]

हातिम घोलींत भितर गेलो. खूब दीस चल्ले [illegible] मात्सो उजवाड दिसलो. पुण थंय कोणूच नासलें.

तो फुडें फुडें वचत रावलो. मुखार ताका एक [illegible] हातिमान बदाम खाले उदक पिलो. मात्सो फुडें वतकच ताका [illegible] धरलो आनी खावपाची तयारी केली. तेन्ना तांचेमदल्या एकल्यान सांगलें,

आमी हाका खाल्यार राजा आमकां खर ख्यास्त दितलो.

ख्यास्तीचें नांव आयकून सगळें राकेस पळून गेले. थोड्या वेळान दुसऱ्या राकेसांची टोळी थंय आयली. तेय हातिमाक जिवंतपणी मारपाक सोदताले. इतल्यांत तांच्या मुखेल्यान सांगलें, आमची राजकुंवर बरी न तिका मनशांनी उपाय केल्यार ती बरी जातली अशें हांवें आयकलां. हाका आमी मारूं नये.

थंयच्यान मुखार वतकच ताका दुसरें एक शार मेळ्ळें. थंयच्या राकेसांनी ताका धरून आपल्या सरदारा म्हऱ्यांत केलो. तांचो सरदार दुखेस्त तोंड करून बशिल्लो. ताणें उबगून म्हळें, हाका आनी गरजे भायर कित्याक धरून हाडला? आत्तांच्या आत्तां हाका सोडून दियात. ताच्या दुखेस्त तोंडाक पळोवन हातिमान ताका कितेंय पुणून दुख्ख आसूंक जाय हें ताडलें. ताणें ताका कारण विचारलें. सरदारान सांगलें, म्हजे बायलेक दिश्टी पडना. कितले उपाय केले पूण कित्याचोच गुण आयलोना. हातिमान ताका सांगलें, हांव खात्रीन तुजे बायलेक बरी करतां.

हातिमाचें उलोवणें आयकून सरदाराक खोस जाली. ताणें ताका बायलेच्या म्हालांत व्हेल्लो. तिका पळोवन हातिमान सांगलें, हांवें तुजें काम केल्यार तें म्हाका राजा म्हऱ्यांत व्हरशी? सरदारान रोखडेंच मान्य केलें. हातिमान बारवेल कन्येन दिल्लो मोती झरोवन तें उदक तिच्या दोळ्यांक लायतकच तिका दिसूंक लागलें.

हातिमाच्या उपायान आपली बायल बरी जाली हे खोशेन सरदारान ताका आगो करून दवरून घेतलो. उपरांत ताणें ताका राजागेर व्हेलो. सरदारान राजाक सांगलें, म्हाराज हो एक दयाळू मनीस. वैजकशास्त्रांत तरबेज आसा. म्हजे बायलेक हाणें एका दिसांत बरी केली. अशे तरेचो वैज हांवें अजून मेरेन पळोवं ना. तें आयकून राजान म्हळें, म्हाकाय पोटखाण्याची पिडा आसा. कितले उपाय केले. पूण गूण येना. म्हाकाय कितेंय उपाय सांग.

हातिमान राजाक बारकायेन तपासलो. म्हाराज, तुमी जेवतात थंय आपयात म्हाका. मागीर हांव उपाय सांगन. राजान आपूण जेवतना हातिमाक आपयलो.

हातिमान राजाच्या ताटांतलो एक नग काडून धांपून दवरलो. उपरांत सुमार वरा भरान तो राजामुखार व्हेलो. तानूंत खूब किडे आसले. ते पळोवन हातिमान सांगले, तुमच्या जेवणाक नोकरांचे दोळे लागतात. म्हणून तुमकां पोटखाण्याची पिडा लागल्या. तुमी जेवतना कोणाकच म्हऱ्यांत घेवंनाकात. राजान ताणें सांगिल्लेवरी करतकच तो पुराय तरेन बरो जालो.

राजान खोशी जावन हातिमाची कितेंय इत्सा आसल्यार विचारलें. हातिमान सांगलें, म्हाराज, तुमच्या सगळ्या बंदयांक मेकळे करात आनी हाचे मुखार कोणाकच केन्ना बंदखणींत घालुं नाकात. राजान ताची मागणी रोखडीच मानली. उपरात राजान ताका आपले बरे गांधिल्ले चलयेची खबर सांगली. हातिमान तिकाय तपासून वखद दिलें. तिका इल्लीशी साखर आनी उदक पियेवंक दिलें. तेन्ना तिका मात्शी तरतरसाण आयली. तीन दिसा भितर ती सारकी बरी निवळ्ळी. राजान खोशेन ताका मोलादीक हिरे-माणकां दिलीं. हातिमान तें सगळें धन धर्मशाळेत राविल्ल्या त्या तरनाट्याक दिलें. गुहेंतली सगळी खबर ताणें वेपाऱ्याचे कन्येक सांगली. तिच्या पयल्या प्रस्नाची जाप मेळिल्ली.

हातिम दुसऱ्या प्रस्नाची जाप सोदूंक भायर सरलो. [illegible]
पुरो जाल्लो हातिम एका झाडा मुळांत विसव घेवंक बसलो. थोड्या वेळा
थंयच्यान लागींच आशिल्ल्या एका गांवांत तो गेलो. बिरेस्तार नांव [illegible]
गवलो. बिरेस्ताग दिसा नीं उतर आयकतकच हातिम ताचो सोद घेवंक
भायर सरलो.

बरेच दीस चलून वतकच तो एका खेड्यांत पावलो. थंय ताणे
गांवकार एकटांय बसून रडटात तें पळेलें. हातिमान तांका किंतें जालां तें
विचारलें. एकल्यान सांगलें, दर बुधवार दीस ह्या गांवांत एक ब्रह्मराक्षस
येता, आनी आमच्यांतल्या एकट्याचो बळी घेता. आज पाटलाच्या एकल्या
एकसुऱ्या गुणेस्त चल्याचो बळी दिवपाचो दीस. ताका वाटावपाचो आमचे
कडेन कांयच उपाय ना म्हणून आमी हांगा रडत बसल्यात.

हातिमाक तांची काकूट दिसली. ताणें सांगलें, तुमी अशें दुख
करीत बसनाकात. ह्या बुधवार दीस त्या राकेसाक मारून हांव तुमचेवयलें
अरिश्ट ना करतां.

तो राकेस आसा तरी केदो? अशें विचारतकच पाटलान ताचें
चित्र काडून दाखयलें. राकेस खूबूच मोटो आसलो. शस्त्रान तो मरचो
नासलो. हातिमान एका हारशेकाराकडल्यान खूब व्हड असो एक हारसो
तयार करून घेतलो. गांवच्या लोकांच्या आदारान ताणें तो हारसो राकेस
येवच्या जाग्यार उबो करून दवरलो. व्हडलो चादर वयल्यान घालून तो
धांपून दवरलो. मागीर हातिमान तांकां सांगलें, राकेसाक हांव कसो मारता
तें जांकां पळोंव जाय ते आज रातचे म्हज्या वांगडा येयात. पाटलाचो
चलो रोखडोच तयार जालो. पाटलान ताका आडायलो. ताणें बापायक
सांगलें, बाबा, एक अनवळखी मनीस म्हजे पासत वळख- देख नासतना
आपलो जीव त्रासांत घालता. आनी हांव ताका सांगात दिवंक लेगीत ताजे
वांगडा वचूं नाका?

पाटलाक ताचें म्हणाणें पटलें गांवकऱ्यांक घेवन तोय तांचेवांगडा
गेलो. सगळे लोक सांजवेळचेच लिपून रावले. वेळ जातकच राकेस
व्हडान आड्डत येवंक लागलो. सगळे भियेवन पळपाचे तयारेंत आसले
पूण हातिमान तांकां आडावन दवरलें. राकेस बरेंच व्हड आसलो. ताचें पोट
नगारो कशें आशिल्लें. तोंड मात इल्लेंशें. हातिमाक ताका पळोवन हांसपाक

येवंक लागलें. राकेसाच्या तोंडांतल्यान उजो भायर सरतालो. तो लागीं पावलो तसो हातिमान हळूच हारशावेलो चादर काडलो. राकेसाची नदर त्या हारशार पडटकूच तो भियेलो. आनी एक भयांकन राकेस आपल्याक मारूंक आयला तें पळोवन ताचेर आकांत आयलो. भंयान ताची जीब नाळ्याक चिकटली. ताका उस्वास लेगीत काडूंक येना जालो आनी तो थंयच मरून पडलो.

एका सादया युक्तेन येदया व्हडल्या राकेसाक मरिल्लो पळोवन सगळ्यांक खूब्ब घोस जाली. गांवकऱ्यांनी ताका इनाम म्हूण धन दिलें आनी प्रवासाचें कारण विचारलें. हातिमान तांकां सगळी खबर सांगली. तेय लोक दर बिरेस्ताराक तो आवाज आयकतालें. पूण तांका ताजें कारण खबर नासलें. तो दीस नेमको बिरेस्तार आसलो.
हातीम रातचो पाटलागेर रावलो. थंय ताणे तो आवाज आयकनाफुडें, पाटलाचो निरोप घेवन तो आवाजाच्या दिकेन वचूं लागलो.

सेगीत दोन म्हयने चलतकच ताका एक दोंगुल्ली लागली. वयर चडटकच थंय कांय मनाशां ताका दिश्टी पडलीं. पूण हातीम लागीं पावतकच तीं संगमरवरी मूर्ती जालीं. तो दीस बिरेस्तार आशिल्ल्यान हातीम रातचा थंयच रावलो. रात जातकच त्या मर्तीचे परत मनीस जाले. भरजरी भेस करूंन ते सिंवासनार बसून अमत पितालें. तांच्यातलो एक मनीस मात आंगाक गोबोर माखून जमनीर पडिल्लो. ताका कोणेच अमताचो एक थेंब लेगीत दिलो ना.आनी ताजी चवकशीय केली ना.

इतल्यांत तो व्हडा व्हडान म्हणूं लागलो, जें म्हाका आज उपकारा पडटा अशें हांवे कांयच केलें ना.

दुसऱ्या प्रस्नची जाप मेळळी म्हणून हातिमाक खोस जाली. इतल्यांत थंय जेवणाचीं तार्टा आयलीं. सगळे जेवंक बसले. एक पान उल्लें. ताजेर तांणी हातिमाक बसयलो. सगळे रूचीन जेवताले. त्या दुखी मनशाचेर ताचें लक्ष लागून उरिल्लें.

तो मनीस आपल्या तार्टातलें कुसकें अन्न खातालो. जेवन जातकच रावनज जावन हातिमान तांकां ताजें कारण विचारलें. तांणी म्हळें, तोच सांगतलो, विचार ताका. ताच्या म्हऱ्यांत वचून हातिमान ताका विचारलें ताणें उदास जावन म्हळें, इश्टा किनें सांगू? हांव पयलीं जितो आसतना

हांचो धनी आसल्लों. खूब चामटो आसल्लों हांव. एक पैसो लेगीत केन्ना दान- धर्मा पासत वगडायल्लो ना. पूण म्हजे हे नोकर चाकर मात दान-धर्म करताले. म्हाका ही खबर कळटकच हांवें तांकां खूब तापयले. पूण तांणीं दान करप सोडलें ना. वेल्यान दान केल्यार सदगती मेळटा अशें म्हाका सांगताले. पूण हांव तांचो हेन पूर्ण केल्लो ना. एक फावट हांव ताका घेवन खारमिझ शारांत वताल्लों, वाटेर चोरांनीं आमकां मारून थंयच पुरले. म्हज्या आमी सगळे मेल्ले मनीस. हांवें दान-धर्म केल्लो जाल्यार हांवय हांचेवरी सुखी आसपाचो.

ताजी गजाल आयकून हातिमाक वायट दिसलें. तागें म्हळें, तुमका हया यातनेंतल्यान सोडोवपाचो कितेंय उपाय आसल्यार सांगात. हांव म्हजेपरीं यत्न करतां.

त्या मनशान म्हळें, हांव चीन देशांत रावतालों. थंयच्या म्हज्या घरांत हांवें खूंब धन पुरून दवरलां. ताची कोणाकच कांयच खबर ना. म्हजे नातू भीक मागून पोट भरतात. तें पुरून दवरिल्लें धन काडून ताचो एक वांटो म्हज्या नातवांक दिवन उरिल्लें धन जर दान केलें जाल्यार म्हजी हातुंतल्यान सुटका जातली.

हातिमान ताचे सांगणेप्रमाण करपाचें ताका उतर दिलें, आनी तो चीन देशांत वचूंक भायर सरलो. वतां वतां एक दीस ताका तान लागली. थंय लागीं आशिल्ले एके बांयचेर तो गेलो. हातीम थंय पावचे पयलींच बांयतल्यान एक सोरोप येवन उदक काडपी मनशाक ओडून घेवन बांयत गेलो. ताका भायर काडपापासत फाटलो-फुडलो विचार करनासतना हातिमान बांयत उडी घेतली.

बांयच्या तळाक पावतकच ताका दिसलें, तो एका सोबीत पोरसांत उबो आसा. लागींच एक रत्नजडीत बंगलो आसलो. तो त्या बंगल्यांत गेलो. थंय मनीस रूपांतलो एक ब्रह्मराकेस न्हिदिल्लो ताणें पळयलो. ताका जागोवपाक म्हणून हातीम मुखार सरलो. इतल्यांत अचकीत तो सोरोप ताजेर झुडून आयलो. हातीमान मोठे हुशारेन ताचें तोंड धरलें.

इतल्या बोवाळांत ब्रह्म राकेस जागो जालो. ताणें गरड घालून म्हळें, म्हज्या नोकराक पयलीं सोडून दी. हातिमान गेरवडेंच सांगलें, हाणें एका मनशाक ओडून हांगा हाडला. ताका सोडल्यारच हांव हाका सोडीन.

हातिमाचें धिटायेचें उलोवणें आयकून राकेसान त्या सोरपाक म्हळें, आरे! तूका जाणें धरला तो खूब बळिश्ट मर्नीस. तूं ताका तुज्या तोंडातल्यान भितेर वचूंक दिवंनाका.

राकेसाचें उलोवणे आयकून हातीम सोरपाच्या तोंडांत वचपाचो यत्न करू लागलो. सोरपान वेळ काडनासताना ताका गिळून उडयलो. ताच्या पोटांत हातिमाक एक काळोसो भाग दिसलो. ताणे तो तलवारीन कापल्या बरोबर एकदम गडगडाट जालो आनी सगळे कडेन उदकच उदक जालें.

थोड्या वेळान हातीम दोळे उगडून हेवट्यान- तेवट्यान पळोवंक लागलो. तेन्ना ताका दिसलें, तो एका मळार उबो आसा आनी हजारांनी मनशां बाबडीं तोंडां करून ताजे भोंवतणी उबीं आसात. हातिमान तांची चवकशी करतकच, सोरपान ओडून हाडिल्लीं तीं सगळीं जाणा म्हणपाचें ताका कळळें. ताणे तांकां सांगलें, त्या सोरपाक हांवें मारून उडयलो. तुमी आतां तुमच्या घरा चलात. हातिमाचें उपकार आठोवन ते सगळे मनीस आपापल्या घरा गेले.

हातीम थयच्यान फुडले वाटेक लागलो. थोडे दीस चल्ले उपरांत ताका वाटेर एक शार मेळ्ळें. थंयच्या शिपायकांनी ताका बंदी करून तांच्या राजा मुखार उबो केलो.

राजान ताका सांगलें, हया वाठारांत येवपी प्रवाशाक म्हजी धूव तीन प्रस्न विचारता. तांच्यो जापो सारक्यो दिल्यो ना जाल्यार ती ताका जितो मारता. पूण तुमी हांगा खंयच्यान आयल्यात? हातिमान सांगलें, हांव येमेन देशांतल्यान हांगा आयलां. पूण तुमी वाटसरूंचो असो छळ कित्याक म्हूणून करतात? राजान दुखेस्त सुरान सांगलें, म्हजे धुवेमुखार आमचें कांयच चलना. ती कोणाचेंच आयकना. एका वेळार अदालतबाद म्हूणून हया शाराक वळखताले. आतां तुज्यान तरी तिचें मन वळोवंक जाता जाल्यार पळे .

हातिमाक पळोवन खोशेन राजकुंवरीन इश्टिणींक म्हळें, हो रूपेस्त युवक ब या कुळांतलोसो दिसता. पूण हाणें लेगीत म्हज्या प्रस्नांच्यो जापो दिल्यो नात जाल्यार ताचोय जीव घेवचोच पडटलो .

हातिमान राजकुंवरीचे करणेविशीं तिच्या इश्टिणींक विचारलें. इश्टिणींनी सांगलें, सदांच रातची राजकुंवरीक भुतबादा जाता. मागीर ती

किन्याय कितें बडबडून वाटसरूंक कसलेय प्रस्न विचारता. तांच्यो जापो आजूनय कोणेंच दिवूंनात. तुमी तिका पिशाचच बादेंतल्यान मेकळी केली जाल्यार आमी तुमचे उपकार केन्नाच विसरचींनात.

इतल्यांत जेवपाची तयारी जाली. पूण हातीम जेवंक गेलो ना. हातांत घेतिल्लें काम पूर्ण केल्ले शिवाय तो जेंवनासलो. पयलीं मिश्टान्न खावंक बसल्यार काम सादना असो तांचो भावार्थ आसलो. त्या दिसा रात जातकच हातिमाक राजकुमारी मुखार बसोवन तिचीं चाकरां भायर गेलीं.

थोड्या वेळान राजकुंवरीन हातिमाक पळोवन सांगलें, आता म्हज्या प्रस्नांच्यो सारक्यो जापो तुवें दिल्यो नात जाल्यार तुका फुकट मरचें पडटलें. खबर आसा मूं? हातिमान हय म्हणटकच तिणें रोखडेंच विचारलें, दर्यांत जीव–प्राण्याची उत्पत्ती कशी जाता?

हातिमान सांगलें, जमनीर प्राण्यांक जशी हवा मेळटा आनी तांची उत्पत्ती जाता. तशी उदकांत लेगीत हवा आसता. ताका लागून दर्यांत प्राण्यांची उत्पत्ती जाता, उदकांत जीवनांक उपयोगी अशे सगळे गुणधर्म आसतात..

पयल्या प्रस्नाची जाप मेळटकच तिणें दुसरो प्रस्न विचारलो, सगल्या फळांतं श्रेश्ठ फळ खंयचें? पुत्रफळ हातिमान सट करून सांगलें. रोखडोच तिणें तिसरो प्रस्न विचारलो. सगल्या प्राण्यांक नाका आसतना मेळटा तें कितें? मरण. तें कोणाकच नाका आसता पूण कशेंच चुकना. हातिमाची जाप सोंपतकच राजकुंवरी बेशुध्द जावन पडली. तिच्या हातांतल्यान एक तांबड्या रंगाचो सोरोप हातिमाचेर फोंऽस, फोंऽस करून भायर सरलो. वांस्वेलकन्येन दिल्लो मोती ताचेमुखार धरतकच तो शांत जालो. हातिमान ताका एके बाटलेंत घालून वाड्या भायर व्हरून पुरलो.

कांय वेळान राजकुंवरी सावचीत जाली. हातिमाक आपले म्हऱ्यांत पळोवन तिणें आपल्या दासींक आपयलीं. हातिमाविशीं तांचेकडेन चवकशी करतकच तांणी सगळी हकीकत तिका सांगली. दुसऱ्या दिसा हातिमाक जितो पळोवन राजाक खोस जाली. हातिमान राजाक रातची घडिल्ली सगळी घडणूक सांगली. खोशेन राजान ताका आपले चलयेकडेन लग्न जावपाचो आग्रो केलो. हातिमान राजाक आपूण कसल्या कामापासत भोंवडी करता तें सांगलें, आनी म्हळें, लग्न जातकच तुमी म्हाका म्हज्या कामाक वचूंक दितलें जाल्यार हांव लग्न जायन.

राजान हातिमाची सांगणी मानून घेतली. उपरांत ताचें थाटामाटान आपलें धुवेकडेन लग्न केलें. हातीम तीन म्हयने मेरेन राजवाडयांत खोशेन रावलो. मागीर सगल्याचो निरोप घेवन तो राजा म्हऱ्यांत आयलो, ताणें राजाक सांगलें, तुमची धूव आवय जावपाची आसा. तिका चलो जालो आनी ताका आपल्या बापायक मेळन शें दिसलें, जाल्यार ताका म्हज्या राज्यांत धाडून दियात. आतां वांचून उरलों जाल्यारच आमची भेट जातली.

थंयच्यान हातीम चीन देशांत वचूंक भायर सरलो. चीनांत पावतकच तो युसुफाच्या नातरांक मेळ्ळो. तांका सगळी गजाल सांगली. तांचो ते गजालीचेर मातय विश्वास बसलो ना. तांणी हातिमाक राजा म्हऱ्यांत व्हेलो. राजान ताची सगळी खबर आयकून म्हळें, एक तर हो फट उलयता ना जाल्यार हो पिसो तरी आसूंक जाय. शंभर वर्सां पयलीं मेल्लो मनीस हाका मेळटलो तरी कसो?

हातिमान हात जोडून म्हळें, म्हाराज प्राणी मरप म्हणजे ताचो देह ना जाता. आत्मो अमरच उरता. युसूफ म्हाका मेळूंना जाल्यार ताचें घर चीनांत आसा. तातूंत संपत्ती पुरून दवरल्या. ती कोणाक कशी वांटची, हयो खबर म्हाका कशो कळ्ळयो?

हातिमाचे सांगणेचें खरेपण करूंक खासा राजा युसुफागेर आयलो. आपले मुखारच ताणें खणूंक लायलें. थंय खऱ्यांनीच संपत्ती आशिल्ली. ती पळोवन राजा अजापभरीत जालो. राजान युसुफाचे इत्शे प्रमाण ताचे संपत्तीचो एक वांटो ताच्या नातवांक दिलो. उरिल्ली संपत्ती दान-धर्मांत खर्च करची म्हणून हातिमाक सांगलें. हातिमान ती थंयच्या गरीब- दुबळ्यांक वांटून दिली. उपरांत तो राजाचो निरोप घेवन अदालतबाद शारांत आयलो.

हातीम घरा पावातकच थोड्याच दिसांनी ताची बायल बाळांत जावन तांकां चलो जालो. ताचें नाव सामील दवरलें. कांय दीस थंय रावन हातीम श्वेतांचे दोंगुल्लेचेर आयलो. बिरेस्तारा दिसा सदचेवरी सगळे पुतळे जिते जाले. तांचेमदीं युसूफय आनंदान वावुरता तो हातीमान पळयेला तेन्ना युसूफ ताचे म्हऱ्यांत आयलो आनी ताचे उपकार मानले. हातीम थंयच्यान फुडल्या प्रवासाक लागलो. वतां वतां ताका भुकेन कासावीस जाल्लो एक सुणो दिसलो. काकुटेन हातिमान ताका उबारलो. ताका घेवन हातीम लागसारच्याच एका खेड्यांत गेलो. थंयच्या लोकांकडेन अन्न-उदक मागून

हातिमान ताका खावयलें. पोट भरतकच सुणो तात्सो [illegible] जालो आनी
हातिमाचे पांय चाटूंक लागलो. हातिमान मायेन ताचे [illegible] हात
फिरयलो. तेन्ना ताच्या हाताक कितें तरी लागलें. ताणें सुण्याचे तकलेक
परतून सारकें सांमर्पिलें. पळे जाल्यार एक खिळो मारिल्लो. हातिमाक खूब
वायट दिसलें. ताणें तो खिळो ओडून काडलो. ते बरोबर एक अजाप जालें.
त्या सुण्या जाग्यार एक सुरेख तरनाटो उबो आसलो.

अजापभर्गीत जावन हातिमान ताका विचारलें, "तुका सुणो कोणें
केलो? हो खिळो काडटकच तूं परत मनीस कसो जालो?" त्या तरनाट्यान
म्हळें, "सांगतां, पूण पयलीं म्हाका हे भयांकत परिस्थितींतल्यान तूं भायर
काडलो म्हणून तुजे उपकार मानतां. हांव एका वेपाऱ्याचो पूत. ताणी वेपारांत
खूब धन-दौलत मेळयली. ते संपत्तीचो हांव एकटो-एकसुरो वारस. म्हज्या
बापायन म्हजें एके सोबीत अस्तुरेकडेन लग्न केलें. बापायच्या मरणा
उपरांत हांवें तें सगळें धन फोल्गां मारून सोंपयलें. मागीर [illegible] वेपार धंदो
करतलों म्हण हांव चीनांत गेलों. हेवटेन म्हजी बायल एका हवशी चाकराच्या
मोगांत पडली. हांव परत येतकच तिणें एका मांत्रिकाकडल्यान हो मंत्रिल्लो
खिळो हाडलो. हांव न्हिदिल्लो आसतना तिणें तो म्हजे तकलेक मारलो.
तेन्नाच्यान हांव असो सुणो जावन भोंवतां.

ताची खबर आयकून हातिमान ताचें घर खंय तें विचारून घेतलें. तो
सुरी नांवच्या शारांत रावतालो. हारिथ वेपाऱ्याचे धुवेच्या [illegible] जापो
दिवंक हातिमाक त्याच शारांत वचूंक जाय आसलें. हातिमान ताका वांगडा
घेतलो.

हातिमान त्या तरनाट्याक सांगलें, हो खिळो सांबाळून दवर आनी
तुजे बायलेचे तकलेक मार. म्हणटकच तीय सुणें जातली.

तो तरनाटो मध्यानेर आपल्या घरा पावलो. जागे जाल्ल्या नोकरांक
ताणें कुरवेन ओगगी रावंक सांगलें आनी हळूच आपले कुडींत गेलो. थंय
ताची बायल त्या हवशी नोकरावांगडा न्हिदिल्ली. ताका संताप आयलो. ताणें
थंयच ताची तकली कापून उडयली. वेळ काडिनासतना रोखडोंच बायलेचे
तकलेक खिळो मारलो. तेबरोबर ती सुणें जाली.

त्या युवका वांगडा येवन हातीम ताच्या वाड्यांत एक दीस रावलो.
दुसऱ्या दिसा तो धर्मशाळेंतल्या इश्टाकडेन गेलो. ताका घेवन तो हारिथाचे

धुवांमहल्यांत गेलो. तिका सगळी घडणूक सांगतकच तिणें म्हळें, तुजो मागणो खरी आस्‌ंक जाय. आतां तो आवाज बंद जालो. आता तिसरो प्रस्न आयकात. महापरी गंधर्वाचे धुवेल्यागीं आशिल्लो मोलादीक हिरो म्हाका हाडून दियात.
तिचो प्रस्न सारको बरो आयकून घेवन हातीम थंयच्यान भायर सरलो. महापरी गंधर्वकान्या खंय मेळत हाचेविशीं चिंततनां चिंततनां ताका एकदम राकेसांचो राजा फागेक्याश हाची याद आयली. रोखडोच तो फागेक्याशाक वचून मेळ्ळो. ताणें ताका बरेतरेन येवकार दिलो आनी येवपाचें कारण विचारलें. हातिमान ताका सगळी गजाल सांगली. राकेसराजा फागेक्याशान म्हळें, आरे हातीम, मानवीशक्ती भायलीं कामां तूं कशीं करूंक सोदता? महापरीच्या राज्यांत आमी लेगीत वचूंक शकनात. थंय तूं कसो वतालो? हातिमान म्हळें, खासा इश्वरच म्हजो राखणदार आसतना म्हाका कितें अशक्य आसा? तुमी मार्ग मात सांगात.
राकेसांच्या राजान आपलो एक चाकर हातिमावांगडा धाडलो. परी राज्याचे शिमेमेरेन ताणें हातिमाक पावयलो. हातीम परत ये सर थंयच रावपाचो ताच्या राजान ताका आज्ञा केल्ली.
हातीम थंयच्यान एकटोच काफ पर्वताचे लागसर पावतकच वयर आशिल्ल्या राखणदार राकेसांनी ताका पळयलो. कोण तरी मनीस तांच्या राज्यांत आयला ते पळोवन तांणी ताका विचारलें, आरे, ये तूं खंयच्यान आयला? हातीमान सगी शारांतल्यान म्हळ्या बरोबर ते हांसले. तांणी विचारलें, तुका हारिथ कन्येन धाडला आसतलो त्या हिर्‍या खातीर. हिरो [illegible] तुका आपलो जीव मात वगडावचो पडटलो. अशें म्हणटां म्हणटांच तांणी उजो पेटयलो आनी तातूंत हातिमाक उडयलो. पूण वांग्वेल कन्येन दिल्ल्या त्या मोतयाक लागून उजो पालवलो.
हातीमाक जितो पळोवन तांकां अजाप जालें आनी ताचो राग आयलो. तांणी ताका रोखडोच दर्यांत उडयलो. हातीम उदकांत पडटकच एका [illegible] नुस्त्यान ताका गिळ्ळो. ताच्या पोटांत हातीम हांगा थंय फिरूं लागलो. त्या मोतयाक लागून ताका कांयच जायनासलें. नुस्त्याक मात ताचो त्रास जावंक लागलो. थोड्या वेळान नुस्त्यान ताका हाडून देगेर उडयलो. हातीमाक खूब भूक लागल्ली. तेन्नाच त्या राखणदारांनी हातीमाक पळयलो. हातीमान

म्हळें, कळळे मूं तुमकां? म्हाका [illegible] खासा देव आसात. कोणण म्हजो केंस लेगीत वांकडो करूंक शकनात. आतां कितेंय नर्गी खावपाक दियात. म्हाका भूक लागल्या. एका राखणदाराक ताची काकूट दिसली. ताणें बाकीच्यांक म्हळें, खऱ्यांनी हाचेर देवाचीच कृपा आसूंक जाय. हाका आमी खावंक पियेवंक दिवंया. हातीमान तांकां आपले तेरकडार अणभव सांगलें. तांकां हातीम खूब आवडलो. तांणी ताका दवरून घेतलो. एक दीस हातीमन आपूण कित्यापासून आयला तें सांगलें.

एका मनशाक तांच्या राज्यांत आलाशिरो दिलो, हें कळळ्यार तांची राणी तांकां मारून उडयतली आसली. हो भंय तांणी हातीमामुखार उक्तायलो. आमी तुमचे राणयेकडेन या. हो मनीस दर्यावेळेर मेळ्ळो अशें तिका सांगात. मुखार कितें जाता तें पळोवया. हातीमान तांकां धीर दिलो. ते हातीमाक घेवन राजवाड्यांत गेले.

तांचे भितल्लो एकटो राणये म्हऱ्यांत गेलो आनी हातीमान सांगिल्लें तशें तिका सांगलें. राणयेक ताका दुसऱ्या दिसा दरबारांत हाडपाचो हुकूम केलो. एक खूब सोबीत तरणाटो गंधर्व राज्यांत आयला ही बातमी वाऱ्यावरी सगळ्या राज्यांत पातळ्ळी. महापरीची एक मस्नापरी म्हूण दासी आसली. तिका हसनापरी नांवाची एक रूपेस्त धूव आसली. तांच्या राज्यांत आयिल्ल्या त्या रूपेस्त तरणाट्याक पळोवचेली तिका इत्सा जाली. पूण पळयतली कशी? ती चिंतेस्त जावन विचार करूं लागली. तेन्नाच एके दासीन तिका सांगलें, तूं तुजे आवयची मान्यताय घे. तो तरणाटो ज्या रस्त्यान येतलो थंयच आमी रावन ताका पळोंवया हसनापरी आवयक विचारून ते दासी वांगडा दर्यादेगेर वचून रावली. मागीर हळूच जंय हातीमाक बंदी करून दवरिल्लो थंय गेली. थंयच्या राखणदारांचेर मोहिनीविद्देचो प्रयोग करून हातीमाक घेवन गेली.

न्हिदिल्ल्या हातीमाचें मनभुलोवणें रूप पळोवन ती भुल्लुसून गेली. तो जागो जातकच तिणें ताका आपलेकडेन लग्न जावचो आग्रो केलो. हातीमान थंय येवचेलें कारण सांगून म्हळें, तूं तो मोलादीक हिरो हाडून दिवशीत जाल्यार हांव तुजे लागीं लग्न जायन. तिणें म्हळें, खरें म्हळयार तो हिरो देव-देवतांक लेगतीत मेळप कठीण. पूण तुमी मनीस कल्पनेच्या बळार कांय मांडणी करशात जाल्यार तुमी तो मेळोवंक शकशात. त्या दिसा

तिणें हातीमाक आपल्यागेर दवरलो. सकाळ जातकच हातीम ना जाल्ल्याचें राखणदारांक कळ्ळें. ताच्या रूपाक भुलून खंयचेय परीन ताका व्हेलो जातलो म्हूण सगळे शिपायक ताका बारकायेन सोदूं लागले. तरी ताचो सोद लागलोना. निमणें राणयेन आपल्या सेनापतीक ताका सोदूंक धाडलो.

एक दीस एका राखणदारान हातीम आनी हसनपरी दर्यादेगेर फिरतात तीं पळेलीं. ताणें तांचे म्हऱ्यांत वचून म्हळें, व्वा! तुमी हांगा मौज करतात? आमी हया तरणाट्याक सगळेकडेन सोदतात. महापरीन ताका दरबारांत आपयला. हें तुका खबर ना? राव आतां, हांव आतांच वचून ही गजाल महापरीक सांगतां. हसनापरी ताका धरूंक धांवली. पूण तो राखणदार पळून राणये म्हऱ्यांत गेलो आनी ताणें सगळी गजाल तिका सांगली.

महापरीन रोखडोच हसनापरीचे आवयक धरून हाडूंक सांगली. महापरीन तिचे कडेन तिचे धुवेची चवकशी करतकच तिणें सांगलें, फाटले चार म्हयने म्हजी धूव खंय आसा तें म्हाकाच खबर ना.

राणयेन आपल्या सेनापती वांगडा, मसनापरीक तिचे धुवेचो सोद घेवूंक वचचेली आज्ञा केली. सोदतां सोदतां एके बागेंत हसनापरी हातीमा वांगडा मौज मजा करतना तिका दिसली. तिका आपले धुवेचो संताप आयलो. तिणें हातीमाक सेनापतीकडेन दिलो आनी धुवेक घेवन ती गेली.

सेनापतीन हातीमाक राणयेमुखार हाडून उबो केलो. ताचें रूपेस्त मुखामळ पळोवन राणी अजापीत जाली. ताचें राज्यांत येवपाचें कारण तिणें विचारलें. हातीमान म्हळें, राजा फारोक्याशा कडल्यान तुमचें गुण-वर्णन आयकून तुमचे सेवे पासत हांव हांगा आयलां. आपली राजा फारोक्याशा वांगडा इश्टागत कशी जुळ्ळी तें ताणें सांगलें.

थोड्या वेळान महापरीन ताका म्हळें, मनीसजात ही सगळ्या प्राण्यांमदी श्रेश्ठ, बुध्दिमान आनी युक्तिवान अशें म्हणटात. तुमचे कडल्यान म्हजी एक व्हड चिंता ना जातलीशी दिसता. म्हजो चलो बरो रूपेस्त, गुणेस्त आसा. पूण ताका दोळ्यांचो रोग जाला. कितले उपाय केले पूण तो बरो जायना. तुमी ताका बरो केलो जाल्यार तुमी कितें मागतात तें हांव दीन.

हातीमान आपले कडचो मोती झरोवन ताच्या दोळ्यांक लायलो. ताच्या दोळ्यांची उसळाउसळ थांबली पूण ताका दिश्टी पडनासलें. झलमा नांवाच्या रानांत आशिल्ल्या नादर रुखाचो रोस घेवन येयात. मागीर ताच

दोळे हाल करे करता. हातीमान म्हळें, तादेर मनखाचो गेम हाइटल्याक तो मागता तें इनाम दिल्लों. अशी महापरीन दवंडी दिवंक लायली. ती दवंडी राज्यातल्या ल्हान–व्हड सगळ्यांनी आयकल्ली पूण त्या मनखाचे गम्भीरपणांक लागून, पिशांच्य गकेन आसतात म्हूण कोणाच मुखार सरलो ना. निमणें हुस्नाबानून म्हळें, महापरी तुमी जर म्हजें सुन्याच भोगशिनात आनी हातिमाक म्हाका दिवशात जाल्यार हांव तो गेम घेवन येन. महापरीन म्हळें, हातीम एक स्वतंत्र मनीस. ताका तुजे सुवादीन हांव कशी करूंक शकतां? आनी कारण ज्याय ना तें पळोवन हातीमान म्हळें, तुवें तो गेम हाइल्या जाल्यार म्हजी इत्सा आसा सोरेन हांव तुगेर रावीन म्हाका परत वचून दिसतलें तेन्ना मात हांव वचतलों.

हुस्नापरीन ताची अट मानून घेतली. खूब त्रास सोंसून तो झाडाचो गेम रानांत पावलो. मोटे सादुरतायेन तिणें त्या झाडाचो रोस बाटलेंत भरून घेतलो, तेन्नाच त्या रानाचे राखणदार तिका धरूंक आयले पूण हुशारकायेन ती थंयच्यान पळून आयली. तिणें ती बाटली रणयेकडेन दिली. हातीमान ताचो लो थेंबो त्या रसांत भरोवन राजकुंवराच्या दोळ्यांक लायलो. तें बरोबर ताका एकदम बरें दिसूंक लागलें.

महापरीन हातीमाक उत्तर दिल्ले प्रमाण भरपूर धन–दौलत इनाम म्हूण दिवंक लायली. पूण हातीमान त्या सगळ्या वैभवा परस शहामोरा हिरो दिवचो अशी मागणी केली. तेन्ना अजापान महापरीन म्हळें, हो हिरो तुमी हारिथकन्ये पासत मागतात आसतले? तुमकां उत्तर दिल्ले प्रमाण आज हांव तुका ना दिवं, पूण मेळ्ळोच परत हाडटलों. हातीमान म्हळें, एक जाणट म्हूण जाण जाणंटी चागो तुमी जाय तें करात.

महापरीन हातीमाक तो हीरो दिलो. तो हिरो जाचे कडेन आसता ताका पूरन उलोविल्ल्या धनाची सारूम लागता हाचो अणभव हातीमाक गेरवडोच आयलो हुस्नाबानूक उत्तर दिल्ले प्रमाण हातीम तिगेर चार म्हयने रावलो.

उपरांत परत त्याचे शिंगेर ताचो वाट पळोवपी फारोक्याशाच्या शिपायां बरोबर तो राज्यांत आयलो. फारोक्याशाक परी राज्यांत घडिल्ली सगळी हकीकत सांगून, दोन दीस तागेर रावन हातीम प्रवासाक भायर सरलो.

मनीर राज्यांत येवन आपल्या इश्टाक घेवन तो हारिथ कन्येकडेन गेलो. तिका शहामोरा हिरो दिवन ताणें म्हळें, तुजे सगळे प्रस्न हांवें

सोडयलें. आतां म्हज्या इश्या फुडेन तूं लग्न जा.

थंयचे नेमाप्रमाण ताचें शाहजादीकडेन लग्न जालें. ताचो निरोप घेवन हातीम थंयच्यान भायर सरलो. तेन्नाच शहापरांन शहाबादाक हिरें [illegible] घेवन्यान हारिश कन्या रडटा म्हणपाची खबर हातीमाक कळ्ळी. तो परत हिरें घेवन्यात गेलो. ताणें म्हळें, तुजेकडेन अशी भरपूर संपत्ती आसतना तूं अजीक धन मेळोवपाच्या आशेन तो हिरो मागिल्लो. [illegible] [illegible] इच्छा [illegible] तुका हिरो मेळचो न्हीं म्हण, तेन्ना बेठेच दुख्खाक [illegible] करतां तिका हातीमाची सांगणी पाटली.

हातीम थंयच्यान भायर सरून [illegible] [illegible] वतालो. [illegible] [illegible] ताका एका संगमरवरी वाड्याच्या दारार [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] अशीं अक्षरां बरयल्लीं दिसलीं. दुसऱ्या प्रश्नाची जाप मेळोवपाचे खातीर तो वाड्या म्हर्यांत गेलो. त्या वाड्याचो धनी [illegible] [illegible] [illegible] ताका मायेन येवकार दिलो. ताका एका आसनार बसोवन ताणीं चौकशी केली. थोडो वेळ हांगाच्यो थंयच्यो खबरी उलयतकच [illegible] [illegible] [illegible] जातकच हातीमान ताका ताच्या दारार बरयल्ल्या अक्षरांचो अर्थ विचारलो. ताणें हातीमाक सगळी खबर सांगली.

जुवानपणांत हांव खूब वायट कामां करतालो. चोरयो, [illegible], दरोडे घालून हांवें खूब धन जोडलें. तेन्ना [illegible] [illegible] [illegible] जेवण करून वातलें थोडें जेवण श्रध्देन [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] आसलो.

एक दीस हांव खूब दुयेंत पडलो. तेन्ना म्हाका [illegible] [illegible] [illegible] करतात अशें सपन पडलें. पूण तेन्नाच [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] म्हाका सोडयलो. [illegible] एकल्यान यमदूताक [illegible] [illegible] [illegible] हाका व्हरतात. हो सदाच [illegible] [illegible] [illegible] जें अन्नदान [illegible] करतालो म्हूण हाचें आयुश्य शंबर वर्सां जालां. ताचें पुण्य [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] भोगतलो. हाका परत [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] हाडात. ताची सांगणी आयकून यमदूतानी म्हाका [illegible] [illegible] [illegible] सोडलो. तेन्नाच म्हजें सपन सरलें. आतां हांव [illegible] [illegible] [illegible] हांवें केन्नाच वायट कामां करचों ना अशो निर्धार केलो. त्या दिसा [illegible] [illegible] अन्न सोडलें. थंयच म्हाका शंबर म्होरां आशिल्ली [illegible] [illegible]

अशें सेगीत धा दीस जाल्ले. संपत्ती जाची कोणाची ताणें ती येवन व्हरची म्हूण हांवें दवंडी दिली. पूण कोणच आयलो ना. एक दीस रातचो न्हिदिल्लेकडेन एक साधू म्हज्या सपनांत आयलो. ताणें म्हाका सांगलें, खासा देवच तुजेर प्रसन्न जाला. तुका सदांच अशो शंबर म्होरां मेळटल्यो. तांतूल्यो खर्चा पुरत्यो तुका दवरून उरिल्ल्यो दान कर. मागीर हांव जागो जालों, आनी देवाचे उपकार आठयले.

फुडें कांय दिसांनी हांवें हो वाडो बांदलो आनी ताच्या दारार हें वचन बरयलें. देवाचे दयेन अजूनय म्हाका शंभर म्होरां मेळटात.

देवाचे कृपेचें अजाप करीत हातीम थंय दोन दीस रावलो आनी मागीर शहाबादेक आयलो.

मुनीरशहाक घेवन तो हुस्नबानूगेर आयलो. तिका ताणें वाटेर घडिल्ल्यो सगळ्यो घडणुको सांगल्यो. आनी दुसऱ्या प्रस्नाची जापय सांगली. मागीर तिणें तिसरो प्रस्न सांगलो. कोणाक फटय नाका, फटयल्यार तशींच फळां भोगतलो.

हातीमान प्रस्न बरो करून समजून घेतलो. उपरांत दोगांयचोय निरोप घेवन भोंवडेक भायर सरलो.

# १०. तिसरो प्रश्न

शहाबादेंतल्यान हातीम उत्तर दिकेन प्रवासाक भायर सरलो. एक म्हयनोभर चलतकच ताका एक व्हडलो दोंगर मेळ्ळो. ताच्या मुळसांत एक मनीस रडत रडत म्हणटालो, आगे म्हजे प्राणदेवते! धांवून यो, तुजे शिवाय हया जगांत म्हाका सगळेकडेन काळोखच काळोख दिसता.

ताची काकुळटेणी स्थिती पळोवन हातीमान ताच्या दुख्खाचें कारण विचारलें. तेन्ना ताणें म्हळें, आरे दयाळ मनशा, हांव एक वेपारी. हांगाच्यान माल घेवन वतना हांवें एक खूबच सोबीत अस्तुरी पळयली. तिची सोबितकाय पळोवन हांव साबूद वचून पडलों. म्हाका जाग आयली. तेन्ना म्हजी तकली तिचे मांड्येर आसली. हांवें तिका विचारलें, आगे सोबीत अस्तुरे! अशा भयांकृत रानांत तूं एकटी कशी? तिणें सांगलें, हांव हयाच रानांत रावपी गंधर्वकन्या. कितलेच दीस जाले हांव तुजे सारक्या मनशाची वाट पळयतालीं. आज तुमी म्हाका मेळ्ळे. आतां आमी हांगा सुखान रावया. तिच्या म्होंवाळ उतरांनी म्हाका भूल घाली. हांव म्हज्या सगळ्या सोयऱ्यांक सोडून तिचे म्हऱ्यांत रावलों.

मागीर कांय दिसांनी हांवे तिका म्हळें, आमी हांगा रावचे परस शारांत वचून रावुंया. तिणें म्हळे, हया जाग्याच्या धनयाची मान्यताय घेवन हांव सात दिसां भितर येता. ते मेरेन तुमी हांगाच्यान खंयच वचुंनाकात. तुमी खंयी गेल्यार आमी परत केन्नाच मेळचींनात. आज सात वर्सां जालीं तीं अजून परत येवंक ना. ती म्हाका चुकत म्हुणून आज मेरेन हांव खंयच वचुंना. आतां हांव कितें करूं तें तुमीच सांगात.
ते अस्तुरेचें नांव अलकापरी; ती अलका पर्वताचेर रावताली. ही खबर कळटकच हातीमान त्या वेपाऱ्याक म्हळें. रोखडीच हांव तुजी आनी तिची भेट घडोवन हाडटां. ते मेरेन तूं हांगा सुशेगाद राव.

उपरांत हातीम उत्तर दिकेचो प्रवास करूंक भायर सरलो. व्हड व्हड पर्वत हुपतकच तो एके व्हड बागेंत पावलो. थंय विसव घेवंक बशिल्ले कडेन थंय शितळ वाऱ्याक लागून ताका न्हीद लागली.

कांय वेळान थंय चार गंधर्व सुंदऱ्यो आयल्यो. त्यो आपले भितर उलयताल्यो. तेन्नाच हातीमाक जाग आयली. त्या सुंदरींनी हातीमाची चवकशी केली. हातीमान सांगतें, अलका पर्वतार रावपी एके अल्का

नांवाचे परोन एका वेपाऱ्याक फटयलो. म्हूण [illegible] घेवन पावले [illegible] हांगा आयलां.

ताचें उलोवणें आयकून संतापून तांणी [illegible] तीं हया राजाची धनीण. एका मनशाकडेन कसलेंच संबंद [illegible] तिच्या कडल्यान केन्नाच जावचें ना. तिका अशी दुशणां दिल्ले [illegible] एका जीव वगदावचें पडटलों, हातीमान हांसून म्हळें, देवच प्रत्यक्ष म्हजो रखण [illegible] कोणच म्हाका मारूंक शकचो ना.

ताचें आत्मविश्वासान भरिल्लें उलोवप आयकून तिम्मो तांणी म्हळें, तूं आमचे बरोबर रावूंक तयार आसा जाल्यारुच आमी तुका अल्का पर्वताचेर व्हरतात. हातीम तयार जालो. त्या परी बरोबर सात दीस प्रवास करतकच तांणी हातीमाक सांगलें, हाचे फुडें आमी तुजे वांगडा येवंक शकनात. हया उजव्या हाताच्या रस्त्यान फुडें वतकच तुका दोन रस्ते मेळटले. तांतल्या उजव्या हाताच्या रस्त्यान तूं चलपाक लाग म्हणटकीर सारको पर्वतार पावतलो.

तांचे सांगणे प्रमाण हातीम वचूंक लागलो. दोन रस्ते मेळटकूच थंयच तो विसव घेवंक रावलो. बरें मध्यान रातीर सुमार ताका मनशाच्या रडपाचो आवाज आयलो. ताणें रोखडेंच हांगा-थंय सोदलें. बऱ्या वेळान ताका एक उगडो मनीस बसून रडटा तो दिश्टी पडलो. हातीमान ताची चवकशी करतकच ताणें सांगलें, हांव एक शिपाय. काम सोदपा निमतान फिरत फिरत एका शारांत पावलों. विसव घेवंक म्हणून एके बागेंत बशिल्लें. थंय कांय सोबीत अस्तुऱ्यो आयल्यो. आतां आनी थंय रावूं नये अशें थारावन हांव वचूंक लागलों. पूण तांणी हांव थंय आयिल्ल्याची खबर आपले धनिणीक सांगली. तिणें म्हाका आपल्या म्हालांत आपोवन घेतलो आनी तिचे लागीं उलयत बसलों.

जायत्या वेळान तिचो बापूय थंय आयलो. तो शाराचो जादूगार राजा आसलो. म्हाका थंय पळोवन तो संतापलो. पूण तिणें थंडसाणेन बापायक सांगलें, बाबा, ओगीच तापूनाकात. पयलीं वास्तपुस करात. खऱ्यांनीच म्हजी चूक आसत जाल्यार म्हाका खास्त दियात. धुवेचें उलोवणें आयकून तो ओगगी रावलो. तेन्नाच थंय एक जाण्टी बायल आयली आनी तिणें म्हळें, तुमची धूव वयान वाडल्या. तो युवक बऱ्या कुळांतलो सो दिसता. हाकाच

माथाचे परीन एका नेपाळ्याक फारयलो. म्हूण तिचो मोट धवणा पायल हाल हांगा आयलां.

ताचें उलोवणें आयकून मनापून ताणीं म्हळें, "ती हया बाटागडची धनीण. एका मनशाकडेन कसलेंच सबंद दवरपाचें पातक तिच्या करल्यान केन्नाच आवचें ना. तिका अशी नुशणा दिल्ले खातीर तुका जीव गमडांवचो पडतलो." हातीमान हासून म्हळें, "देवच प्रत्यक्ष म्हजो रक्षक करतासतना कोणूच म्हाका मारूंक शकचो ना."

ताचें आत्मविश्वासान भरिल्लें उलोवप आयकून निमणें ताणीं म्हळें, "तूं आमचे बरोबर रावूंक तयार आसा जाल्यारूच आमी तुका अलका पर्वताचेर व्हरतले." हातीम तयार जालो. त्या परी बरोबर सात दीस प्रवास करतकूच ताणीं हातीमाक सांगलें, "हाचे फुडें आमी तुजें वांगडा येवंक शकनात. हया उजव्या हाताच्या रस्त्यान फुडें वतकूच तुका दोन रस्ते मेळटले. तातल्या उजव्या हाताच्या रस्त्यान तूं चलपाक लाग म्हळ्यार तूं सारको पर्वतार पावतलो."

ताचे सांगपा प्रमाण हातीम वचूंक लागलो. दोन रस्ते मेळटकूच थयच तो विसव घेवंक रावलो. वाटे मध्यान रातीर सुमार ताका मनशाच्या रडपाचो आवाज आयलो. ताणें रोखडेंच हांगा-थंय सोदलें. बऱ्या वेळान ताका एक उगड्या रानांत बसून रडटा तो दिश्टी पडलो. हातीमान ताची चवकशी करतकूच ताणें सांगलें, "हांव एक शिपाय. काम सोदपा निगतान फिरत फिरत एका शारांत पावलों. विसव घेवंक म्हूण एका दारांत बशिल्लों. थंय कांय भोंवडून आस्तल्यो आयल्यो. रातीं आनी थंय सगळे नवे अशें सांगून हांव वचूंक लागलों. पूण ताणीं हांव थंय आयिल्ल्याची खबर आपलें धनिणीक सांगली. तिणें म्हाका आपल्या म्हालांत आपोवन घेतलां आनी तिचे लागीं उलयत बसलों.

जायत्या वेळान तिचो बापूय थंय आयलो. तो शाराचो जादुगार राजा आसलो. म्हाका थंय पळोवन तो सतापलो. पूण तिणें थट्टेसारकें बापायक सांगलें, "बाबा, ओगीच तापूनाकात. पयली वळखून करात. खऱ्यानींच म्हजी चूक आसत जाल्यार म्हाका ख्यास्त दियात." धुवेचें उलोवणें आयकून तो ओगगो रावलो. तेन्नाच थंय एक जाण्टी बायल आयली आनी तिणें म्हळें, "तुमचो धूव वयान वाडल्या. तो युवक बऱ्या कुळांतलो सो दिसता. हाकाच

तुमी जांवय करून किल्याक घेनात? बापायन धुवेचें मत विचारलें. ति
म्हळें, हांवें ताका केन्ना पसंत केला. तेन्ना जादूगार गजान म्हाका सांगलें
म्हजे धुवेलागीं लग्न जातलां जाल्यार हांव सांगता त्यो तीन गजाली
करच्यो पडटल्यो. हांवें विचार करिनासतना ताका हां म्हळें.

दुसऱ्या दिसा गजान दरबार भरोवन म्हजी खबर सगळ्यांक सांगली.
तेन्नाच ताणे म्हाका त्यो तीन गजालीय सांगल्यो. पारो नांवाच्या सुकण्यांचें
जोडपें हाडप ही आसली पयली गजाल. तांबड्या रंगाच्या सोरपाच्या
तोंडांतलो हिरो हाडप ही दुसरी गजाल आनी तिसरी गजाल करप तें
म्हळ्यार तेल खतखतावन तातूंत उडी मारून जितो भायर सरप.

पारो सुकण्यांचें जोडपें हाडूंक म्हूण हांव भायर सरलों. पूण वाटेर
खावपा-पिवपाचे म्हजे खूबच हाल जाले. आतां म्हज्यां आंगांत मुखार
वचपाचें मातय त्राण ना. म्हूण हांव हांगा रडत बसलां.

त्या मनशाक धीर दिवन ताच्यो तिनय गजाली आपूण करतां म्हूण
हातीमान ताका उतर दिलें. ताची पयली इत्सा पूर्ण करूंक हातीम भायर
सरलो. वतासतना ताका माजट्रान रानांत मांड्येचें मांस काडून दिल्ल्यान
आपूण वळवळटालों, तेन्ना कोल्यान पारो सुकण्याची तकली लावन मांडी
सारकी केल्ल्याची याद जाली. थंयच वचपाक तो भायर सरलो.

वंतां वतां ताका एक शार लागलें. थंयची सगळीं मनशां शारा
भोंवतणच्या कोटाकडेन लाकडाची रास करतालीं. तें पळोवन अजापान
हातीमान तांकां कारण विचारलें. गांवकारांनी सांगलें, सदांच रातचो हांगा
एक भयांकृत राकेस येवन मेळत ताका घेवन वता. आमचे रखणे पासत
आमी हांगा लाकडांची रास करून उजो घालतात. ताका लागून राकेस
भितर येना.

तो राकेस खुबूच भयांकृत आसलो. ताका सात तकल्यो आसल्यो.
प्रत्येक तकलेक एक एक शींग आसलें. राकेसाचें वर्णन कळटकच हातीमान
म्हळें, हांव सांगतां तशे वागशात जाल्यार हांव त्या राकेसाक मारून
उडयन. सगळे तयार जाले. हातीमान राकेसाचे येवपाचे वाटेर एक व्हड
फोंडारो खणपाक लायलो. ताचे भोंवतणी लाकडाचे करवे आनी कांट्यांच्या
झाडांची रास करपाक लायली. रात जातकच तीं लाकडां, झाडां पेटोवंक
लावन हातीम धनुष्य-बाण तयार दवरून त्या फोंडाऱ्यान वचून बसलो.

मध्यान रातीन सुमाराक व्हडा-व्हडान आड्डत राकेस शागकडेन आयलो. थंय उजो पेट्टा तो पळोवन राकेस थंयच रावलो. इतल्यांत ताच्या दोळ्यांचो नेम धरून हातीमान बाण सोडलो. ते बरोबर किळच्यो मारीत राकेस धावत परत गेलो. दुसऱ्या दिसा ताणें गांवकारांक, राकेसाक जाग्यार घालो म्हणपाची खबर सांगली. पूण कोणाचोच विश्वास बसलो ना.

निमणें सगळे लोक रातचे शाराभायर जमले आनी राकेस येना हाची खात्री करून घेतली. मागीर खोशेन तांणी हातीमाक राजा म्हऱ्यांत व्हेलो. राजान ताचो भौमान करून ताका इनाम म्हूण खूब संपत्ती दिली. हातीमान ती थंयच गरिबांक वांटून उडयली.

राजाचो निरोप घेवन हातीम माझ्द्रान रानांत वचूंक भायर सरलो. तेन्ना राजान ताका एक राजदंड आनी एक मोती दिवन सांगलें, ह्या राजदंडान वीख बादना. तो आपले भोंवतणी फिरयलो जाल्यार जादूचोय कांय परिणाम जायना. उदकांतल्यान वचूंक जाय जाल्यार ताचो व्हड्यावरी उपेग जाता. इतलेंच न्हय उजो लेगीत कांय करूंक शकना. तशेंच हें मोती तोंडांत दवरल्यार सोरपापासून कांयच भंय नासता, आनी उज्याचोय भंय नासता. त्यो दोनय वस्तू घेवक हातीम त्या मनशा म्हऱ्यांत येवंक लागलो.

वतना वाटेर ताका एक काळ्या उदकाची न्हंय लागली. राजदंडाच्या आदारन तो पलतडीन वचूंक लागलो. बरो मदीं पावतकच एका राकेसान ताका ओडून न्हंयच्या तळाक व्हेलो. थंय तो राकेस ताचे मुखार हात जोडून उबो रावलो. अजापान पळोवपी हातिमाक त्या राकेसान सांगले, एका बळीश्ट राकेसान हांव त्या जाग्याचो धनी आसतना म्हजो जागो अन्यायान घेतला. तेन्ना उपकार करून तूंच हाचो न्याय कर.

इतले म्हणसर तो बळिश्ट राकेस थंय आयलो. ताका पळोवन पयलो राकेस भिवन पळपाक लागलो. पूण हातिमान ताक धीर दिवन थांबोवन घेतलो. हातिमान त्या भंयाकत राकेसाक म्हळे, तुजे सारक्याक दुसऱ्याचो जागो असो जुलमान घेवप सोबना. हातिमाचें उलोवणें आयकून तो चवताळून ताच्या आंगार आयलो. हातिमान राजदंड काडून ताचेर मारलो. तसो तो भियेवन पळून गेलो.

हातिमान न्याय करतकच पयल्या राकेसान ताका आशिल्लो तसो न्हंयचे देगेर हाडून सोडलो. थंयच्यान हातीम वतां वतां एका भयांकत

रानात पावल्लो. थंय तो विसव घेवंक एका रुखा मुळांत बसलो. तितल्यान झाडार पारो सुकण्याचो जोडो रडटालो. ताणें हातीमाक म्हळें, हातीम दुसऱ्यावेर फकत उपकार करपाच्या निमतान तूं पारो सुकणीं सोडयता व्हय? आमका कर आनी त्या जादूगाराक दी. म्हणटकोच तुज्या इश्टाचें एक रजाल पूर्ण जातलें. हातीमान देवाचें उपकार मानले आनी पारो सुकण्याचो जोडो हाडून त्या शिपायाक दिलो.

शिपाय तें सुकण्यांचें जोडपें घेवन जादूगार म्हल्यांत गेलो आनी ताणें म्हळें इतल्या वर्सांनी हांवें हीं सुकणीं हाडल्यांत तेन्ना दिवन एक खेप तरी राजकुंवरीक म्हाका मेळूंदी. जादूगारान ताका राजकुंवरीक मेळूंक दिलें. तेन्ना ताणें तिका म्हळें, प्रिये आतां तांबड्या सोरपाच्या तोंडांतलो हिरो हाडूंक हांव वता. तो सोरोप खंय आसता तो मान्नो सांगशी?, काफ पर्वताचेर तो सोरोप आसता तिणें सांगलें.

ही रजाल ताणें हातीमाक येवन सांगली. तें आयकून हातीम काफ पर्वताचेर वचूंक भायर सरलो. वाटेर ताका सात रंगांचो सोरोप दिसलो. हातीम ताचे फाटोफाट चलूंक लागलो. सांजवेळ जातकच तो सोरोप एका पर्वताचे घोलींत गेलो. थंय लागींच आशिल्ले एके गांवांत हातीम गेलो. थंयच्या लोकांनी ताका जेवण दिलें आनी रात तांच्या घरात सारपाचो आग्रो केलो. पूण हातीम तांच्या घरांत रावलो ना. सोरपाचे घोली म्हऱ्यांत येवन बसलो. कांय धनगारय येवन थयच तरन्तेक रावले.

तो सोरोप मध्यान रातीर सुमार भायर आयलो आनी सगळ्या धनगरांक घांस मारून घोलींत गेलो. हातीमाक तें पळोवन खूब वायट दिसलें. थोड्या वेळान तो सोरोप परत भायर आयलो आनी पळेनां पळेतां गावच्या पाटलाक ताणें घांस मारलो. सगळे गांवकार चिंतस्त जाले.

सोरोप थंयच्यान वचपाक लागलो. हातीमय ताचे फाटोफाट वचूंक लागलो. थंयच्यान तो सोरोप वह एका शारांत गेलो. थंयच्या राजकुंवराक आनी प्रधानाकय ताणें घांस मारले. सारीर थोड्या वेळान त्या सोरपान शिताचें रूप घेतलें आनी थंयच्या एका तरणाटयाचे गोमटेचे रगत पियेलें. ताका मारतकच तो शींत एक गोवींत असतुरी जाली. लोकांचे येवपा-वचपाचे वाटेर येवन ती बसली.

थंयच्यान दोन वेपारी भावांक वतना पळोवन ती रडारडान रडूंक

लागली. भावांनी तिची चवकशी केली. तिचो घोव ना जाल्ला म्हूण ती रडटा. हें कळटकच व्हडल्या भावान म्हळें, तुका म्हजेकडेन लग्न जावंक खोस आसल्यार तूं आमचे वांगडा चल. त्या बायल भेसांतल्या सोरोपान म्हळें, हांव तुजेलागीं लग्न जायत पूण तुवें दुसरे बायलेकडेन केन्नाच संबंध दवरूंक जायना. म्हाका गांदपाक सांगूंक जायना. तिच्यो अटी मानून घेवन तो तिका घेवन वचपाक लागलो. हातीमय तांचे फाटोफाट वचपाक लागलो.

फुडें वतना वाटेर ते बायलेन आपल्याक भूक लागल्या म्हूण सांगलें. धाकट्या भावा वांगडा बायलेक दवरून तो खावंक हाडूंक गेलो. तेन्ना तिणें धाकट्या भावाक म्हळें, तुजो व्हडलो भाव म्हाका मातय आवडना. तूंच म्हाका आवडिल्लो. चल आतां आमी हांगाच्यान पळून वचूंया. धाकट्या भावान सादेपणान म्हळें, आता तूं म्हाका म्हजे आवय सवातेर.

तिका राग आयलो. तिणें आपल्या आंगावेलीं वस्त्रां पिंजून उडयलीं आनी ती व्हड व्हडान रडूंक लागली. तितल्यांत व्हडलो भाव आयलो. धाकट्या भावान आगळीक केल्या अशें म्हूण तिणें सांगलें. धाकट्या भावान खरी खबर सांगली पूण व्हडल्याचो विश्वास बसना जालो. दोगांनीय तलवारी काडून झूज केलें आनी तांतूनच मेले.

मागीर ते बायलेन एके म्हातारेचें रूप घेतलें. तेन्ना हातीमान अजापान ताका विचारलें, तुमी अशीं रूपां कित्याक बदलतात? ताणें सांगलें, हांव यम. मनशाच्या नशिबांत आसा ते प्रमाण हांव तांचो अंत घडयतां. हातीमान आपल्या मरणाविशीं विचारतकूच ताणें म्हळें, हातीम! तुका दोनशें वर्सां आयुश्य आसा. तांतलीं अजून शंबर वर्सां लेगीत सोंपूंक नात. तुज्या कानांतल्यान रगत वचून तूं मरतलो. पूण आतांच ताचो विचार कित्याक? असोच दुसऱ्यांचेर उपकार करीत रव तुका पुण्य मेळटलें. थोड्या वेळान यम नपंयच जालो.

एक काळो सोरोप हातिमाच्या आंगार आयलो. पूण गरुडाक दाखयतकच पळून गेलो. थंयच्यान हातीम धव्या रानांत आयलो. थंयच्या धव्या रंगाच्या सोरोपाकय ताणें धांवडायलो. उपरांत तो तांबड्या रानांत पावलो. थंयचे हुनसाणेन हातीमाक गडिल्ले अशें दिसूंक लागलें. तेन्ना एका सतपुरसान ताका दर्शन दिवन सांगलें, हांगाच्या तांबड्या रंगाच्या

सोरपाच्या श्वासान हें अशें वातावरण जाल्लां. तुजेकडचो मोती तोंडांत धर मागीर तुका कांयच त्रास जावचो ना. तशें करतकच हातिमाक तरनसाण आयली.

त्या रानांत मदीं पावतकच कितलेशेच सोरोप हातिमाचेर फुत्कार सोडीत आयले. तांतल्या मुखेल्याच्या तोंडांत तो हिरो पळोवन ताणें ताचेमुखार राजदंड धरलो. तेन्ना भंयान तो हिरो थंयच उडोवन मुखेल सोरोप हेरां वांगडा पळून गेलो. खोशेन तो हिरो हाडून हातिमान शिपायाक दिलो. त्या हिऱ्याक लागून कुडडयाक नदर येनाली, उजो-उदका पासून भंय नासलो आनी विखाची बादा जायनासली.

शिपायन तो हिरो व्हरून जादुगारक दिलो. मगीर तिसरी राजाल ताणें जादुगार मुखारच केली. हातिमान दिल्लो मोती ताणें तोंडांत धरलो आनी सळसळट्या तेलांत उडी मारून बरे भाशेन आयलो. तें पळोवन जादुगारा सयत सगल्यांनी तोंडांत बोटां घालीं.

मागीर जादुगारान शिपायाक दिल्ल्या उतरा प्रमाण आपले धुवेलागीं लग्न करून दिलें. एक दोन दीस थंय रावन हातीम भायर सरलो.

वाटेर ताका एक व्हड दोंगर मेळ्ळो. तो कसो चडप हें येवजितासनाच ताका कांय गंधर्व अस्तुऱ्यो दिसल्यो. हातीम तांचे म्हऱ्यांत वतकच त्यो एके रोयणींत भितर सरल्यो. तांचे फाटल्यान हातीमय भितर गेलो. थंय ताका एक व्हड बाग दिसली.

हातिमान त्या अस्तुऱ्यांक त्या वाठारांविशीं विचारलें. तांणी सांगले, हया वाठाराची धनीण अलकापरी. ती फाल्यां हांगा येतली. पूण तिणें तुका हांगा पळेलो जाल्यार ती आमकां ख्यास्त करतली. म्हणून तूं हांगाच्यान परत वच . हातिमान म्हळें, हांव खूब त्रासांनी हांगा आयलां तो तिका मेळूंक. आतां कितें जालें तरी तिका मेळळे शिवाय हांव हांगाचो हालचोना.

ताचो निश्चेव आयकून अलका परी लागीं ताची भेट घडोवपाचें उतर तांणी दिलें. तो मेरेन ताका एका गुपीत जाग्यार लिपून रावंक सांगलो.

दुसऱ्या दिसा अलकापरी बागेंत आयली. तिका मेळूंक आयिल्ल्यांकडेन ती मायेन उलयताली. हासून खेळून वागताली. तेन्नाच त्या गंधर्व अस्तुऱ्यांनी हातिमाचे हात पांय बांदून दवरले आनी अलका परी म्हऱ्यांत वचून सांगलें, आमचे बागेंत एक मनीस आयिल्लो. ताका आमी बांदून दवरला .

सोरपाच्या श्वासान हें अशें वातावरण जालां. तुजेकडचो मोती तोंडांत धर मागीर तुका कांयच त्रास जावचो ना. तशें करतकच हातिमाक नरनरसाण आयली.

त्या रानांत मदीं पावतकच कितलेशेच सोरोप हातिमाचेर फुत्कार सोडीत आयले. तांतल्या मुखेल्याच्या तोडांत तो हिरो पळोवन ताणें ताचेमुखार राजदंड धरलो. तेन्ना भंयान तो हिरो थंयच उडोवन मुखेल सोरोप हरां वांगडा पळून गेलो. खोशेन तो हिरो हाडून हातिमान शिपायाक दिलो. त्या हिऱ्याक लागून कुड्ड्याक नदर येताली, उजो-उदका पासून भंय नासलो आनी विखाची बादा जायनासल्ली.

शिपायन तो हिरो व्हरून जादुगाराक दिलो. मगीर तिसरी गजाल ताणें जादुगारा मुखारच केली. हातिमान दिल्लो मोती ताणें तोडांत धरलो आनी सळसळट्या तेलांत उडी मारून बरे भाशेन आयल्लो. तें पळोवन जादुगारा सयत सगल्यांनी तोंडांत बोटां घालीं.

मागीर जादुगारान शिपायाक दिल्ल्या उतरा प्रमाण आपले धुवेलागीं लग्न करून दिलें. एक दोन दीस थंय रावन हातीम भायर सरलो.

वाटेर ताका एक व्हड दोंगर मेळ्ळो. तो करो चडप हें येवजितासनाच ताका कांय गंधर्व अस्तुऱ्यो दिसल्यो. हातीम तांचे म्हऱ्यांत वतकच त्यो एके रोयणींत भितर सरल्यो. तांचे फाटल्यान हातीमय भितर गेलो. थंय ताका एक व्हड बाग दिसली.

हातिमान त्या अस्तुऱ्यांक त्या वाठारांविशीं विचारलें. तांणीं सांगलें, हया वाठाराची धनीण अलकापरी. ती फाल्यां हांगा येतली. पूण तिणें तुका हांगा पळेलो जाल्यार ती आमकां ख्यास्त करतली. म्हणून तूं हांगाच्यान परत वच . हातिमान म्हळें, हांव खूब त्रासांनी हांगा आयलां तो तिका मेळूंक. आतां कितें जालें तरी तिका मेळळे शिवाय हांव हांगाचो हालचोना.

ताचो निश्चेव आयकून अलका परी लागीं ताची भेट घडोवपाचें उतर तांणी दिलें. तो मेरेन ताका एका गुपीत जागयार लिपून रावंक सांगलो.

दुसऱ्या दिसा अलकापरी बागेंत आयली. तिका मेळूंक आयिल्ल्यांकडेन ती मायेन उलयताली. हासून खेळून वागताली. तेन्नाच त्या गंधर्व अस्तुऱ्यांनी हातिमाचे हात पांय बांदून दवरले आनी अलका परी म्हऱ्यांत वचून सांगलें, आमचे बागेंत एक मनीस आयिल्लो. ताका आमी बांदून दवरला

तिणें बेगींन बेगींन म्हळें, सात दिसां भितर हांव येतां म्हणून ताका सांगिल्लें तोच मनीस आयला जातलो. ताका म्हजे म्हऱ्यांर घेवून येयात. परीचे आज्ञेवेल्यान तांणी हातिमाक तिचे सामकार हाडून उबो केलो. आपल्याक मेळिल्लो तो मनीस हो न्हीं हें पळोवन तिका अजाप जालें. तिणें हातिमाक बसोवन खंयच्यान आयला तें विचारलें

हातिमान आपली वळख दिली. तो येमेन देशाचो हातीम हें कळटकच तिका खूब खोस जाली. तिणें ताका आपल्या शिंवासनार बसयलो आनी म्हळें, हे परोपकारी राजा! तुमची कीर्त आयकून तुमची खासा भेट घेवची अशी म्हजी कितल्याशा दिसांची इत्सा आसली. आज देवादयेन ती सफल जाली. हांव खरेंच भाग्यवान तुमी कित्याखातीर आयल्यात तें म्हाका उपकार करून सांगशात?

हातिमान रानांतल्या त्या वेपाऱ्याची सगळी गजाल सांगून म्हळें. तुवें सात दिसांनी येतां म्हणून ताका उत्तर दिल्लें खरें. पूण आयज सात वर्सां तो त्या जाग्यावेलो हाल्लूंक सुध्दां ना. तुका मेळूंक तो सामको आकूळ पिकूंळ जाला.

अलकापरीन सांगलें, हांगा येतकच हांव ताका साफ विसरून गेलें. पूण म्हजेर जिवापरस चड मोग करपी ताका म्हजें नांव गांव खबर आसून खासा तो हांगा कित्याक आयलो ना. हांव येसर हांगाचो हालूनाका, ना जाल्यार आमची चुकामूक जातली अशें तुवेंच ताका सांगिल्लें न्हय? म्हणून बाबडो थंयच बसून रडटा . हातिमान सांगलें.

अलकापरीन म्हळें, तुमी सांगतात तें खरें, पूण मनशांलागीं अशे संबंद आमच्यानी जोडूं नज. ताका जाय जाल्यार ताणेंच हांगा येवचें पडटले. हातिमाक राग आयलो. एकाद्र्याक वचन दिवन ल्हेगीत तूं ताचो विश्वासघात करना ही खरीच वायट गजाल. अशें तिका सांगून हातीम रूखा मुळांत वचून सात दीस मेरेन अन्न–उदक घेनासतना पडून रावलो. सातव्या दिसा एक सिध्द पुरसान हातिमाच्या सपनांत येवन ताका सांगलें, आरे हातीम! हांगा उपाशीं पडून तुका किते मेळटलें? ते परस तुजे लागीं आशिल्लो मोती उदकांत शिजवन तें उदक परीक पिवंक दी. आनी त्या मनशाचा आनी तिची भेट घडय. म्हणटकच आपशींच ती ताचेर मोग करतली.

दुसऱ्या दिसा अलकापरी हातिमाची खबर घेवंक आइली [illegible] हातिमाक तिका त्या वेपाऱ्याक थंय हाडून घे म्हणून सांगलें. [illegible] हाडून ताका हाडून घेतलो.

परीक पळोवन वेपाऱ्याची परत सुध्द गेली [illegible] ताका रोखडोच सावचीत केलो. मागीर तांका घेवन तीं म्हळ्ळात [illegible] हातिमान वेपाऱ्याकडेन मोती शिजोवन तें उदक दिलें आनी [illegible] अलकापरीच्या उदकांत घालूंक लायलें. वेपाऱ्यान तशें केलें. परी तें उदक पियेली. तिचें मन बदललें. तिका त्या वेपाऱ्याविशीं मोग दिसूंक लागलो. रोखडीच ती ताचेकडेन लग्न जाली. हातिमाक त्रास काडिल्ल्याचें समाधान जालें.

थोड्या दिसांनी हातिमान तांचो निरोप घेतलो. घरांन वांगडा दिल्ल्या दासी सांगातान तो वचूंक लागलो. बरो वेळ चलून गेले उपरांत कोणाक फट्यनाका, फट्यल्यार तशीच फळां भोगतलो ही उतरां ताणे आयकलीं. तेन्ना दासींक परत धाडून हातीम त्या आवाजाचे दिकेन वचूंक लागलो.

थोडो वेळ चलून वतकच एका झाडाक पांजरो लायिल्लो ताका दिसलो. तातूंत एक मनीस आशिल्लो आनी तोच तीं उतरां म्हणटालो. म्हऱ्यांत वचून हातिमान ताका विचारलें, तुजी अशी दैना कशी जाली? हीं उतरां तूं परत परत कित्याक म्हणटा? ताणें सांगलें, म्हजें दुख्ख ना करतलो जाल्यार म्हजी पयलींची खबर सांगन . त्या म्हाताऱ्यान अशें सांगतकूच हातिमान ताका उतर दिलें. मागीर तो जाण्टेलो सांगूंक लागलो, म्हजो बापूय व्हडलो सावकार आशिल्लो. वेवसाय-धंदो करपा निमतान एक फावट तो, पयस गेल्लो. तेन्ना हांवें वायट इश्टांच्या नादाक लागून सगळें धन विकून उडयलें. म्हजो बापूय परत येतना मोडांत सांपडून मेलो.

हांगा सगळें धन हांवें वाटेंक लायिल्ल्यान हांव कंगाल जालों. तेन्ना म्हाका आमच्या घरांत पुरून दवरिल्ल्या धनाची याद जाली. रोखडोच हांवें एका मांत्रिकाक आपोवन धनाचो चवथो वांटो दिवपाचें मान्य करूक ताका धनाचो जागो दाखोवंक सांगलो. ताणें जागो बरोबर दाखयलो. ताका कबूल केल्लें धन दिवपाचें सोडून हांवें थोडेंच दिवंक केलें. ताणें तें नाकारतकूच हांवें मारून धूकलून ताका धांवडावन घालो.

उपरांत कांय दिसांनी तो मांत्रीक म्हजे म्हऱ्यांत येवन सांगूंक लागलो, म्हाका. धनाची कांयच गरज ना. हांवें फकत तुजें मन पळेल्लें.

तुवें मात म्हाका ओंग्गी त्रास दिलो. आतां ते आसा, तुका अनीकय धन जाय जाल्यार सांग, म्हाका खबर आसा. धनाच्या आशेन हांव ताचे लागीं मोगान वागूंक लागलो. मागीर एक दीस हांव ताका तुजी विध्या म्हाका शिकोवशी, काय विचारलें.

ताणें सांगलें, बरें भाशेन शिकयन. निखट्या दोळ्यांनी मात ते धन दिसना. दोळ्यांत अंजन घालून घेवचें पडटलें. हांवें गरखडेंच मान्य केलें. मागीर तो म्हाका गांवाभायल्या एका झाडा मुळांत घेवन गेलो. झाडार एक पांजरो आसलो. इतल्यांत ताणें अंजन म्हज्या दोळ्यांत घालें आनी म्हजी दृश्टी गेली. हांवें दुख्खी जावन ताका म्हळें, आरे, हें कितें केलें तुवें? केलें जाल्यार तुका वायट दिसलें मरे? विश्वासघात करतल्याक हीच ख्यास्त योग्य .

हांवें तिडकून म्हळें, हे असले नीच करणेंक लागून देव तुका खात्रीन ख्यास्त करतलो. तें आयकून मांत्रिकान सांगलें, दर पाव घटकेक कोणाक फटयनाका, फट्यल्यार तशीं फळां भोगतलो अशें म्हणत गव. कांय दिसांनी एक पुण्यवान मनीस हया रानांत येतेलो. तुज्या दोळ्यांत ताणें सूर्यकमळाचो रोस घालतकच तुका पयलीं वरी दिसूंक लागतलें. ताचे सांगणे प्रमाण हे पुण्यवान तरणाट्या, तूं आयज आयला. आतां उपकार करून हे भयांकृत अवस्थेंतल्यान म्हाका मेकळो कर .

ताका धीर दिवन हातीम सुर्यकमळाचो रोस हाडूंक वचूंक लागलो. हेवटेन कितें जालें, अलका–परीच्यो दासी हातिमाक सोडून रोखड्योच परत आयल्यो तांकां पळोवन अलका परीक राग आयलो.तिणें तांकां रोखडींच परत धाडून हातिमाचें कितेंय काम आसल्यार करून येयात म्हूण सांगलें. तिचे आज्ञे प्रमाण त्यो हातिमाक येवन मेळळ्यो. ताका सगळी खबर सांगून तांणी कितेंय काम आसल्यार सांग म्हळें.

हातिमान म्हळें, हिमयार ह्या रानांत आशिल्लें सुर्यकमळ सोदपाक हांव वतां. तें आयकून तांणीं म्हळें, आमी तुमकां त्या रानाचे शिमेर मेरेन व्हरूंक शकतात. त्या रानांत विखारी जनावरां खूब आसात. म्हूण आमी भितर येवंक शकनात. इतलें सांगून तांणी हातिमाक त्या रानाचे शिमेर हाडून सोडलो. ते सुर्यकमळाचे दीस नाशिल्ल्यान हातिमाक कांय दीस थंयच रावचें पडलें.

मागीर फुलांचो मोसम सुरू जातकच सगळीं झाडां फुलांनी भरलीं. सुर्यकमळां सामकीं चकचकतालीं. वांस्वेल कन्यचो मोती तोंडांत. म्हूण ताका कांयच त्रास जालो ना.

तीं कमळां घेवन तो पांजऱ्या म्हऱ्यांत आयलो. त्या जाण्टेल्याच्या दोळ्यांत सुर्यकमळाचो रोस घालतकच ताका पयलीं वरी दिसूंक लागलें. जाण्टेल्यान हातिमाक खूब धन दिलें. पूण तें आपल्याक घेनासतना हातिमान गरिबांक दिंवक लायलें.

मागीर हातीम शहाबादेक आयलो. थंय मुनीर शहाक घेवन तो हुस्नबानू म्हऱ्यांत गेलो आनी तिका सगळी खबर सांगलीं. हातिमाची खबर आयकून तिका ताची तोखणाय दिसली.

उपरांत तिणें चवथो प्रस्न सांगलो. काराम शारांत रावपी एक मनीस सदां सत उलोवपी सदांच सुखी आसता अशें म्हणटा ताचो सोद घेवंक सांगलें.

हातीम तांचो निरोप घेवन चवथ्या प्रस्नाची जाप सोदूंक भायर सरलो.

# ११. चवथो प्रश्न

चवथ्या प्रस्नाची जाप सोदूंक भायर सरिल्ल्या हातिमाक कागम शाराची वाट खबर नासली. तो मेळटा त्या रस्त्यान वचूंक लागलो. थोड दीस चलतकच ताका रगतावरी तांबडें उदक आशिल्ली न्हंय, मेळ्ळी. हें अजाप कसलें तें पळोवंक न्हंयचें मूळ सोदूंक तो गेलो.

वतां वतां ताका न्हंयचे देगेर एक खूब उंच तसोच मोटो बरो रूख दिसलो. ताचे दर एके खांदयेक बायलांच्यो तकल्यो हुमकळायिल्ल्यो. तांतल्यान रगत गळटालें. ताकाच लागून न्हंयचें उदक तांबडेंगुंज जाल्लें. तो अजापाचो देखाव हातीम बारीकसाणेन पळोवंक लागलो. त्यो तकल्यो ताका पळोवन हांसताल्यो. सगल्यांत वयर एके सोबीत अस्तुरेची तकली आसली. तिचेकडेन पळेतां पळेतां ताच्या मनांतविचार आयलो; ह्यो कुडी पसून वेगळ्यो काडिल्ल्यो तकल्यो अशो हांसतात कित्याक काय? हांकां अशे वळवळे कित्याक भोगचे पडटात काय? हाचो सोद लावचोच पडलो. अशें चिंतून तें पळोवंक तो थंयच थांबलो.

रात जातकच त्यो तकल्यो एक एक करून न्हंयच्या उदकांत पडूंक लागल्यो. रोखडोच थंय एक खूब सोबीत असो म्हाल तयार जालो. तातूंत तरेकवार आसनां आशिलें एक व्हड साल आसलें. एक एक अस्तुरी येवन त्या आसनार बसली.

उपरांत एका भारी सोबीत दिसपी अस्तुरी मदल्या सोबीत शिंवासनार येवन बसली. सगल्यांत वयर तकली हुमकळायिल्ली ती हीच अस्तुरी आसतली हें हातिमान ताडलें. तिची सोबीतकाय पळोवन हातीम तिच्या मोगांत पडलो. बाकी अस्तुऱ्यो तिच्यो दासी आशिल्ल्यो. थोड्या वेळान म्हालांत नाचप- गावप सुरू जालें.

कांय वेळान थंय जेवपाक पानां मांडलीं सगल्यो अस्तुऱ्यो येवन पानार बसल्यो. तेन्ना ते रुपसुंदरेन म्हळें, भायर एक भो वडेकार बसला. ताका जेवण दियात. एकटी अस्तुरी जेवण घेवन भायर आयली. हातीमान जेवण घेवचे पयलीं तांचे धनिणीविशीं चवकशी केली. तिणें कितेंच सांगलें ना. ते बराबर हातीमान तांचें जेवणय नाकारलें. तिणें ही गजाल रुपसुंदरीक सांगली. तिणें ताका रकाद धाडलो, आतां तूं जेव तुका फाल्यां कितें तें कळटलें. तरीय हातीमान तें ताट धुकलून उडयलें ती थंयच्यान

उडून गेली. हातीम तसोच उपाशींच रावलो. दुसरो दीस उजवाडटच त्यो सगल्यो तकल्यो परत झाडाक हुमकळूंक लागल्यो. ह्यां सगल्या अजापाचो सोद लावप आनी मुखेल अस्तुरेकडेन लग्न जावप असो ताणें निश्चेव केलो. रात जातकच परत तसोच म्हाल तयार जालो. एक बायल परत ताचे पासत जेवण घेवन आयली. हातीमान आयजय जेवण घेतलें ना. ही गजाल जेन्ना ते रूपसुंदरीक कळ्ळी तेन्ना तिणें ताका पयलीं जेवपाचो आग्रो केलो. जेवतकूच हातीम तिणें उदकांत उडी मातरकच हातीमानय उदकांत उडी मारली.

कांय वेळान हातीमान दोळे उगडले. आपूण एका अटंग्य रानांत आसा अशें ताका दिसलें. थंय हेडटां-हेडटां ताका एक सिध्द पुरून दिसलो. हातीमान ताका सगळी गजाल सांगली. ताणें म्हळें, त्या इंद्रजालाचो परिणाम हो. म्हाका परत पयलीं जाग्यार वचूंक जाय. हातीमान म्हळें.

त्या सिध्द पुरसान ताका दोळे उगडून पळे म्हणून सांगलें. पळे जाल्यार तो तकल्यो हुमकळटाल्यो त्यो झाडा म्हऱ्यांत पाविल्लो. ते रूपसुदंरी अस्तुरेची तकली काडपाचो ताणें यत्न केलो. तेन्ना भयांकृत अशें मोड जालें आनी हातीमाची अर्दी कूड झाडांमदीं घुस्पून उरली. भायर सुटपाचो ताणें खूब यत्न केलो पूण येस आयलें ना. त्या भयांकत राकेस वस्तीनल्यान जाणें ताची सुटका केल्ली, त्या सिध्द पुरसान थंयच्यान हाडिल्लो थोडो गोबोर त्या झाडार उडोवन ताणें हातीमाक मेकळो केलो

हातीमान ताका विचारलें, हया सगल्या अस्तुऱ्यांची अशी दैना कित्याक जाली? त्या सिध्द पुरसान ताका तांची सगळी गजाल सांगली. त्या तकल्यांमदली सगल्यांत चड सोबीत तकली आसा ती भुवनसुंदरी नांवाचे एके रुशी कन्येची. हेर अस्तुऱ्यो तिच्यो दासी. ते सुंदरीचो एका युवकाचेर जिवापरस चड मोग आशिल्लो. ताचे लागीं लग्न जावपाची तिची इत्सा पळोवन रुशीक खूब राग आयलो. रागा भरशीं रुशीन एक इंद्रजाल तयार केलें आनी तांची अशी काकुळटेणी अवस्था करून उडयली.

हांगाच्यान हजारभर मैल पयस ब्रह्मघाट नावाच्या पर्वतार तो रुशी रावता. तो सगल्या रुशींपरस श्रेश्ट. वाऱ्याच्या वेगान तो खंयी वता. ताका मारल्या बगर हांगा कांयच बदल जावपारना . थंय वचप खूब त्रासांचें. कितल्योय अडचणी येवं, ते भुवनसुंदरीची तकली हांव जमनीर हाडले बगर रावचोना.

हातीमान निश्चेव केलो. तो आयकून सिध्दान म्हळें, ते धानगडींत तूं पडू नाका. तुका खूब त्रास जातले . ताणें इतलें सांगूनय हातीम फाटीं सरलो ना. तें पळोवन त्या सिध्दान आपले झोळयेंतल्यान थोडो गोबोर काडून त्या झाडार उडयलो आनी तो नाच्च जालो.

देवाचें नांव घेवन हातीम त्या रुखार चडलो. भुवनसुंदरीचे तकलेक ताणें हात घाल बरोबर ताची तकली थंय हुमकळूंक लागली आनी कूड उदकांत पडली. आतां तांचेवरी हातीमाचीय गत जाली तातूंतल्यान आपली सुटका कशी करून घेवची हाची हातीमाक चिंता जाली.

अशे तरेन खूब दीस वतकूच तो सिध्द पुरूस परत थंय आयलो. ताणें आपले झोळयेंतलो गोबोर काडून हातीमाचे तकलेर फाफुडलो. तें बरोबर हातीम आशिल्लो तसो उबो जालो. त्या सिध्दाच्या पांयांर तकली दवरून हातिमान नमळायेन ताका विचारलें. तुजे कृपेशिवाय म्हजी इत्सा पूर्ण जावची ना.

त्या सिध्दान सांगलें, ते पासन तुका ते भुवनसुंदरीच्या बापायक जितो मारूंक जाय. ते पासत तुका हांव एक बारा अक्षरी मंत्र सांगतां. तो तूं पाठ कर . हातिमान तो मंत्र पाठ केलो. सिद्धान ताका सांगलें, ह्या मंत्राचो जप तूं सदांच न्हातकर कर, मागीर तुजीं सगळीं संकश्टां ना जातलीं. हो दंड घे. हो हातांत धरतकच खिणाभितर तूं ब्रह्मघांटार पावतलो .

हातीमान त्या सिध्दाक नमस्कार केलो. तो दंड हातांत घेवन देवाचो धांवो करतकच हातीम ब्रह्मघांटार पावलो. तो पर्वत चडऊंच असलो. वयर वतकूच हातीम न्हालो, आनी मंत्र जपपाक बसलो. रोखडींच इंद्रजालांतलीं जनावरां सैर–भैर जावन धांवंक लागलीं. बारा अक्षरी मंत्राच्या आदारान, एक राजपुत्र आपलो जीव घेवंक आयला ही खबर रूशीक कळटकूच तो भियेलो. हातिमाक त्या मंत्राचो विसर पडचो म्हूण ताणें इंद्रजाल विहेन यत्तिणी तयार केल्यो. तातुंतली भुवनसुंदरी वरी दिसपी यत्तिणेन हातिमा म्हऱ्यांत येवन गोड आवाजांत म्हळें, प्राणेश्वरा! म्हजेखातीर अशे त्रास कित्याक काडटा? म्हज्या बाबान म्हजी त्या इंद्रजालांतल्यान सदांखतीर सुटका केल्या. म्हणून हांव तडक उठून तुजे म्हऱ्यांन आयलां. अशें म्हणून तिणें हातीमाक वेंगेंत धरलो आनी खूब सोरो पिवयलो. दुसऱ्याच खिणाक ती यक्षीण मूळ रुपांत आयली. तिणें हातीमाक बंदी करून रुशी

मुखार उबो केलो. रुशीन ताका उज्यांत उडोवंक लायलो. पूण वांस्वेलकन्येचो मोती ताचेकडेन आशिल्ल्यान हातीमाक कांयच जालें ना. तें पळोवन रुशीन ताका तळयांत उड्यतकच हातीम न्हावन वयर आयलो. आनी मंत्र जपूंक लागलो. आतां आपली धडगत ना हें कळटकच रुशीन काळभैरवाची प्रार्थना केली.

काळभैरवान येवन सांगलें, खसा परमेश्वरान ताका लोककल्याणाखातीर जल्माक घाला. ताचो जप चालू आसतना हांव कांयच करूंक शकना. पूण फकत तुजेपासत ताका गाड न्हीद हांव घालूंक शकतां. अशें म्हणून ताणें हातीमाक गाड न्हीद घाली. ताका सुखाची सपनां घालीं. तसो ताका मंत्राचो विसर पडलो.

दुसऱ्या दिसा हातीम न्हावन वता आसताना एक राकेस ताच्या आंगार आयलो पूण ताचो परिवार करूंक हातीमाक मंत्र येवजना जालो. तसो हातीम भियेलो. राकेसान रोखडोच ताका व्हरून एका व्हडल्या फोंडाऱ्यांत उड्यलो.

थंय हातीम आपली सोडवणूक जावची म्हणून देवाचो धांवो करूंक लागलो. दोन दिसां उपरांत रुशीन आपल्या शिश्यांक सांगलें, हातीमाकडेन वांस्वेलकन्ये दिल्लो खर मोती आसा. तो घेवन येयात. तो दिना जाल्यार ताका फातरांनी मारात. गुरूचे आज्ञेप्रमाण शिश्य हातीमा म्हऱ्यांत आयले आनी तो मोती मागूंक लागले. हातीमान मोती तर दिलोचे ना पूण आपूण रुशीक जितोच मारतलों म्हूण प्रतिज्ञा केली. तें आयकून खुबिल्ल्या शिश्यांनी हातिमाचेर फातर शेवटिले. पूण मोतयाच्या प्रभावान हातीमाक कांयच जालें ना. तें पळोवन थोड्या वेळान शिश्य परत गेले.

आपल्या गुरूक जाय आशिल्लो मोती ताचेकडेल्यान बरेभाशेन घेवचो हया हावेसान एक शिश्य रातचो हातीम आशिल्ल्या खड्ड्या म्हऱ्यांत आयलो. ताणें हातीमाक भायर काडलो. हातीमान वेळ वगडायनासतना न्हावन मंत्र जपपाक सुरुवात केली. ते बरोबर बरे भाशेन शिश्यान हातीमाकडेन तो मोती मागलो. हातीमान म्हळें, तुका तो मोती कसोच मेळचोना. तुज्या गुरूक मारून ताचो जागो मात हांव तुका दीन. तुवें म्हाका वयर काडून म्हजेर खूब उपकार केल्यात. हें आयकून शिश्य भिलो. परत गेल्यार गुरू आपल्याक दवरचो ना हें ताका खबर आसलें. म्हण तो हातीमा म्हऱ्यांतच

रावलो.

ही गजाल कळटकच तो मशी तळ्या [illegible]ांत आयलो आनी हातीमाचेर तरेकवार मंत्र मारून लागलो. पूण ते मंत्र [illegible] मशींचेर पडपाक लागले, आनी मशी मरून गेलो. मागीर हातीमान शिश्याक उलय दिल्ले प्रमाण गुलबद दिलें आनी तो भुवनसुंदरी म्हऱ्यांत आयलो. तिचेकडेन लग्न जावन ताणें तिका येमेन देशांत धाडून दिली. उपरांत तो भोंवता भोंवता कागास गांवांत पावलो. थंय एका घराच्या दारार तो सोदतालो तें वाक्य बरयल्लें ताणें पळेलें. खोशेन हातीम थंयच उबो रावन तें वाक्य परत परत वाचूंक लागलो. तितल्यांत थंय त्या घरावलो मालक पावलो. हातीमान ताका सांगलें, म्हाका तुज्या धनयाक मेळूंक जाय ताणें धनयाक विचारून ताका वाड्यांत व्हेलो.

जेवण- खाण जातकीच हातिमान त्या धनयाक विचारलें, खरें उलोवपी सदां सुखी आसता, अशें तुवें दारार कित्याक बरयलां? ताणें सांगलें, म्हजें वय आठशें वर्सां. सातशें वर्सांपयलीं हांवे हें [illegible] जुवानपणांत हांवे सगळो पैसो [illegible] चोरी करपानिमतान राजवाड्यांत गेलो. थंयचें धन चोरून घेवन हांव [illegible] गेलों. थंय दुसऱ्या चोरांची टोळी धनापासत म्हाका मारूंक सोदूं लागली. हांव तांकां राजवाड्यांतल्या संपत्तीविशीं सांगतासतनाच व्हडलो आवाज जालो आनी मोड सुरू जालें, ते बरोबर सगळे चोर पांय कुल्यांक लावन पळून गेले.

थोड्या वेळान मोड थांबलें. तेन्ना एक साधू म्हाका मेळ्ळो. ताणें विचारलें, तूं पयली कोण आस्लो? हांवे म्हज्या जिवीतांत घडिल्ली सगळी गजाल ताका सांगली. मागीर ताणें म्हाका परत केन्ना जुगार खेळचों ना असो सोपूत घेवंक लायलो. आनी म्हळें, तुवें म्हाका सगळी खरी गजाल सांगली म्हूण हें सगळें धन तूं इनाम म्हणून दवरून घे. इतलें सांगून तो नाच्च जालो. वचचेपयलीं ताणें म्हाका हांव णवशें वर्सां जगतलों असो वर दिलो. त्या धनांतल्यानच हांवे हो वाडो बांदलो.
म्हजें हें वैभव म्हज्या दुस्मानांच्यान पळोवं नज जालें. तांणी कोतवालाक म्हज्या धनाची चवकशी करूंक लायली. कोतवालाक हांवे सगळी खरी गजाल सांगली. कोतवालान म्हाका राजा म्हऱ्यांत उबो केलो.

ताकाय हांवे खरी गजाल सांगली. तेन्ना राजान म्हळें, त्या साधून तुका माफ केलां म्हूण हांवूय बी मफ करतां. आज म्हाका पयलेच फावट खरें उलोवपी चोर मेळ्ळा म्हूण म्हाका खोस जाता. इतलें सागूंन राजान म्हाका आनीकय धन दिवन निरोप दिलो.

थंयच्यान घरा येतकच हांवे सगल्यांत पयलीं हें वाक्य दारार बरयलें. चवथ्या प्रस्नाची जाप मेळटकच हातिमाक खोस जाली. ताचो निरोप घेवन भुवन सुंदरीक मेळपापासत हातीम येमेन देशांत येवंक भायर सरलो. राजाचे शिमेर पावतकच मात्सो विसव घेवंक म्हणून तो एका झाडा मुळांत बसलो.

त्या झाडार एक कीर आनी मैना उलयत बशिल्लीं. मैनेन किराक म्हळें, मोगा! कितेय जावं, तूं म्हाका एकटी सोडून केन्नाच वचुंनाका आं. किरान म्हळें, तुवें कितलेय आडायल्यार हांव वतलोंच हातांत घेतिल्लें काम तडीक व्हेले जाल्यारच देव म्हजेर कृपा करतलो. तुमकां बायलांक सांगूक कितें जालां! बायलेच्या नादाक लागून एका राजानय अशेंच काम अर्दें सोडिल्लें. मागीर ताका पश्चाताप जालो. तुज्या नादाक लागल्यार म्हजीय तशीच स्थिती जातली .

किराच उलोवणें आयकून मैनेन म्हळें, आयक, एक फावट एक राजा शिकार करपा निमतान फिरत फिरत एके बागेंत आयलो. थंय एक सोबीत म्हाल आसलो आनी ताचेमुखार एक तळें आसलें. राजाक खूब पुरो जाल्लें. तोंडार मात्शे उदक मारचें म्हूण तो तळ्यांत देंवलो हात-पांय धुना आसतना ताच्या हाताक एक सरपळी लागली. ती ओडटकूच ताका बांदिल्ली एक पेट वयर सरली. अजापान ताणें पेटेकच लायिल्ले चाववेन ती उगडली. तेन्ना भितल्ल्यान एक सोबीत अस्तुरी भायर आयली.राजा गोंदळ्ळो. तें पळोवन तिणें म्हळें, हांवय तुमचेवरी मनीस, तुमी आतां सुशेगाद फराळ करात आनी मात्सो सुशेग घेयात . तिचे सांगणे प्रमाण राजा थंयच रावलो.

वचच्या वेळार राजा तिका याद म्हूण मुदी दिवपाक लागलो. तेन्ना तिणें म्हळे. ही पळे म्हजेकडेन मुदयांची माळच आसा. म्हजो घोव एक राजा ताचो म्हाका म्हजेर विश्वास ना म्हणून ताणें म्हाका पेटेंत घालून दवरलां. म्हाराज! तुमचेवरीच म्हाका आजवेर मेळिल्ल्या दादल्यांनी ह्यो मुदयो इनाम म्हणून दिल्यात. तांचीच ही माळ. तिची गजाल आयकून राजाक अजाप जालें. मागीर ते अस्तुरेक राजान तेच पेटेंत बंद केली आनी

पेट उदकांत पगत सोडून दिलीं. ही काणी सांगून किरात मैनेक म्हळें,
अस्तुरेवरी विश्वासघातकी आरोपचिना किल्यावेल्यान? हेचभ्रातीर हांव तु
नदाक लागून म्हजें काम अर्दें सोडचों ना. आता हागाच पळे, त्या झाडाप
बशिल्लो श्रेष्ठ राजा हातीम परोपकाराचें व्हडलें काम थंयच दवरून बयल
लागून येमेन देशांत वचूंक आयला. ताचें उलोवणें आयकून हातिम
येमेन देशांत वचपाचो बेत बदललो. तो शहाबाद शारांत आयलो. थंय त
मुनिरशहाक मेळ्ळो. ताका घेवन हुस्नबानूगेर वचून तागें चवथ्या प्रश्नाच
जाप तिका सांगली. मागीर बानून ताका पांचवो प्रश्न सांगलो, कोहनिदा
असो आवाज करपी पर्वताची खबर हाडप .

हातीम रोखडोच वचूंक भायर सरतालो. पूण बानून ताका आग्र
करून दोन दीस विसव घेवंक दवरून घेतलो.

## १२. पांचवो प्रश्न

पांचव्या प्रस्नाचो सोद घेवंक हातीम भायर सरलो. भोंवत भोंवत स म्हयन्यांनी सुमार हातीम एका व्हडल्या शारांत पावलो. थंय खूब लोक एकठांय राविल्ले. हातिमाक पळयतकच तांणी उलो मारून ताका म्हऱ्यांत आपयलो. म्हऱ्यांत पावतकच हातिमान पळेलें, थंय एका मनशाचें प्रेत दवरिल्लें आनी शेजरा जेवणाची तयारी चलताली. तें पळोवन अजापान ताणें हें कितें चल्लां हांगा ? अशें विचारलें. तांच्यांतल्या एकल्यान सांगलें, आमच्यांत कोणय मरतकच, ताच्या इश्टांनी शारा भायर जेवणाची तयारी करप ; जो पयलो भोंवडेकार येता, ताका वाडटकच मागीर सगल्यांनी जेवपाचें अशी आमची रीत. आज सात दीस जाले आमी भोंवडेकाराची वाट पळयताले. दिस्त आज तुमी मेळळे . आतां तुमी पयलीं जेवात .

हातिमान अजापान विचारलें, समजा एक म्हयनोभर कोण्ण भोवडेकार मेळळो ना जाल्यार तुमी कितें करतात ? तांणी सांगलें अशें चड करून केन्ना जायना. जालेंच जाल्यार पंदरा दीस मेरेन वाट पळोवन आमी जेवतात . अशें सांगून तांणी तें प्रेत गादयेर दवरलें. ताका सात प्रदक्षणा घालून तांणी हातिमाक जेवण जेवपाचो आग्रो केलो. हातीम जेवतकच तेय जेवले आनी उपरांत तांणी तें प्रेत पुरलें.

हातिमाची किर्त ह्या राज्याच्या राजान लेगीत आयकल्ली. तो आपल्या शारांत पावला हें कळटच राजान ताका आपोवन ताचो भोंमान केलो. राजान हातिमाक भोंवडेचें कारण विचारलें. हातिमान सगळी गजाल सांगली. राजाक भुगोलाचें बरें गिन्यान आशिल्लें. हातिमान 'कोहनिदा आवाज येवपी पर्वताची खबर जाय म्हणटकच राजान सांगलें, दत्तीण दिकेक आशिल्ल्या झलमद नांवाच्या राज्या शेजरा हो पर्वत आसा. ताचे म्हऱ्यांत नैडा नांवाचें शार आसा. थंयचे रयतेक कसल्याय रोगाचो, मरणाचो मातय अणभव ना . राजान सांगिल्ली खबर आयकून तांचो निरोप घेवन हातीम थंयच्यान भायर सरलो.

वतां वतां ताका एक शार मेळळें. थंय ताणें पर्वताविशीं विचारलें, पूण कोणेंच कांय सांगलें ना. मात एका मनशान ताका आपल्या घरा व्हेलो. त्या गांवात एक मनीस बरो नासलो. ताका मारून ताच्या सोयऱ्यांनी ताचे मास आपसांत वांटून घेतलें. तांतलें थोडें मास हातीम जागेर राविल्लो.

ताच्या वांट्याक आयिल्लें. जेवंक बसतकच त्या मनशान म्हळें, असें सुवादीक मास तुवें जल्मांत केन्ना खावंक ना जातल्लें हें कसल्या जनावराचें मास ? हातिमान उत्सुकतायेन विचारलें. तशें ताणें सांगलें. हें मनशाचें मास . ताची जाप आयकून हातीम भिलो. थंय नरबळी दितात जातले हें चिंतून तो थंयच्यान धांवन सुटलो. त्या राज्यापसून पयस पावतकच हातीम थांबलो. ताका खूब पुरो जाल्लें. भूकय लागिल्ली. थंयचीं कंदमुळां खावन ताणें आपली भूक भागयली. फुडें - वतकच ताका एकेकडेन उजो पेटिल्लो दिसलो. थंय शेजरा बसून कांय लोक रडटाले कारण विचारतकच तांणी सांगलें, घोव मरतकूच बायल ताचे वांगडा सती वता. ती जितीं जळटा ती पळोवन आमी हांगा रडटात . केन्नाच आयकूंक नाशिल्ली ती गजाल आयकून अजाप करीत हातिम फुडें गेलो.

कांय दिसांनी तो एका रानांत पावलो. थंयचीं सगळीं जनावरां धांवतालीं. उज्यावरी दोळे आशिल्लें आनी लांबचे - लांब शेंपडी आशिल्लें एक जनावर तांचे फाटल्यान धांवतालें.

तें जनावर आपल्या आंगार येत म्हूण हातीम तलवार हातांत घेवन एका झाडार चडलो. तेन्नाच त्या जनावरान आपले शेंपडेन तें झाड सकल उडयलें. आनी हातिमाचेर झुडून गेलें. हातीम तलवार घेवन. तयारेंत आसलो. ताणें हुशारकायेन तलवारीच्या एका घावान त्या जनावराक मारून उडयलें. ताचीं बोचकुलां दांत, कान आनी शेंपडी कापून घेवन हातीम फुडें वचूंक लागलो.

मुखार ताका सरभोंवतणीं कोट आशिल्लें एक शारं लागलें, तो भितर गेलो. थंयच्यान रस्त्यावेल्यान चलतना खंयच मनशां दिसनासलीं. मनांतल्यान अजापा करीत वतां वतां तो राजवाड्यालागसार पावलो. राजवाड्यांत लिपून बशिल्ल्या राजान हातिमाक पळेलो आनी ताका बेगिबेगीन भितर आपयलो. अजापांत बुडिल्ल्या हातिमान ताका लिपपाचें कारण विचारलें.

राजान सांगलें, ह्या शारांत एक भयांकृत जनावर आयलां आनी लोकांक मारून उडयता. म्हूण लोक जीव मुठींत घेवन पळून गेले. आमीय तेच पासत लिपून बसल्यात. तेन्ना हातिमान आपणें त्या जनावराक मारून उडयलां म्हणपाचें सांगलें आनी ताचे अवयव दाखयले. तें पळोवन राजाक खूब खोस जाली. ताणें रोखडेंच आपल्या सेवकांक धाडून त्या जनावराक

हातिमान मारून उडयलां म्हणपाची खबर सगल्यांक सांगूंक लायली. सेवकांनी राज्यांत फिरून दवंडी पेटली. ते बरोबर पळून गेल्ले लोक परत आयले.

कांय दीस राजवाड्यांत रावन हातीम नैडा पर्वताकडेन वचूंक भायर सरलो. राजान ताका म्हळें, आतां हांव सामको थकलां, म्हाका पूत ना; आसा ती एक चली. तुजेकडेन तिचें लग्न करून, तुका म्हजें राज्य दिवचें अशी म्हजी इत्सा. हातिमान बरेतरेन राजाक सांगलें, म्हाराज ! हांव ज्या कार्याक भायर सरलां तें काम पूर्ण जाल्या शिवाय हांव आनीक कसलोच विचार करूंक शकना . हातिमाचे जापेन राजा निरांश जालो. ताणें वाट दाखोवपापासत हातिमाक कांय शिपाय दिवन ताका निरोप दिलो.

नैडा शारांत पावतकच हातीम थंयच्या राजाक मेळ्ळो. हातिमाची खबर आयकून राजान म्हळें; तूं कांय दीस हांगाच राव, म्हणटकच तुका [illegible] .

[illegible] जाणाकडेन वळख जाली. ताचे [illegible] वतालं. एक दीस ताणे नैडा पर्वताविशीं एकल्याकडेन चवकशी केली. तेन्ना ताणें म्हळें, तो पळे नैडा पर्वत, तुजे मुखारच आसा . तेन्नाच व्हडलो आवाज जालो. थंयचो एक मनीस कांय खीण चित्रासारको उबो रावलो. थोड्या वेळान तो पर्वताकडेन वचूंक लागलो. ताचेवांगडाच्या लोकांनी ताका धरपाचो यत्न [illegible] ना.

तो मनीस फुडें फुडें वचूंक लागलो. [illegible] विचारतकच थंयच्या मनशांनी हातीमाक सांगलें, ज्या मनशाक काळाचें आपोवणें येता तोच मनीस त्या पर्वताकडेन वता. तो काळ म्हणजे वोदोळ जाल्लो मोठ्ठो आवाज . तो आवाज कोणें केल्लों? हातिमान विचारलें तांणी म्हळें, तें त्याच मनशाक विचार . हातीम रोखडोच त्या मनशा फाटल्यान धांवलो. आनी ताका विचारलें, इश्टा! तो आवाज कोणें केल्लो ? तो मनीस हातिमान जाप दिनासतना धांवत वचून नाच्च जालो. हे घडणुके उपरांत थोडया वेळान तो पर्वतय ना जालो. त्या जाग्यार एक घोडो दिसूंक लागलो. हो चमत्कार पळोवन हातीम परतलो. परत यो जाल्यार पर्वन आशिल्लेवटेन तोंड करून सगळो लोक उबो आसलो, आनी उलयतालो, मागीर सगळे लोक मोन्यांनी घरा गेले.

कांय दिसां उपरांत एक फावट हातीम एका मनशाकडेन उलयतालो. इतल्यांत नैडा पर्वतांतल्यान व्हडल्यान आवाज जालो. रोखडोच तो मनीस त्या पर्वताकडेन वचूंक लागलों. हातिमान वेळ काडिनासतना त्या मनशाचो हात घट्ट धरलो आनी तो ताचे वांगडा वचूंक लागलो. वतां वतां हातीम ताचेकडेन उलोवचो यत्न करूंक लागलो. पूण तो ओग्गी आशिल्लो. मात्सो मुखार वतकच हातीमाचो हात झिडपटावन तो पर्वताकडेन धांवूंक लागलो. हातिमान हुशारकायेन ताका परत गांठलो. मागीर ते दोगूय जाण पर्वताच्या मध्यार सुमार पावतकच पर्वताचे दोन भाग जाले. ते खाचींत ते भितर सरतकच खांच बंद जाली.

थंयच्यान मुखार वतना तांकां एक पांचवेंच मळ लागलें. तें सोंपतकच काळें मळ लागलें. थंय कबर कसो एक चिरो आसलो. ताचेर तो मनीस न्हिदलो. तेबरोबर तो मेलो. तेन्नाच तो चिरो त्या मनशासकट जमनी भितर गेलो.

तो चमत्कार पळोवन हातीम थंयच्यान फुडें सरलो. वतां वतां तो दर्यादेगेर पावलो. तेन्ना दर्या खूब खवदळिल्लो. हातीमाक मुखार कांयच दिसना जालें. थोड्यावेळान दर्या शांत जातकच ताका एक तारूं दिसलें. तातूंत एक जलदेवता तयार जाली. तिणें हातिमाक म्हळें, तूं ह्या तारवांत येवन बस म्हणटकच तुजी थंयच्यान सुटका जातली .

हातीम तारवांत चडलो, ताका थंय उदक आनी खावंक मेळळें अशे तरेन सात दीस प्रवास करतकच तें तारू एका पर्वताकडेन पावलें. हातीम थंय देंवलो.

तो पर्वत हुपून वतकच ताका तांबडो दर्या दिसलो. दर्याचे देगेवेल्यान तो मुखार वचूंक लागलो. भूक लागतकच तो सुकणीं मारून खातालो. तान लागतकच वाटेर मेळिल्ल्या वजऱ्यांचें उदक पियेतालो. रातचो खंयच्याय झाडामुळांत विसव घेतालो. अशे तरेन वतां वतां ताका किरमिजी, जांबळो, पांचवो आनी निळो दर्या मेळळो, दर्या अशे सोपचनात तें पळोवन हातीमाक दिसलें, आपूण आनी आपल्या देसांत केन्नाच पावचों ना. मुनीर शहाक दिल्लें उतर पूर्ण करूंक शकना हाचें ताका चड वायट दिसलें. तरीय जिवांत जीव आसा सर यत्न करप असो ताणें निशचेव केलो.

कांय दिसांनी रुप्यांचीं ल्हारां आशिल्ले दर्या देगेर तो पावलो. उदक इल्लें पियेतलो म्हण उदकांत हात घालतकच ताचे हात रुप्याचे जाले.

हात परत कशे सारके जातले हे विशीं चिंतीत तो देगेर बसलो. तेन्ना दर्यांत एक तारूं आयलें.

हातीम त्या तारवार चडलो. तारूं मुखार वचूंक लागलें. तो दर्या हुपून तें तारूं एका विचित्र देशाचे देगेक लागलें. हातीम देंवलो आनी तो वाटार पळयत मुखार वचूंक लागलो. थंय तरेकवार आकाराचे जायते खंड आसले. बरे पारखिनकच तीं हिरे माणकां म्हणपाचें ताका कळ्ळें तांतलें थोडे घेवन मुखार वतना ताका मोलादीक रत्नां दिसलीं. खडे उडोवन ताणें तीं रत्नां घेतलीं. मात्सो मुखार पावतकच ताका एक झर दिसली. तिच्या उदकांत हात घालतकच ताचे हात पयली वरी जाले.

मागीर देवाचें नांव घेवन तो थंयच न्हिदलो. उठ्ठकच ताका थंय शिंवाचें तोंड आशिल्लें मनशावरी काय प्राणी दिसले. हातीमान रोखडेंच आपलें धनुष्यबाण तयार दवरलें. तें पळोवन तांणी म्हळें, आरे हातीम, तुजे राखणेपासत आमचो जीव कित्याक घेता? हातीमान रोखडेंच धणू जाग्यार दवरलें.

तांणी म्हळें, तुजे सारक्या दयाळू आनी परोपकारी म्हूण नामना मेळिल्ल्या मनशान दुसऱ्याच्यो वस्तू विचारले शिवाय घेवप योग्य न्हय . तेन्ना हातीमान म्हळें, देवान ज्यो वस्तू निर्मिल्यात ताचेर सगल्यांचो सारको हक्क आसा. दर्यांतलें पोसोभर उदक घेतलें म्हूण हांव चोर जायना, आनी हीं थोडीं रत्नां घेतलीं म्हूण गुन्यांवकारय जायना. हीं रत्नां हांव लोकांकच वांट्टलों कळ्ळें?

आरे हातीम तें कितेंय आसूं पूण तुका ह्या वस्तूंच्या मोहाक लागून हांगाच्यान सुटका मेळचीना. तुज्या बऱ्या पासत सांगतां हात . तांचें सांगणे आयकून हातीमान रत्नां भायर उडयलीं. मागीर त्या विचित्र प्राण्यांनी झरीकडेन पावतकच हातीमाक तीन रत्नां, एक हिरो आनी एक माणीक अशे पांच जवाहीर दिले आनी सांगलें, हाचे शिवाय तुवें चड कितेंय घेतलें जाल्यार संकश्टांत पडटलो . हातीमान तांकां आपल्या देशाचो मार्ग विचारलो. तांणी म्हळें. आजवेरचे भोंवडेंत जाणें तुका आदार केला तोच तुका ह्याय वेळार आदार करतलो. आजवेर हांगा आयिल्ले कोणच परत जितें वचूंक नात.

फकत तीनच श्रेश्ठ दादले आपल्या मायघरा परतल्यात. तुज्या हातान जायतीं बरीं कामां जावपाचीं आसात. म्हणून तूं जितो उरला.

आतां वतना तुका भांगराचो, तांबडो आनी मागीर हळडुवो अशे दर्ये मेळटले. मागीर तूं तुज्या मायघरा पावतल्लो. इतलें म्हणून तें प्राणी गुप्त जालें.

हातीम देवाचे उपकार आठयत मुखार वचूंक लागलो. वाटेर ताका भांगराचो दर्यो मेळ्ळो. थंयचीं झाडां, फुलां, फळां, वझ्रां सगळें भांगरा कोरांचें आसलें. मात्सो मुखार वतकच ताका एक बाग दिसलो. तातूंतल्या भांगरा सोप्यार हातीम विसव घेवंक बसलो. रात जातकच थंय खूब गंधर्व – सुंदऱ्यो आयल्यो. हातिमान तांची चवकशी केल्ली. तांणीं सांगलें, शृंगार सुंदरी नांवाचे राणयेचें हें राज्य. आमी तिच्यो दासी. थोड्यावेळान खूबच सुंदर कशी शृंगारसुंदरी थंय आयली. तिचें रूप पळोवन हातीम साबूद्दी भायर पावलो.

तो सावध जायना तें पळोवन राणयेन ताका आपल्या म्हाल्लांत व्हेलो. थंय ताचेर उपचार करतकच तो सावचीत जालो. मागीर ताणें राणयेक आपूण कोण आनी थंय कसो पावलो तें सांगलें.

हातीम पाविल्लो त्या प्रदेशाचें नांव अमरावती आसलें. तो मेरू पर्वताचोच एक भाग आसलो. थंय तो पांच दीस मेरेन रावलो. मागीर राणयेचो निरोप घेवन भायर सरलो. भांगराच्या दर्यादेगेर पावतकच ताका एक तारूं दिसलें. त्या तारवांत बसून ताणें दर्यो हुंपलो. ताका थंय रेंवट प्रदेस लागलो. थंय हून ल्हारां येतालीं. तीं उज्यावरी भगभगीत दिसतालीं. तो सामको कासावीस जालो. इतल्यांत पयलीं मेळिल्लें ते प्राणी ताका थंय मेळळे. तांणी ताका एक मंत्रायल्लो मोती दिलो आनी सांगलें, हो तोंडांत धर, म्हणटकच तुका तान, भूक उजो हांचो केन्नाच त्रास जावचो ना .

थंयच्यान मुखार वतां वतां ताका रसरसल्या उज्यान भरिल्लो एक भयांकृत दर्यो मेळळो. तातूंतय एक तारूं आसलें. तो मणी तोंडांत दवरून हातीम त्या तारवांत बसून मुखार गेलो. पंदरा दीस प्रवास करतकच ताका जमीन लागली. थंय देंवन ताणें एका शेतकामत्याक तो खंयचो प्रदेश तो विचारलो. ताणें सांगलें, हो येमेन देश. हाचेर नई राजा राज्य करता. ताका हातीम नांवाचो पूत आसा. तो लोकांचेर उपकार करपापासत भायर सरला.

ताची खबर आयकून हांसून हातीमान आपूणच तो राजकुंवर म्हूण वळख करून दिली. शेतकारान ताका भाकरी आनी उदक दिलें. थंय मात्सो विसव घेवन हातीमान ताका सांगलें, हातांत घेतिल्लें काम पूर्ण करून हांव

रोखडोच घरा येतल्लों अशें म्हज्या बाबाक, नईगजाक सांग.

थंयच्च्यान तो शंहाबाद शारांत आयलो. मुनिरशहाक मेळून ताका घेवन तो हुस्नबानूगेर गेलो. तिका कोहनिदा पर्वताकडेन घडिल्ली सगळी घडणूक सांगली.

दोन दीस शहाबादेंत विसव घेवन ताणें सतो प्रस्न हुस्नबानूक विचारलो. तिणें सांगलें, म्हजेकडेन पाणकोंबयेच्या तांतयाच्या आकाराचो मोती आसा. तसलोच दुसरो तुंवे हाडूंक जाय .

सत्या प्रस्नाचो सोद घेवंक हातीम भायर सरलो.

# १३. सवो प्रश्न

सव्या प्रश्नाची जाप सोदपा पासत [illegible] [illegible] शारांतल्यान भायर सरलो. भोंवनां भोंवनां तो एका रानांत [illegible]. [illegible] जाल्ल्यान थंयच एका झाडा मुळांत बसलो.

त्या झाडार राजहंसाचो जोडो बशिल्लो. ताणी हातिमाक सकल बशिल्लो पळयलो. तांतल्या मादी राजहंसान नर राजहंसाक विचारलें, ह्या अशा रानांत हो झाडामुळांत कोण बसला? राजहंसान सांगलें, जाची कीर्त मृत्युलोकांतच न्हय तर सर्गांत लेगीत पातळल्या तो हातीम नांवाचो परोपकारी राजकुंवर. आतां तो तांतया येदें मोतीं हाडूंक भायर सरला .
 तांतया येदो मोती? मादी राजहंसान अजापान विचारलें.
राजहंसान तिका त्या मोतयाची सगळी काणी सांगली. ब्रह्मदेवान मोतयांवरी तांतयां घालपाची दैवी शक्त राजहंसाक दिल्ली. पूण त्या कलियुगांत आमची ती शक्त ना – नपश्यात जावन गेल्या. पयलीं घाल्ल्या तांतयांतलीं दोनच तांतयां उरल्यांत. सात समुद्रा पेल्यान गंगापूर नांवाचें एक शार आसा. थंयच्या सूर्यकांत नांवाच्या राजान दर्याची मनांतल्यान प्रार्थना केली. तेन्ना दर्या ताचेर प्रसन्न जावन ताका तीं दोनय मोतयां दिलीं. कांय दिसां उपरांत दुसऱ्या एका राजान सूर्यकांत राजाक जिवानिशीं मारलो आनी तांतलें एक मोतीं फारायलें.

एका राजाकडल्यान दुसऱ्याकडेन, ताचेकडल्यांन तिसऱ्याकडेन अशें करत करत सधा तें मोतीं बरझाक शारांत रावपी हुस्नबानू नांवाचे सोबीत अस्तुरेकडेन आसा .
 आनी दुसरें मोती? मादी राजहंसान उमळशिकेन विचारलें. राजहंसान म्हळें, सांगतां सांगतां, आयक, दुसरें मोतीं सूर्यकांताचे राणयेकडेन आशिल्लें. राजाक जितो मारिल्लो तेन्ना ती गुरवार आशिल्ली. दुस्मानाच्या भंयान पळून वतना तिणें तें आपलें वांगडा व्हेलें. वतां वतां ती एका अटंग्या रानांत पावली. मुखार वचूंक तिका रस्तो मेळना जालो. तेन्ना ती रडत – रडत वाट मेळटा तशी वचूंक लागली. थोडे दीस चलून वतकच ती दर्यादेगेर पावली. तिच्या बऱ्या नशिबान दिस्तनच थंय कृपासागर नांवाचो वेपारी आयलो. तिची दैना पळोवन ताका काकूट आयली. ताणें तिका आपल्या तारवार हाडली. तो आपलो जलप्रवास सोंपोवन घरा येतासर राणी बाळांत जावन तिका पूत

जालो.

कृपासागर वेपाऱ्याक चलो नासलो. ईश्वराचे कृपेन आपल्याक हो प्रसाद मेळ्ळो अशें समजून ताका खोशी जाली. ल्हान आसतनाच ताणें ताका एका विव्दानाकडेन शिकपापासत दवरलो. त्या विव्दानान ताका सगळे विद्येंत तरबेज केलो. ताची बुदद आनी पराक्रम पळोवन कृपासागरान ताका आपलो वारस थारायलो. कांय दिसांनी सादें बरें नाशिल्ल्याचें नीब जावन कृपासागर मेलो.

कृपासागर हो मुळचो मांडलीक राजा आसलो. ताणें एका गुणी भुरग्याक आपलो वारस थारायला तें पळोवन ताचे रयतेकूय खोस जाली. तांणी ताका राजा म्हूण मानून घेतलो. मुखार कांय दिसां उपरांत पैंगबर शक सुरू जालो. तेन्ना हेर राजांवरी ताचेंय राज्य नानपश्यात जालें. उपरांत तें मोतीं एके गंधर्व अस्तुरेकडेन मेळ्ळें. तिणें तें आपल्या पुताक विरूपात्ताक दिलें. ताणें आतां प्रतिज्ञा केल्या, जो त्या मोतयाचो जल्मापसूनचो इतिहास सांगतलो ताकाच तो आपली धूव आनी तें एक मोतीं दितलो. रमल विद्येच्या आदारान भूत-भविश्य सगळें ताका कळटा. ती विद्या विरूपक्षाक खबर आसा. म्हूण फकत विरूपक्षाकच त्या मोतयाचो खरो इतिहास खबर आसा.

कलियुगांत अशे तरेचीं मोतयां तयार जालींच नात. आतां तांचेविशीं कोणाकच खबर ना. पूण आयज हांवें ही सगळी गजाल तुका ओगी सांगुंना .

तेंच म्हणटाली हांव. आज ही गजाल तुवें म्हाका कित्याक सांगल्या? मादी राजहंसान म्हळें, कित्याक जाणा, हया झाडासकल बशिल्ल्या परोपकारी हातिमाक ती कळची आनी ताचें काम सोंपें जावचें म्हूण . राजहंसान म्हळें. मादी राजहंसान रोखडेंच विचारलें, आरे, पूण हांगच्यान हातीम बरझाक शारांत कसो वतलो? तुका खबरच आसा हो रस्तो कितलो भंयाकृत तो ? राजहंसान हांसून म्हळें, ताची चिंता तुका कित्याक ? खासा ईश्वरच ताचो फाट – राखणो आसा. तरीकय म्हजीं कांय पाखां हांव ताका दितां . अशें म्हणून ताणें आंग फाफुडलें. तशीं कांय पाखां सकयल पडलीं.

उपरांत हंसान म्हळें, वाटेर काफ पर्वता लागींच रानांतल्यान वतना हांतलीं पाचव्या रंगांचीं पाखां लासून तांचो गोबोर उदकांत खिरोवन आंगाक

लावचो. ताच्या उग्र वासान ताका रानोस्ताची सया मारतली. ताका लागून त्या रानांतलीं भयांकृन जनावरां आनी राकेसा पसून ताची राखण जातली आनी धवीं पाखां लासून तांचो गोबोर उदकांत खिरोवन लायल्यार तो पयलींवरी जातलो .

इतलो वेळ ओररी रावन हातीम राजहंसाचें उलोवणें आयकतालो. ताका सुकण्यांची भास कळटाली, ताणें सकयल्ल पडिल्लीं सगळीं पाखां एकठांय करून बरीं करून बांदून दवरलीं. इतले म्हणसर फांतोड जाली. तो राजहंसाचो जोडो मानस सरोवराकडेन गेलो.

दीस मात्सो वयर सरतकच हातीम फुडले भोंवडेक भायर सरलो. खूब वेळ चलून पुरो जातकच तो एका झाडामुळांत बसलो. उबगून ताणें म्हळें, देवा! हया अडचणीच्या वेळार म्हाका कोणाचोच आदार जावचो ना काय ? ताणें अशें म्हळ्या बरोबर व्हडलो आवाज जालो. आवाज आयकून हातीम आवाजाचे दिकेन फुडें सरलो. मात्सो फुडें वतकच ताणें एक कोली आपली तकली फातरार आपटून घेता ती पळयली. ताका तिची काकूट दिसली.

हातिमान मायेस्त आवाजान तिका विचारलें, किते जालें? तिणें रडत रडत ताका सांगलें, आतांच एका पारध्यान म्हज्या घोवाक आनी पिलांक व्हेल्यांत. हातिमान तिका धीर दिलो, आनी म्हळें, चल यो, म्हाका त्या पारध्याचें घर दाखय. हांव ताचेकडल्यान तुज्या घोवाक आनी पिलांक सोडोवन हाडटां. ते बरोबर कोलयेन म्हळें, ना रे बाबा तुमच्या असल्या मनशांचेर विश्वास दवरून हांव म्हजी माकडिणीवरी दशा करून घेवची ना माकडिणीचें किते जालें? हातिमान विचारलें. कोलयेन आपलीं दुकां पुसलीं आनी माकडिणीची खबर सांगली.

गोदावरीचे देगेर एक माकडीण आपलीं पिलां आनी घोवा सांगातान रावताली. एक दीस एका पारध्यान तिच्या पिलांक आनी माकडाक धरून व्हेलो. दुःखान पिशी जाल्ले माकडिणीन कोतवालाकडेन वचून आपली गजाल सांगली. कोतवालान शिपायांक धाडून त्या पारध्याक धरून हाडपाक लायलो. पारध्याक हाडटकच कोतवालान म्हळें, मुर्खा ! माकडिणीच्या पिलांक आनी माकडाक सोडून दी.

पारध्यान रोखंडेच सांगलें, म्हाराज! दोन दिसा पयलीं माकड आनी

पिलां हांवे तुकाच हाडून विकल्यांत . तें आयकून कोतवालान ते माकडिणीकय बंद करून दवरूंक सांगलें .

कोलयेची खबर आयकून हातिमान तिका म्हळें, तूं भियेवंनाका, हांव त्या कोतवालावरी न्हय. विश्वास दवर . ताचेर पातयेवन कोलयेन ताका पारध्याच्या घराकडेन व्हेलो. हातीम ताच्या घरांत गेलो आनी म्हळें, म्हजे सांदे खूब दुखतात कोल्याच्या रगतान न्हाल्यार हांव बरो जातलों अशें वैजान सांगलां. तुजेकडेन कोले मेळतात अशें हांवें आयकलां. तुजेकडेन जितले कोले आसात तांचे पैशे सांग. पारध्यान खोशेन आपलेकडेचे सातय कोले ताका दिवन मोल सांगले. ताणें सांगिल्लेपरस चडच मोल दिवन हातीमान कोले घेतले.

तांतले एका कोल्याक चडच घट्ट बांदून दवरिल्लो . ताका लागून तो सामको मरूंक पाविल्लो. तोच कोलयेचो घोव आसलो. तिणें ताका बेगिबेगीन सोड्यलो आनी हातीमाक सांगले, हो बरो जातलो जाल्यार हाका एक पेलो भर मनशाचें रगत जाय. हातीमान आपलेंच पेलोभर रगत काडून ताका पिवयलें.

कोलो बरो जातकच हातीम थंयच्यान फुड्ले वाटेक लागलो. खूब दिसांनी ताका एक रेंवट मळ लागलें. थंयच्यान वतना ताका खूब तान लागली. मात्सो मुखार वतकच ताका एक वझरो दिसलो. पूण थंय एक व्हडलो सोरोप आशिल्लो. ताका पळोवन हातीम फाटीं सरलो. तेन्नाच त्या सोरपान मनशावरी उलोवन ताका सांगलें, आरे हातीमा ! ओगीच भिवंनाका. तुजी तान भागय. मागीर म्हजेवांगडा यो .

पोटभर उदक पियेवन देवाचर भरवंसो दवरून हातीम त्या सोरपावांगडा गेलो. थोडो वेळ चलतकच ते दोगय एके सोबीत अशे बागेंत पावले. तळ्या देगेर हातीमाक विसव घेतंक सांगून ताणें त्या तळ्यांत उडी मारली आनी तो नाच्च जालो. तें पळोवन हातीमाक अजाप जालें. थयचें सोबीत सैम तोखेत हातीम थंयच आड पडलो. इतल्यांत हातांत भांगराचीं आयदनां घेतिल्ल्यो कांय गंधर्व अस्तुऱ्यो भायर सरल्यो. हतीमा म्हऱ्यांत येवन तांणी सांगलें. ज्या मनशान, तुमकां हांगा हाडल्यान, ताणें धाडिल्ली ही भेट घेयात.

इतल्यांत त्या तळ्यांतल्यान आनीकय कांय अस्तुऱ्यो मोलादीक रत्नां माणक्यांनी भरिल्लीं ताटां घेवन वयर आयल्यो. तांचे फाटोफाट सुरबूस

अशा जेवणान भरील्लीं ताटां घेवन वयर कांय अस्नुऱ्यो आयल्यो तें सगळें पळोवन हातीमान तांकां म्हळें, हें पळयान सुंदऱ्यांनी म्हाका खंयच्याय मनशान हांगा हाडुंना. तुमकां तशें दिसना जाल्यार त्या मनशाक हांगा हाडात. तो आयले शिवाय हांव हांतलें कांय एक घेवचों ना .

तें आयकून त्यो आपले भितर फुतफुतूंक लागल्यो. तितल्यांत त्या तळ्यांतल्यान एक सोबीत गंधर्व भायर आयलो. हातीमा म्हऱ्यांत येवन ताणें नमस्कार केलो आनी म्हळें, तुमी म्हाका वळखलें नात? वोटोळ त्या वझऱ्या वेल्यान तुमका हांगा कोणें हाडलें? एका सोरपान, हातीमान गोंदळिल्ल्या सुरान सांगलें. तशें जाल्यार तोच आतां तुमचेमुखार उबो आसा . गंधर्वाचें उलोवप आयकून हातीमान अजापान विचारलें, तुमच्या दोनय रूपांनी इतलें अजापाचें वेगळेपण कशें? गंधर्वान ताका म्हळें, पयलीं तुमी इतल्या दिसांची भूक भागयात. मागीर हांव म्हजी गजाल सांगतां .

मागीर दोगय जाण बरे भाशेन फकाणां मौजो करत जेवले. थोडो वेळ विसव घेतले उपरांत हातीमान ताका खबर विचारली. गंधर्वान सांगलें.

म्हजें नांव वीरसींह. हांव गंधर्व राजाचो सरसेनापती. एक फावट विमानांतल्यान भोंवतना आमच्या म्हाराजांचे राज्य सुनल्लावचें असो एक वायट विचार म्हज्या मनांत आयलो. तेन्ना म्हज्या हाताखालच्या सैनिकांक फितूर करून हांवें एक कट रचलो. पूण त्या कटाची सुलूस गंधर्व राजाक लागली. ताणें म्हजे सकट सगल्या सैनिकांक मंत्राच्या बळार सोरोप करून सोडले.

म्हजी अशी विटंबणा पळोवन म्हाका म्हजे करणेचो पश्चाताप जालो. उपरांत हांव रानावनांतल्यान हेडत मठा म्हऱ्यांत पावलों. त्या मठांत एक सिध्दपुरूस आसलो. हांवें म्हजी फाटलीं सगळीं पानकां ताका सांगलीं तेन्ना त्या स्वाम्यान म्हळें, जेन्ना येमेन देशाचो परोपकारी राजकुंवर हतीम हाका तूं पळयतलो, तेन्ना तुजेसकट तुजे सगल्या सेनेचो उध्दार जातलो. तें आयकून आज कितलींशींच वर्सां जालीं हांव हे बागेंत तुजी वाट पळेतां, आयज तो भांगराळो दीस उदेलो. तुमी मेळटकच तुमकां आपल्या मठांत हाड अशें स्वामीन सांगलां, तेन्ना आतां म्हजेवांगडा मठांत येयात. अजापान बुडिल्लो हातीम ताचेवांगडा वचूंक लागलो.

मागीर मठांत वचून त्या स्वामीची भेट घेतकच गंधर्वान हातीमाक सांगलें,
तुमी म्हजेर व्हड उपकार केल्यात. तुमचे उपकार आठोवंक म्हजेकडेन
उतरां नात. तुमी खंय वचूंक भायर सरल्यात तें म्हाका सांगशात ?

हातीमान ताका तांतयां आकाराचे मोती हाडूंक भायर सरलां म्हणपाचें सांगलें. गंधर्वान म्हळें, पूण वाटेर जायत्यो भयांकत राकेसांच्यो वस्ती आशिल्ल्यान थंय वचप महाकठीण काम. हातीमान म्हळें, कितल्येय त्रास जाले तरी हांव आतां फाटीं सरचों ना, हातीमाचो निश्चेव पळोवन गंधर्वान आपल्या सरदाराक म्हळें, हया म्हान मनशान आमची भयानक योनींतल्यान सुटका केल्या. तेन्ना ताचे वांगडा वचून तुमी ताची राखण करात .
हातीम खंय वतलो हें कळटकच सरदारान भियेवन सांगलें म्हाराज ! तुमच्या हुकमा प्रमाण हांव तांचे वांगडां वतां, पूण वाटेर जिवघेणीं अरिश्टां आयल्यार तुमी आदाराक येवचें पडटलें . गंधर्वान ताका येवपाचें उत्तर दिलें. तसो तो सरदार आपल्या सैन्याक घेवन हातीमावांगडा वचूंक तयार जालो. वाट बरीच पयसुल्ली आशिल्ल्यान ते विमान घेवन भायर सरले. सेगीत तीन दीस ते प्रवास करताले. तांकां खूब पुरोय जाल्लें आनी भूक्रय लागिल्ली. तांणी विमान सकल देंवयलें आनी दोन सेवकांक खावपाक हाडूंक धाडले.

ते विमानान जंय देंविल्ले तो जागो राकेसांचो आसलो. थोड्याच वेळान थंय जायते राकेस आयले आनी तांणी विमानाचेर ताबो मेळयलो. हातीमाच्या राखणदारांनी तांकां आडावपाचो खूब यत्न केलो. पूण राकेसांमुखार तांचें कांय एक चल्लें ना. राकेसांनी हातीमाक आनी सेवकांक बंदी करून आपल्या राजामुखार उबे केले. राजान तांकां खंयच्यान आयल्यात तें विचारल्लें. तें बरोबर एका सेवकान म्हळें, पयलीं हया म्हान मनशाक मेकळो करात. ना जाल्यार तुमकां खूब त्रास जातलो . ताचें उलोवणें आयकून राकेस राजा संतापलो. ताणें सगल्यांक बंदखणींत घालूंक लायले.

हेवट्यान कितें जालें विमान देंवयल्लें थंय ते दोनय सेवक खावंक घेवन आयले. थंय कोण नासले. पयस एक राकेस मात बेशुध्द जावन पडिल्लो. ताचेर उदक मारून तांणी ताका सावचीत केलो. उपरांत ताका हातीमाविशीं विचारलें. हातीमाक तांच्या राजा म्हऱ्यांत व्हेला म्हणपाचें सांगलें. ते बरोबर सेवकांनी त्या राकेसाक बंदी करून वीरसिंहा मुखार

हाडून उबो केल्लो. तांकां पळोवन वीरसिंहान तापून - विचारलें,
तुमी अशे मर्दांच किल्याक धरतले ? हो कोण हाडल्लो तुमी वांगडा ?
सेवकांनी थंय घडिल्ली सगळी गजाल सांगली. तीं आयकून वीरसिंहान
रागानच राकेसाक विचारलें, ल्या म्हान तिरंक आनी म्हज्या सेवकांक तूं
किल्याक बंदी केले? राकेसान भियेवन म्हळें, म्हाराज! हे लोक तुमचे
म्हूण आमकां कशें कळचें ? ते शिवाय तुमी पयलींवरी जाल्यात हें अजून
कोणाकच खबर ना .

रोखडोच वीरसिंह आपलें सैन्य घेवन मळबा वटेंन राकेस राज्याच्या
शिमेर देंवलो. ताच्या हेरांनी राकेस राजा शिकारेक गेला म्हणपाची खबर
हाडली. तेन्ना वीरसींह राकेसांच्या राज्यांत भितर सरून जायल्ल्या राकेसाक
मारले. तेन्नाच राकेसांचो राजा परतो आयलो. ताका बंदी करून सेवकांनी
ताका वीरसिंहामुखार उबो केल्लो. वीरसिंहान ताका हातीसाची खबर विचारली.
राकेस राजान ताका परत्या परत्यो जापो दिल्यो. तेन्ना संतापून वीरसिंहान
उजो पेटोवन तातूंत राकेस, राजाक लासून मारूंक सांगलें. ते बरोबर
राकेसाची भियेवन गुळी जाली. ताणें वीरसिंहाच्या हातापांया पडून सांगलें,
म्हाराज ! हांव तुमकां पांयां पडटां, म्हाका जिवदान दियात. हांव तुमकां
सगळीं खबर सांगता .

वीर सिंहान हयकार दितकच राकेस राजान सांगलें, राजवाडयाच्या
तळमजल्यार एके कुडींत तांकां हांवें बंदी करून दवरल्यात . वीरसिंहान
रोखडेच तांका सोडोवन हाडूंक लायले. हातीमाक बरे तरेन आशिल्लो
पळोवन ताका खोस जाली.

उपरांत वीरसिंहान आपल्या सरदाराक सांगलें, हया दुश्ट राकेसाक
पयलीं लासून मारात; ना जाल्यार आमचे वेलें अरिश्ट ना जावपाक ना. तें
आयकून राकेस ताच्या हातापांयां पडूं लागलो. पूण वीरसिंहान ताचो गुन्यांव
भगशिलो ना.

मागीर चार सेवकांक वांगडा दिवन हातीमाक विमानांत बसोवन
फुडल्या प्रवासाक धाडलो. वाटेर ते विसव घेवपापासून एका पर्वतार थांबले.
थंय एक गंधर्व राजकुंवर दुकां गळयत बशिल्लो तांणी पळतलो. हातीमान
ताचे म्हऱ्यांत वचून विचारलें, तूं कोण ? असो हांगा रडत कित्याक
बसला? राजकुंवरान परतें तांकाच विचारलें, तूं कोण? हांगा कसो पावलो?

हातीमान ताका आपण कोणं आनी खंय वना तें सांगलें आनी म्हळें, आता सांग, तुजें कितें जालां ?

गंधर्व राजकुंवरान सांगलें, म्हाराज एक फावट हांवें म्हज्या बापायच्या दरबारांत बरझाकच्या राजकुंवरीच्या रूपाची तुरंग्न आयकली. ती आयकून हांव तिच्या मोगांत पडलों आनी उट्न तडक तिच्या बापाय म्हऱ्यांत गेलों. हांवें तिका मागणी घाली. राजान दुसऱ्या दिसा दरबार भल्लो आनी म्हाका त्या मोतयाची काणी सांगूंक लायली. पूण म्हाका ती खबर नासली. ते बरोबर राजान सांगलें, त्या मोतयाच्या जल्माची काणी जो कोण सांगना ताकाच हांवें म्हजी धूव आनी मोतीं दिवपाचें थारायलां . म्हाका तर त्या मोतयाची कांयच खबर ना. म्हणटकच म्हाका ती राजकुंवरी कशीच मेळची ना म्हूण. हांव हांगा असो रडत बसलां.

ताची गजाल आयकून हातीमान ताका सांगलें, तूं म्हजे वांगडा चल. तुका ती राजकुंवर मेळोवन दिवपाचें काम म्हजें . राजकुंवरान दुखेस्न सुरान म्हळें, आरे ! आमकां गंधर्वांक जें खबर ना तें तुका, एका मनशाक, कितें खबर आसतलें? हातीमान म्हळें, जाका खासा देवूच राखना ताका अशक्य कितें आसा? चल तूं पळोवया कितें जाता तें. अशें सांगून ताका घेवन हातीम विमानांत बसलो.

तांचें विमान विकर्ण राकेसांच्या राज्यावेल्यान वचूंक लागलें. थंयच्या राकेसांनी विमान पळोवन सकल देंवयलें आनी तांकां बंदी करून विकर्ण राकेसाम्हऱ्यात व्हेले. विकर्णान तांची चवकशी करतकच तांणी सांगलें, आमी वीरसिंहाचे मनीस बरझाक शारांत वतात .
तें आयकून रागान विकर्णान विचारलें, वीरसिंह सोरोप जावन रानांतनांत फिरता. बेठेंच ताचें नांव घेतंनाकात तेन्नाच ताचें लक्ष गंधर्व राजकुंवराचेर गेलें, तशें ताणें म्हळें, तुजो बापूय म्हजो इश्ट म्हणून तुमका सोडटा. पूण हांकां मात हांवें बंदी केल्यात . ते बरोबर गंधर्व राजकुंवरान म्हळें, उपकार करून तुमी हांकां सोडात. म्हजें एक गरजेचें काम ते करचे आस्यात. तुमका खावंक मनशांच जाय जाल्यार हांव धा मनशां हाडून दितां तो वेळ मेरेन हांकां मात कांयच करूनाकात.

राजकुंवराचें सांगणें विकर्ण राकेसान मानून घेतलें. राजकुंवर विमान घेवन खूबकडेन भोंवलो. पूण ताका मनशां मेळ्ळीं ना. तेन्ना हातीमाक आनी

सेवकांक राखणदार न्हिदतकच पळोवन करचें अशें थारायलें
रातचें ताणे विमान हळूच हातीम न्हिदल्ला ते बागेंत देंवयलें. पारेकार गाड
न्हिदिल्ले, ताणें हळूच हातीमाक आनी सेवकांक उठोवन विमानांत बसोवन
व्हेले. थोड्या वेळान तांणी विमान एका गुपीत जाग्यार देंवयलें आनी त
सकयल देंवयले.

हांगा कितें जालें, विकर्णाच्या सेवकांक हातीम आनी ताचे सांगाती
पळून गेल्ल्याचें कळ्ळें. तांणी सगळेकडेन सोदासोद केली पूण तांका
कोणच मेळ्ळो ना. दोन दिसां उपरांत विकर्ण राकेसाक कैदी पळून गेल्ल्याचें
कळ्ळें. तांचे राखणेक दवरिल्ल्या शिपायकांक ताणें भयांकृत ख्यास्त दिली.

हातीम आनी हेर सगळे मुखार वनना तांकां एक अटंग्य रान लागलें.
तेन्ना गंधर्व राजकुंवरान सांगलें. हांगाच्या राकेसांची आनी आमची दुस्मानकाय
आसा. तेन्ना आमी हांगाच्यान कशे वतले ? सगल्यांकच चिंता जाली.
इतल्यांत हातीमाक राजहंसाच्या पाखांची याद जाली. ताणें राजकुंवराक
खोशेन सांगलें, हांव राकेस जालों जाल्यार तूं म्हजे वांगडा येवशीत ?
अजापान राजकुंवरान हयकार दिलो. हातीमान सेवकांक परत धाडले. ते
वतकच हातीमान राजहंसाचीं पाचवीं पाखां लासून तो गोबोर उदकांत
खिरोवन आंगाक लायलो. ते बरोबर तो राकेसावरी जालो. राजकुंवर आपल्याक
अजापान पळयता तें पळोवन हातीमान ताका राजहंसाची अर्दीच खबर
सांगली. मोतयाविशीं मात ताका कांयच सांगलें ना.

बरोच वेळ चलत वतकच पुरो जाल्ल्यान ते एका झाडा पोंदा सुस्त
बरे न्हिदले. थोड्या वेळान थंय काय राकेस आयले. तांणी तांची चवकशी
केली. तेन्ना हातीमान सांगलें. गंधर्व राजाच्या वीरसिंह नांवाच्या सेनापतीन
आमच्या शुर्पकर्ण राजाक जिवानिशीं मारलो आनी आमची राजधानी लुटून
पेटोवन दिली. वीरसिंहाचो एक मनीस बरझाक शारकडेन वतलो खंय.
आमच्या राजान गरजेभायर ताका बंदी केल्लो म्हूण रागान ताणें आमची
अशी लुटमार केली आनी राजधानी लासून उडयली. तो मनीस आता
बरझाक राजाकडेन गेलो. म्हजे वांगडा हो कर्मपुरीचो राजकुंवर आसा.
आमी मात्सो विसव घेवंक हांगा बसल्यात.

तांची खबर राकेसांक खरी दिसली. तांणी म्हळें, तुमी हांगा जाय
तितलो वेळ विसव घेयात. कोण तुमकां त्रास दिवचो ना. बरझाक शारकडेन

गेला त्या मनशाक स्पेदूंक आमी वतात . अशें सांगून ते गेले.

ते मात्से पयस पावतकच राजकुंवराक घेवन हातीम मुखार गेलो. कांय दीस चलून वतकच तांकां सात समुद्रांचो संगम मेळळो. आनां पलतडीन कशे वचप? हातीमान प्रस्न पडलो. तेन्ना राजकुंवरान म्हळें, भिवनाका हया राज्यांत दर्या पेंवन वचपी अशे तेजिश्ट घोडे आसात, हांव तांकां घेवन येतां .

राजकुंवर वतकच हातीमान धवीं पाखां लासून ताचो गोबोर कालोवन आंगाक लायलो. ते बरोबर तो आशिल्लो तसो मनीस जालो.

हेवटेन राजकुंवर आपल्या इश्टाक, सोमदत्त राजाक, मेळळो आनी येवपाचें कारण सांगलें. ताणें ताका खोशेन दोन घोडे दिले, ते घेवन तो हातीमा म्हऱ्यांत आयलो.

रोखडेच दोगय घोड्यार बसून दर्यावाटेन वचूंक लागले. बरी वाट वतकच हातीम अन्न- उदकाक लागून कासावीस जालो. राजकुंवरान ताका एक फळ खावंक दिलें. ते बरोबर हातीमाची भूक भागली आनी ताका तरतरसाण आयली. थोड्या वेळान ते पलतडीन पावले. हातीमान ते खंय पावल्यात तें राजकुंवराक विचारलें ताणे सांगलें महाराज ! बरझाक शारांत पांवक अजून धायेक दीस तरी प्रवास करचो पडटलो. म्हज्या बापायचें राज्य लागींच आसा. हांव थंयच्यान सैन्य हाडटां. तेमेरेन तूं हांगाच राव . हातीमान ताका हांसून विचारलें, विरुपात्तावांगडा लडाय करपाचो विचार आसा काय कितें? शी: शी: असो विचार लेगीत मनांत हाडूनाका. वाटेर येवपी अरिश्टां आडावपापासत हांव सैन्य हाडटां इतलें सांगून तो गेलो.

हातीम थंयच आशिल्ल्या एका उद्यानांत वचून बसलो. राजकुंवर आपल्या राजवाड्यांत आयलो. ताका पळोवन गंधर्वराजाक खूब खोस जाली. ताणें म्हळें, जायतेकडेन आमी तुका सोदलो, पूण तुजो पत्तोच लागलो ना. तुजे पासत आमी चिंतेत आशिल्ले. तुजो बरझाक शारांत वचपाचो हेत साध्य जालो? राजकुंवरान गेल्ल्या दिसाच्यान घडिल्ली गजाल बापायक सांगली. ती आयकून राजान म्हळें, आरे, जीं कामां गंधर्वाक कळनात नीं मनीस कितें करतलो ? राजकुंवरान ताका हातीमाची व्हडविकाय सांगली. वाटेर कशीं कशीं अरिश्टां येतात ती सांगून तांतल्यान पासार जावपापासत आपल्याक सैन्य जाय म्हणपाचें ताणें बापायक सांगलें. बापायन रोखडीच

सेनापतीक राजकुंवरावांगडा सैन्य घेवन बरझाक शारांत वचपाची आज्ञा केली. बापायक पांयां पडून राजकुंवर सैन्य घेवन हातीमा म्हऱ्यान आयलो. ताका वांगडा घेवन वाटेर येवपी अरिश्टां कडेन झुजत ते बरझाक शारा लागसार पावले.

हांगा विरूपाक्ष गंधर्वाक राजकुंवर कड सैन्य घेवन राज्याचे शिमेर आयला म्हणपाची खबर आपल्या हेरांकडल्यान कळ्ळी. रोखडीच रोखडीच आपल्या सैन्याची तयारी करून तो वाटेर येवन उबो रावलो. राजकुंवरान जेन्ना विरूपाक्ष सैन्य घेवन आयला तो पळेलो तेन्ना बेगीन बेगीन ताका रकाद धाडलो, हांव तुमचेकडेन युध्द करपाक येवं ना. येमेन देशाचो राजकुंवर हातीम हाका घेवन तुमकां मेळूंक आयला. हो रकाद मेळटकच खोशेन विरूपाक्षान तांकां येवकार दिलो. मागीर मिरवणुकीन तांका शारांत गेलो.

दुसऱ्या दिसा हातीमाक आनी गंधर्व राजकुंवरांक दरबारांत आपोवन हाडले. थंय हातीमान आपल्या येवपाचो हेत सांगलो. आनी आपले कडचो एक मोतीं ताचे मुखार दवरलो. राजान रोखडेंच सांगलें, हाचे असलें एक मोती म्हजेकडेनय आसा. पूण मोतयाच्या जल्माची काणी सांगतल्याक हांवें मोती आनी म्हजी धुव दितलों . हातीमान म्हळें म्हाराजा ! तुमची प्रतीज्ञा म्हाका खबर आसा. हांवें तो इतिहास सांगलो जाल्यार हांव सांगन ताचेलागीं तुमचे धुवेचें लग्न करून दिवशात? राजान हयकार दितकच ताणें मोतयांच्या जल्माची काणी सांगली. ती आयकून खोशेन राजान आपलेकडचें एक मोती हातीमाक दिलें आनी तुमी खरी राजाल सांगली म्हणू हें मोतीं तुमकां इनाम. आतां सांगात म्हजे चलयेचें लग्न कोणावांगडा करून दिवं ?

हातीमान गंधर्व राजकुंवराक मुखार आपोवन सांगलें, म्हाराजा ! हो म्हजो इश्ट गंधर्व राजकुंवर. हाचेकडेन तुमचे चलयेचें लग्न करून दियात राजान ते प्रमाण बरोसो म्हूर्त पळोवन थाटामाटांत लग्न करून दिले. मागीर हातीमान राजाचो निरोप घेतलो. राजान आपलें सैन्य वांगडा दिवन हातीमाक निरोप दिलो. राजान दिल्ल्या सैन्याच्या आदारान हातीम वाटेवेल्या अरिश्टांकडेन झगडत झुजत वीरसिंहाकडेन आयलो. हातीमाक बरे तरेन आयिल्लो पळोवन ताका खोस जाली. मागीर आपलें कांय सेवक वांगडा दिवन ताणें हातीमाक विमानांत बसोवन शहाबाद शारांत धाडलो. शहाबादेंन

पावतकच हातींम मुनिरशहा म्हऱ्यांत गेलो. मुनिरशहाक वांगडा घेवन तो हुस्नबानूक मेळ्ळो. तिका ताणें तें मोतीं दिलें. त्या मोतयाक पळोवन बानूक खोस जाल्ली तेन्नाच हातींमान म्हळें, हावें तुज्या सय प्रस्नांच्यो जापो दिल्यो. आतां सातवो प्रस्न सांग .

हमामबादगिर्दाची खबर हाडप हो म्हजो सातवो प्रस्न आनी निमणोय बी ताची जाप हाडटकच हांव तुमी सांगतात तशी वागूंक तयार आसा. दोन दीस विसव घेवन हातींम सातव्या प्रस्नाची सोदूंक भायर सरलो.

# १४. सातवो प्रश्न

निमण्या प्रस्नाची जाप गेखर्डीच सोडून हाडटल्लों, हया निश्चेवान हातीम शहाबाद शारांतल्यान भायर सरलो. भोंवन भोंवत तो एका शाराकडेन पावलो. थंय एक बांय आसल्ली. तिचे भोंवतणी कांय लोक उबे आसल्ले. हातीमान तांचे म्हऱ्यांत वचून विचारलें, कितें जालां? हांगा तुमी कित्याक जमल्यात? एका मनशान सांगलें, आमच्या गांवच्या वैजाचो चल्लो पिशांतुर कसो जाल्लो. जायते उपाय केले पूण ताका गूण आयल्लो नासल्लो. ताणें दोन दिसां पयलीं हया बांयत जीव दिलो. ताचें मडें वयर काडपाक आमी हांगा जमल्यात. कालच्यान जायत्या जाणांनी यत्न केलो. पूण मडें हाताक लागना. ताचे आवय-बापूय रडत आसात .

हातीम त्या दुखेस्त आवय-बपय म्हऱ्यांत गेलो आनी ताणें म्हळें, जें जलें तें जालें, आतां ताका कांयच उपाय ना. तुमच्या चल्याचें मडें हांव सोडून हाडटां. तितले म्हणसर तुमी बसून रावात.

तांकां इतलें सांगून हातीमान बांयत उडी मारली. आनी तळाक गेलो. पांय जमनीर तेंकतकीर ताणें दोळे उगडले, आनी कितें अजाप! आपूण बांयच्या तळाक नासून जमनीवेल्या एका पोरसांत आसां, अशें ताका दिसलें. थंयच्या सोबीत सैमाक तोखेता तोखेना मुखार वतना हातीम एका रत्नजडीत म्हाला म्हऱ्यांत पावलो.

म्हालाचें दार उगडें आसलें. हातीम भितर गेलो. थंय सगळेकडेन रंगरंगयाळी झुंबरां हुमकळटालीं. सकल बैठक घाल्ली. मदीं सोबीत अशीं रत्नजडीत सिंहासनां आसलीं. एकाचेर देवतेवरी सोबीत दिसपी एक अस्तुरी बशिल्ली, दुसऱ्या आसनार एक तरनाटो बशिल्लो. तांचे मुखार कांय सुंदऱ्यो नाच करतल्यो. थंय सगलो विलासी थाट मांडिल्लो.

सिंहासनार बशिल्ले अस्तुरेन हातीमाक पळेलो. तिणें ताका कुरू करून एका आसनार बसपाक सांगलें. थोड्या वेळान नाचाची कार्यावळ सोंपली. तेन्ना ते सोबीत अस्तुरेन हातीमाक विचारलें, तुमी कोण? हांगा कित्याक आनी कशे आयले? हातीमान आपणें बांयत कित्याक उडी मारली तें सांगून म्हळें, हांव येमेन देशाचो राजकुंवर. हमामाबाद गिर्दाची खबर हाडूंक भायर सरलां . ताचें उलोवणें आयकून थंय बशिल्ल्या तरनाट्यान म्हळें, म्हाराज! तुमी जाका सोदपाक बांयत उडी मारिल्ली तो तरनाटो

हांवच. एक दीस बांयचे धडेर हांव ओगगी बशिल्लों. तेन्नाच ही सुंदरी उदकांतल्यान वयर आयली. तिचें मन भुलोवणें रूप पळोवन हांव पिशातुर जालों . ती दिसची म्हणून हांव सदांच बांयचे धडेर येवन बसूंक लागलों तीय वयर येवन म्हाका पिसावन वेनाली .

निमणें एक दीस तिका मेळोवन घेवंक हांवें तिचे फाटोफाट बांयंत उडी घेतली. आनी हांगां पावलों. मागीर आमी गांधर्व पध्दतीन लग्न जाला आतां हांव खूब सुखी आसां. ताची खबर आयकून हातीमान म्हळें. हांगा जरी तूं सुखी आसलो तरी वयर तुजे आवय-बापूय तुजे पास्त दुख्खान पिशे जाल्यात. तांचेविशीं तुका कांयच दिसना? हय तांचेविशी म्हाका खूब कितें दिसता पूण...... ही जर सदां वयर येवन म्हाका मेळन जाल्यार हांव तुजे वांगडा वयर येन. तरणाट्यान म्हळें.

हातीमान गधंर्व सुंदरेक म्हळें, तुजे पासत हांगा येवन हो सुखी जालो पूण हाचे आवय-बापूय दुख्खान आकूळ-पिकूळ जाल्यात. तेन्ना हाका वयर धाडल्यार तुजे उपकार जातले. ते बरोबर ते सुंदरेन म्हळें, जे प्रमाण हो स्वताच हांगा आयला तसो ताच्यान स्वताच वयर वचूंयेना. हया त्रिभुवनांत दादल्यांवरी सुवार्थी जात दुसरी ना. हांव एक गधर्व अस्तुरी हें खबर आसुनय हो म्हाका वयर आपयता? तेन्ना हातीमान सांगलें, हवय एके गंधर्व अस्तुरेकडेन लग्न जालां. शिवाय वेगवगळ्या गधंर्व राज्यांत हांव भोंवडी करून आयलां. ताका लागून म्हाका तुमची सारकी बरी खबर आसा. मनीस आनी गधंर्व हांची जायतीं लग्नां हांवें पळेल्यांत .

हतीमाचें उलोवणें आयकून तिणें म्हळें, तुमची म्हणणी फट म्हणिना हांव, पूण खऱ्या मोगा शिवाय हांव त्याग कित्याक करूं? तें आयकून तरणाट्यान म्हळें, आवय बापायचो त्याग करून हांव बांयंत उडी मारून हांगा आयलों तो तुजेर मोग आसा म्हणूनच मूं? ताचें उलोवणें आयकून ते अस्तुरेन दासींक तुपान भरून व्हडलें लोखणें हाडूंक लायलें. आनी तूप सळळावंक लायले. मागीर तिणें म्हळें, खऱ्यांनीच तूं म्हजेर मोग करता जाल्यार तूं हया लोखण्यांत उडी मार . तो तरनाटो खऱ्यानीच उडी मारूंक गेलो. ते बरोबर ते अस्तुरेन ताका आडावन म्हळें, म्हज्या जिवा! खऱ्यांनीच तूं म्हजेर मोग करता!'

मागीर तिणें सेवकांक आपोवन हातीमाक आनी त्या तरनाट्याक बांयचे धडेर पावोवंक लायले. ते दोगय वयर आयले. आपलो

चलो हातीमावांगडा आसा तो पळोवन ताच्या आवय बापायक खूब खोस जाली. तांणीं हातीमाचे उपकार मानले. थंय जमिल्ल्या सगल्या गावकारांनीं हातीमाची तोखणाय केली. हातीमान थोडे दीस त्या गांवांत रावन तीं मधलें अस्तुरी दिल्लें उत्तर पाळटा काय तातें पळेलें. आनी मागीर फुडल्या प्रवासाक भायर सरलो.

कांय दिसांनी तो एका शारा लागसर पावलो. थंय ताची एका फकीरान चवकशी केली. हातीमान आपली खबर ताका सांगली. ते बरोबर फकिरान म्हळें, पुता! मात्सो मुखार वनकच म्हजो मठ आसा. आयचो दीस तूं थंय राव .

हातीम ताचे वांगडा मठांत आयलो. थोड्या वेळान फकिरान देवाक हात जोडून प्रार्थना म्हळी. ते बरोबर थंय जेवणाचीं दोन ताटां आयलीं. दोगय पोटभर जेवले. जेवले उपरांत फकिरान ताका म्हळें, पुता! तूं हमामाबादगिर्द पर्वतार वचपाचो बेत सोडून दी. थंय गेल्ले कोणच केन्ना परत येनात. थंय वचप म्हळ्यार मरण वेंगावप .

फकिराचें उलोवणें आयकून हातीमान म्हळें , म्हाराज! देवाचेर म्हजो पुराय विश्वास आसा. तो म्हाका कितल्याय भयांकृत अरिश्टांतल्यान वाटायतलो हाचेविशीं मातय दुबाव ना,. फकिरान म्हळें, तुका कांयच खबर ना म्हणून तूं अशें उलयता. तूं फुकट आपलो जीव वगडायतलो. हातीमान नमळायेन म्हळें. म्हाराज! आतां निमण्या प्रस्नावेळार हांव भिवन फाटीं सरलों जाल्यार परोपकार हेंच म्हजें ध्येय मानपी हांव फट थारतलों. शिवाय वचनभंगाचें पातक लागतलें तें वेगळें. म्हजे किर्तीक काजळी लागचे परस हांव खोशेन ही कूड सोडीन. हातीमाचो निश्चेव पळोवन फकीर वांगगी रावलो.

दुसऱ्या दीस फकीर हातीमावांगडा दोन रस्त्यांच्या जोडणार आयलो. आनी ताणें म्हळें, पुता! उजव्या हाताच्या रस्त्यान नीट वच म्हाणटकीर तुका खूब्ब उंच असो पर्वत लागतलो. मुखावेलो मार्ग भयांकृन आसा. तो सोंपतकच तूं परत दोन रस्त्यांच्या जोडणार पावतलो. थ्यंयच्यान दाव्या हाताच्या रस्त्यान वच . फकिराक नमस्कार करून हातीम ताणें सांगिल्ले वाटेन वचूंक लागलो. थोड्या दिसांनी तो एका शारांत पावलो. थंय एक व्हड माटोव घाल्लो. कितलेच जाण कांय वाद्यां व्हडाव्हडान वाजयताले.

हातीमान म्हऱ्यांत वचून चवकशी केली. तेन्ना गांवकारांनी ताका सांगलें, दर वर्सा हया गांवांत एक भुजंग मनीस रूप घेवन येता. मागीर गांवांतल्या सगल्या भुरग्यांक हांगा हाडटात. तातूंतलो ताका आवडटा तो एक भुरगो ताका दिवप. भुजंग येवचो वेळ जाला. ताका येवकार दिवंक खोशेन हीं वाजंत्रां वाजयतात. खरें म्हळ्यार, लोक वयल्यान खोशी आसात शे दाखयतात. पूण भितल्ल्यान ते दुख्खान हुलपतात आनी रागान धगधगल्यात.

तांची खबर आयकून हातीमान संगलें, त्या सोरपाक मारून उडोवन हांव तुमच्या भुरग्या बाळांचे जीव वाटायतां. पूण म्हजेर अरिश्ट आयल्यार म्हाका आदार करपाचे जय्यत तयारेंत रावात .

हातीमाचें हें उलोवप राजाच्या कानार पावलें. ताणें ताका राजवाड्यांत आपोवन घेतलो. थंय राजाकडेन उलोवन हातीमान सांगलें, तो सोरोप येतकच ताका सांगात, आमच्या सार्वभौम राजाचो पूत हांगा आयला. ताची मान्यताय घेतल्या शिवाय दर वर्सा प्रमाण तुमकां भुरगो दिवप म्हज्या हातांत ना.

थोड्या वेळान तो भुजंग आयिल्ल्याची बातमी आयली. मनीस-रूपांतलो तो सोरोप राजा सांगता बसून जेवंक लागलो. तेन्ना हो सोरोप न्हय तर मायावी राकेस जावन आसा हें हातीमाक कळ्ळें . पूण ताणें वयल्यान कांयच दाखयलें ना. जेवन जातकच भुजंगान आतां भुरगीं हाडात असो हुकूम केलो. राजान सगळीं भुरगीं ताचे सामकार हाडून उबी केलीं. तातूंतलो एक सोबीत भुरगो ताणें पसंत केलो. तेन्नाच रजान म्हळें, दर वर्सा हांव तुमकां तुमचे आवडीचो भुरगो दितालों. पूण आज आमच्या सार्वभैमा राजाचो पूत हांगा आयिल्लेकडेन आसा. ताचे मान्यतायेशिवाय हांव तुमकां जाय आशिल्लो भुरगो दिवंक शकना.

राजाचें उलोवणे आयकून राकेसान संतापून म्हळें, ताका पयलीं म्हजे मुखार हाडात. हातीम मुखार येतकच राकेसान निर्शेल्ल्या सुरान म्हळें, हातीम, आतां हांकां तूं आदार करतलो? तुका हांव पुराय वळखतां. म्हणूनच कोण्णाक व्हरनासतना हांव परत वतां.

ताचो डाव वळखून हातीमान रोखडेच म्हळे, तुजे रितीप्रमाण तुका आवडिल्लो भुरगो घेवन वच. पूण सोयऱ्यांक येवकार दिवपाचे आमचे रितीप्रमाण तूं हें उदक पी. राकेस उदक पियेलो. ते बरोबर ताची सगळी

शक्त नाच जाली. वांग्वेल्लकन्येन दिल्लें मोती आगीन त्या राकसाक हातीमान घाल्लें मागीर तागें मनीस-रूप घेतिल्ल्या त्या राकसाक गळे पेटून घालो. धाकणं घाल्लें आनी तीं पेट राकेस सेवकांकडेन शिवन राज्याचे शिमेभायर करून लासपाक सांगली. राकेसान तातूंतल्यान भायर सरपाचो जायतो यत्न केलो , पूण ताची शक्त ना जाल्ल्यान निमाणें तो जळून गेलो.

राकेसाचो नाश केल्ल्यान गांवकारांक खूब खोस जाली. तांणीं जयजयकार करीत हातीमाक मिरवणुकीन राज्यांत व्हडून चार दीस मोटो उत्सव साजरो केलो.

मागीर हातीम सगल्यांचो निरोप घेवन भायर सरलो. पूण रस्तो चुकून एका भयांकृन रानांत पावलो. थंय जायत्या संकश्टांकडेन झुजून तो एका मळार पावलो. थंयच्यान थोडो वेळ चलून वतकच ताका खूबूच क्रूर अशीं सावदां फिरतान तीं दिश्टी पडलीं, तातूंतल्या कांय जाणांनी हातीमाक पळयतकच, तीं ताच्या आंगार आयलीं. तेन्नाच तो फकीर थंय प्रगट जालो. ताणें हातीमाक म्हळें, हांवें सांगिल्ल्या मार्गान तूं वचुंना म्हूण हया संकटांत सांपडलो . हातीमान फकिराचे पांय धरले. फकिरान मायेस्त आवाजान म्हळें, पुता! धीर सोडुंनाका. वांग्वेल कन्येन दिल्लें मोती तोंडांत धर. तस्सो हया अरिश्टांतल्यान वाटावतलो.

हातीमान वेळ वगडायनासतना तें मोती तोंडांत धरलें. थोड्या वेळान सगळीं जनावरां मरून पडलीं. हातीमाचो मार्ग मेकळो जालो. मागीर भोंवता भोंवता हातीम विलासपूर राज्यांत आयलो.

थंयच्या राजाची भेट घेवची अशें थारावन तो बऱ्योच भेटी घेवन दरबारांत गेलो. राजान खोशेन ताच्यो भेटी घेतल्यो. हातीमाची कीर्त ताणें आयकल्ली. थोडे दीस राजान ताका दरबारांत दवरून घेतलो. हातीम आनी राजा सदां मेळटाले. एक दीस राजान हातीमाक म्हळें, तुमची कितेंय इत्सा आसल्यार सांगता. हांवे ती रोखडीच पूर्ण करतां .

हातिमान राजाक सांगलें, म्हाराज! तुमचे हद्देंत हमामावादागिर्द नांवाचो पर्वत आसा. थंय वचून तो पळोवचो अशी म्हजी इत्सा आसा. तुमी मान्यताय दिली जाल्यार म्हजी इत्सा पूर्ण जातली . हातीमाची मागणी आयकून राजा दुख्खी जालो. थोडो वेळ वोग्गी रावतकच दुखेस्त सुरान राजान म्हळें, थंय गेल्लो एक्कय मनीस आजवेर परत येवंक ना. म्हणून

आनीक खंयच्याय मनशाक हांव त्या पर्वतार वचूंक दिवचों ना अशी हांवें प्रतिज्ञा केल्या. तातूंत तुमचे सारक्या मनशाक, म्हज्या इश्टाक, मरणाच दाडेंत धुकळपाचें पातक हांव करपाक ना .

हातीमान मुनीर शहा आनी हुस्नबानूची गजाल राजाक सांगली. आनी स प्रस्नांच्यो जापो सोदपापासत आपूण कशे कशे त्रास काडून जैतवंत जालों. तेंय सांगलें. निमणें राजान ताका वचपाक मान्यताय दिली.

थोडे दीस चलतकच हातीम पर्वतार पावलो. थंयच्या राखणदारान ताका आडायलो. राजाआज्ञेचें पत्र दाखयतकच राखणदारान ताका इमामखान्याच्या दाराकडेन व्हरून सोडलो. इमामखन्याचें दार शंबर फूट उंच आसलें. त्या दारार बरयिल्लें, शूरसेन राजान पर्वतावेल्या हया इमामखन्यांत इंद्रजाळ करून दवरलां. ताका लागून भितर गेल्लो कोणच मनीस आजून मेरेन परत भायर येवंक ना . दारार बरयिल्लें वाक्य वाचून हातीमान फाटल्यान पळेलें. थंय तो राखणदार नासलो. परत हेवटेन पळे जाल्यार तें दारय नासलें. अजापान हातीम मुखार सरलो. मात्सो मुखार वतकच ताका एक मनीस दिसलो. हातीमान ताका सलाम करतकच ताणेंय परतो सलाम केलो आनी हातीमाक एक हारसो दिलो. त्या हारशांत पळयतकच ताका इमामखानो दिसलो. म्हाका थंय वचूंक जाय म्हूण हातीमान त्या मनशाक सांगलें ताणें ताका इमामखन्यांत व्हेलो.

थंय आशिल्ल्या एका तांबड्या रंगाच्या तळ्ुलाकडेन हातीमाक बसोवन ताचे तकलेर तीन तांबये उदक घालतकच प्रलय जाल्लेवरी प्रचंड गडागडाट जालो. चोंयवटेन काळो किट्ट काळोख जालो. थोड्या वेळान सगळेकडेंअन शांत जालें. तळ्ुलांतल्या उदकावांगडाच इमामखान्याच्या कळसाची उंचाय वाडटा अशें ताका दिसलें. तो वाडट्या उदकांत पळोवंक लागलो इतल्यांत उदक कळसामेरेन पावलें. ते बरोबर हातीमान कळसाक घट्ट धरलें. तसो व्हड आवाज जावन आपूण एका रानांत उबो आसा हें हातीमान पळयलें. थंय तरेकवार पदार्थ वाडून दवरिल्ले. तांनल्ले. थोडे पदार्थ हातीमान खाले. पूण ताची भूक भागली ना. मुखार वतकच एका सालांत संगमरवरी पाशाणाचे पुतळे करून दवरिल्ले.

इतल्यांत एक पोपट मनशावरी उलयलो, आरे मनशा! बेटोच तुजो जीव त्रासांत कित्याक घाल्लो? आवाज आयकून कच्च करून हातीमान

आंग काडलें. तेन्नाच ताणें फानरगांत कोगंतिल्लें वग्प पळेलें.

त्या कोगंतिल्या लेखांत आशिल्लें हे मनशा! हया जाग्यार तू आयल्ला खरो पूण तुका परत वचूंक मेळचें ना. शूरसेन राजान पयलीं एक अमूल्य असो हिरो मेळोवपाचो जायतो यत्न केलो, पूण ताका येस आयलें ना. तेन्ना ताणें तो हिरो आनीक कोणाकच केन्नाच मेळूंनये म्हणून जायत्या हुशार जादुगारांच्या आदारान हें इंद्रजाळ तयार केलें. हया मनभुलोवण्या म्हालांत आशिल्ल्या किराच्या पोटांत तो हिरो आसा. तुका स्वताची सोडवणूक करून घेवंक जाय जाल्यार त्या सालांत चौरंगाचेर. अशिल्ल्या धनुष्य बाणान किराक जितो मार. मागीर तुजी खात्रीन सुटका जातली. तीन बाणांनी कीर मेलो ना जाल्यार मात तूंय फातराचो पुतळो जावन हांगा पडटलो . तो सगळो लेख वाचून खिणभर हातीमाक थंय आयिल्ल्याचो पश्चाताप जालो. थंयचे सगळे पुतळे म्हळयार आपलेवरिच थंय आयिल्ले हट्टी आस्तले हें ताका कळ्ळें.

देवाचे दयेन जें जावपाचें आसा तें जातलें. आपणें आपल्या कर्तव्यांत फाटीं सरूंनये असो निश्चेव करतकच ताका धीर आयलो आनी ताणें नेटान पयलो बाण सोडलो. तो बाण फुकट गेलो तेन्ना हातीमाचें धोंपरमेरेन आंग फातराचें जालें तेन्ना कीर परत उलोवंक लागलो. बाब रे अजून वेळ वचुंना. बेठोच असो आपलोच घात करूंनाका. किराचीं उतरां आयकून हातीमाचें अवसान गळसणलें.

तेय स्थितींत ताणें मन घट्ट केलें. हातांतलें काम अर्दार सोडचोंना असो निश्चव केलो आनी दुसरो बाण सोडलो. तोय चुकलो. तशें ताचें कमर मेरेन आंग फातरांचें जालें. आतां हातीमाचो धीर खचूंक लागलो. हातांतलें काम अर्दार सोडचें पडना जाल्यार पुरो असो भंय ताच्या मनांत उप्रासलो. तिसरो बाण मारनासताना वचूंकय मेळना. अर्दी कूड फातर जाल्या. हातूंतल्यान. कसो सुट्टलों हांव? मनांतल्या मनांत तो विचार करूंक लागलो. निमणें देवाचेर भार घालून ताणें मुखार सरपाचें थारायलें. देवाची प्रार्थना करून ताणें धणू उखलून बाण सोडलो. तो बाण सूं सूं करून वचून नेमको किराचे गोमटेक लागलो. ते बरोबर कीर मरून पडलो. आनी आकांताचो आवाज जालो. खिणभर कितें जालें ते हातीमाक कळ्ळेंच ना. ताणें गच्च दोळे धांपले आनी देवाचो धांवो करूंक लागलो. निमणें आपणें सातवो प्रस्न

सोडयलो ना आनी वचनभंग केलो म्हूण ताका वायट दिसलें. हातीमाच्या मनांत अशे विचार घुंवत आसतानाच थोड्या वेळान सगळे कडेन किरांव थंडाय पातळळी.

ते बरोबर हातीमान हळूच दोळे उगडले. तशें ताका अजाप जालें. थंयचो तो म्हाल, इंद्रजाळ, सगळें सगळें नाच्च जाल्लें. किराची मेल्ली कूड मात थंय पडिल्ली. लागींच एक तेजस्वी असो हिरो पडिल्लो. ताणें तो उखलतकच ते फातराचे पुतळे परत मनीस जाले.

ते सगळे हातीमाक विचारूंक लागले, आमी परत मनीस कशे जाले? हातीमान तांकां सगळी घडणूक सांगली. तांणी हात जोडून म्हळें. म्हाराज! तुमचे उपकार आमी हया जल्मांत पावोवंक शकचे नात. आमी सदांच तुमच्या रिणांत उरतले . हातीमान रोखडेंच म्हळें, करपी हांव कोण? सगळें देवान करून घेतलां,.

उपरांत ते सगळे परत येवन राखणदाराक मेळ्ळे. सगल्यांक सोडोवपी हातीमाची तांणी तोखणाय केली. थोड्या वेळान हातीमान तांकां सगल्यांक आपाआपल्या घरा वचूंक सांगले आनी आपूण विलासपूर राज्यांत गेलो. हातीम बरे तरेन आयिल्लो पळोवन राजान ताका खोशेन वेगांत घेतलो. उपरांत हातीमान थंय घडिल्ली सगळी घडणूक राजाक सांगली. मागीर ताणें शहाबादेंत परत वचपाची परवानगी मागली. राजान आग्रो करून ताका चार दीस दवरून घेतलो आनी उपरांत निरोप दिलो.

थंयच्यान भोंवत भोंवत हातीम शहाबाद शारांत आयलो. सगल्यांत पयलीं तो धर्मशाळेंत वचून मुनिरशहाक मेळळो आनी सातव्या प्रस्नाची जाप मेळिल्ल्याची गजाल ताणें सांगलीं. मुनिरशहाचे खोशेक शीम मेर उरली ना. ताणें काळजाथावन हातीमाचे उपकार आठयले.

हातीम ताका घेवन हुस्नबानूक वचून मेळ्ळो. हातीमान सातव्या प्रस्नाची जाप सांगून तिका तें रत्न दाखयलें. हातीमाची गजाल आयकून हांसून हुस्नबानून म्हळें, तुमी म्हज्या सगल्या प्रस्नांच्यो खऱ्यो खऱ्यो जापो दिल्यो. तेन्ना आतां तुमी सांगशात तें आयकूंक हांव तयार आसां . ते बरोबर हातीमान म्हळें, ज्या म्हज्या इश्टापासत हावें इतले त्रास सोंसून तुज्या सातय प्रस्नांच्यो जापो सोदल्यो, त्या इश्टाकडेन तुवें लग्न जावचें अशी म्हजी इत्सा!

मुनिरशहा रूपेस्त नसो गुणेस्त राजकुंवर आसल्लो. हुस्नबानूक तो पयलींच मानिल्लो. पूण आपल्यो अटी पुराय जावचेपासत तो राविल्लो. त्यो पुराय जातकच तिणें लग्नाक मान्यताय दिल्ली.

मागीर एक दीस आपल्या गुरूक आपोवन बरेंसो म्हूर्त काडूंक लावन मुनिरशहाकडेन ती लग्न जाली.

हुस्नबानू आनी मुनिरशहाच्या आग्र्याक लागून हातीम म्हयनोभर सुमार शहाबाद शारांत खोशेन रावलो. मागीर हमामाबादगिर्द पर्वतावेल्यान हाडिल्लो हिरो ताणें सेवकांकडल्यान विलासपूरच्या राजाकडेन धाडून दिलो. थोड्या दिसांनी हातीमान तांचेकडेन निरोप मागलो.

आपले पासत तरेकवार यातना हाल अपेश्टां सोंसपी आपलो इश्ट वतलो म्हणून मुनिरशहाक खूब वायट दिसलें. हुस्नबानूकय वायट दिसलें. आपल्याक आवडिल्लीं अशीं कांय मोलादीक रत्नां आनी हेर वस्तू तागीं हातीमाक भेट म्हणून दिल्यो हातीमान तांका मनापसून आशिर्वाद दिलो आनी तो आपल्या राज्यांत वचूंक भायर सरलो. सगळ्यांनी ताका भरिल्ल्या दोळ्यांनी निरोप दिलो.

# १५. मायभुयेंत हातीम

हुस्नबानू आनी मुनिरशहाचो निरोप घेवन हातीम आपले मायभुयेंत, येमेन राज्यांत आयलो. तो आयिल्ल्याची खबर कळटकच ताच्या आवय-बापायक अनी राज्यांतल्या सगळ्या ल्हान-व्हाडांक खोस जाली. राज्याचे शिमेर सगळी प्रजा ताका येवकार दिवंक गेली. आनंदान नाचत आयिल्ले रयतेक पळोवन हातीम आपले कश्ट त्रास विसरून खुशालभरीत जालो. लोकांनी फुलांच्यो पांयघड्यो घालून ताका राजवाड्यांत हाडलो. वाटभर सवायशिणी ताचेर फुलांच्यो शिंवर करताल्यो.

राजवाड्यांत पावतकच बादशहान हातीमाक वेंगेंत घेतलो. दोगांयच्याय दोळ्यांतल्यान घळघळीत दुकां देंवतालीं. दरबारी लोकांनी लेगीत आपलीं दुकां पुसलीं. मागीर हातीम भितर वचून आपले आवयक आनी भुवनसुंदरीक वचून मेळ्ळो.

दुसऱ्या दिसा तईराजाम हातीमाक सांगलें, पुता! आतां हाचे मुखार तूं खंयच वचनासतना हें राज्य सांबाळचें अशें म्हजी इत्सा.म्हजें आतां वय जालां. राज्याचो भार हांव तुजेर घालूंक सोदतां . हातीमान हांसून म्हळें, बाबा ! हांव सगल्या जगाचो अणभव घेवन आयलां. फकत दुसऱ्यांचेर उपकार करूंक भायर सरिल्लों. आतां हांव खंयच वचचों ना. अशें तुमकां वचन दितां . पुताचें उलोवणें आयकून तईराजाक खोस जाली.

उपरांत एक दीस बरोसो म्हूर्त पळोवन तईराजान हातीमाक राज्याभिशेक केलो. त्या वेळार राजान खूब दान धर्म केलो. मागीर हातीमान खूब वर्सां नेकीन राज्य केलें. दुश्टांचो तो कर्दनकाळ आसलो. कोणाचेरच अन्याय करिनासतना सत्यान आनी न्यायान राज्य करून ताणें आपले प्रजेक सुखी केली.

*********





**श्रीमती माया अनिल खरंगटे**
सी-४-१, वैभव अपार्टमेन्ट्स
मारुती देवळालागीं,
दवर्ली, नावेली, गोंय ४०३ ७०७
फोन : २७५३७७८
शिक्षण - बी. ए., बी. एड्., बालवाडी कोर्स
व्यवसाय - शिक्षिका

फाटल्या सत्तावीस वर्सासाकून बरयता. कविता, कथा, लेख, बालसाहित्य अशें विवीध लेखन. दिवाळी, वर्सुकी अंक, रेडियो, टी. व्ही. हांचेर प्रसिद्धी.

१९९८-९९ वर्साचो N. C. E. R.T. चो **बालसाहित्याचो पुरस्कार.**

२००३ वर्साचो कुडचडें, गोंयच्या कोंकणी कला आनी साहित्य केंद्राचो **बालसाहित्य पुरस्कार.**

**आजवेर छापून आयिल्लीं पुस्तकां–**

१. कयपंजी (कवितासंग्रह)
२. घोंटेर (कथासंग्रह)
३. मळबझेंप (कथासंग्रह)

**अणकार :**

१. निकोबारच्यो लोककाणयों

**बालसाहित्य :**

१. कोलेदादाची पालखी (काणयो)
२. स्वामी विवेकानंद (चरित्र)
३. चौफूल (नाटकुलीं)
४. रवीन्द्रनाथ टागोर (चरित्र)
५. निलम (धाडसकाणी)
६. शिटूक शकू (धाडसकाणी)
७. एकवट (काणयो)
८. गांधीजी (चरित्र)
९. शणै गोंयबाब (चरित्र)
१०. रानाच्या मनांत (बालनवलिका)

**अणकारीत बालसाहित्य**

१. गलिव्हराची भोंवडी
२. काणी एका गुलामाची
३. कामापुरतो मामा
४. शींव आनी बैल
५. राजकुंवरी मारिया
६. व्हड बुद्धीचो ल्हान इव्हान
७. रॉबीनन्सन क्रुसो

ॐ श्री दत्त पद्मजा प्रकाशन, श्रीस्थळ, काणकोण, गोंय